
जाग

वर्ष २६ * आंक ६ * जानेवारी २०००



जाग

र्ष ६ ◇ आंक ६ ◇ जानेवारी २०००

पातौ : रवीन्द्र केळेकार

बुरं संपादपी : माधवी सरदेसाय

उजावपी : सुमन्त केळेकार
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय.

अक्षरजुळणी : तन्वी ग्राफिक्स,
बी-०४, आषाढ, माडेल, मडगांव.

छापप : प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स,
कुंडय इंडस्ट्रियल इस्टेट, कुंडय, गोंय.

वरचेत्र : कोमरपंत

ह्या आंकांत

...की पटी	: रु. १००/-
...द्यार्थ्यांखातीर	: रु. ७५/-
...वर्सांची पटी	: रु. २५०/-

...वा ड्राफ्ट Jaag Monthly च्या नांवाचो आसचो.
...मडगांव भायले बँकेचो आसल्यार रकमेंत
...पये अदीक जोडचे)

...चो नामो :
...ग म्हयनाळें
...-बी, सालदेल अपार्टमेन्ट्स
...द साउदादिश, पाजीफोंड,
...व – गोंय ४०३ ६०१.
...ळ आंकाचें मोल : रु. ९/-

नदर संपादप्याची

ते ना जावंक नात

हो वांचून उरलो जाल्यार मुसलमान माथ्यार बसतले, सगळ्या हिन्दुंची सुन्ता जातली, हाचें अवतारकार्य सोंपयल्लें बरें, अशें थारावन तांणी गांधींच्या हड्ड्यार तीन गुळयो सोडल्यो आनी तांची हत्या केली.

'हे राम' म्हणून गांधींची कूड पडली. पुणून गांधी सोंपल्यात व्हय ?

हे आर्दींय तांणी असल्योच चुको केल्यात. सोक्रतीश भुरग्यांक चिंतूंक शिकयता; तो वांचून उरलो जाल्यार भुरग्यांची वाट लायतलो अशें येवजून तांणी सोक्रतीशाक विक्ख घालून मारिल्लो.

सोक्रतीशाची कूड मेली. सोक्रतीश मेला व्हय ?

सोक्रतीशाक विक्ख घालून मारलो तसो ख्रिस्ताक तांणी खुर्सार खिळे ठोकून मारलो. ख्रिस्त ना जावंक पावला व्हय ?

जे मरपा खातीर जल्माक येनात तांकां मारले म्हूण ते ना जायनात. सोक्रतीशाचो प्रभाव आयज, अडेज हजार वर्सां उपरांत लेगीत, येवरोपांतल्या विचारवंतांचेर अक्षुण्ण रुपान पळोवंक मेळटा. येशूच्या प्रभावान तागेल्या शिष्यांनी केदी भव्य संस्कृताय फाटल्या दोन हजार वर्सांत संवसारभर उबी केल्या !

सोक्रतीश ना जावंक ना, ख्रिस्त ना जावंक ना.

तशे गांधीय ना जावंक नात. ते अजून आसात. आयजूय ते वेगळीं वेगळीं रुपां घेवन संवसारभर वावरत आसात.

गांधी सदां म्हणटाले, 'अन्याय ना करपाक जल्माक आयिल्ले आमी झुजारी. आमी यमा म्हऱ्यांतूच न्हिदूंक जाय. तुका जाय तेन्ना आमकां घेवन वच, आमी तुजे मांडयेरूच न्हिदल्यात, अशें ताका सांगूंक जाय. आमी, हे भाशेन, जियेवंक पावले जाल्यार कितेंय तरी करूंक पावतले. आमकां संवसाराची राजनीत, अर्थनीत, धर्मनीत मुळा सावन बदलपाची आसा. मरणा कडेन ताल धरुनूच आमी जियेवंक जाय.'

आनी खासा ते आयुष्यभर मरणा कडेन ताल धरून जियेत आयिल्ले.

तांचेर थोडे हल्ले जावंक नात.

तांचेर पयलो हल्लो जालो तो १८९७त. आदल्या तीन वर्सां पसून ते दक्षीण आफ्रिकेंतल्या हिन्दी लोकांचेर थंयचें सरकार करता त्या अन्यायांक वाचा फोडपाचें काम करताले. हें काम कितलीं वर्सां चलत, सांगूंक येनाशिल्लें. पंदरा वीस वर्सां लेगीत चलूं येता अशें तांकां दिसपाक लागलें. घरकान्न हिन्दुस्तानांत आशिल्ली. तिचे भायर, दोग धाकले भुरगेय आशिल्ले. तांकांय दक्षीण आफ्रिकेक घेवन येवचें अशें तांच्या मनांत आयलें आनी ते कांय म्हयन्यांची सुटी घेवन मायदेसाक आयले. बोटीर मेळिल्ले उसरपर्तींत तांणी ल्हानशी एक पुस्तिका बरोवन काडली. दक्षीण आफ्रिकेंतल्या हिन्दी लोकांचेर कसले कसले अन्याय जातात हाचीं वर्णनां तांणी हे पुस्तिकेंत केल्लीं. मायदेसाक पावनाफुडें तांणी ही पुस्तिका छापून घेतली आनी तिच्यो प्रती हिन्दुस्तानांतल्या फुडाऱ्यांक आनी नामनेच्या पत्रकारांक धाडून दिल्यो. 'रॉयटर' नांवाचे खबरो दिवपी संस्थेन तिचें एक विकृत रूप दक्षीण आफ्रिकेंतल्या खबरेपत्रांक धाडून दिलें. गोऱ्या लोकांनी तें वाचलें आनी ते खुबले. गांधी घरकान्नीक घेवन जे बोटीर चडिल्ले ती डर्बन बंदरार पावली तेन्ना गोऱ्या लोकांनी बोटिच्या कप्तानाक सांगलें, आमी कोणाकूच बंदरार देंवंक दिवपाचे नात. तेवीस दीस बोट दर्यांत उरली. कोणाकूच देंवूंक मेळ्ळें ना. तेविसाव्या दिसा गोरे मात्शे मोव पडले आनी तांणी बोटिच्या कप्तानाक सांगून धाडलें, एक गांधी सोडून हेरां सगळ्यांक देंवयल्यार

जाता. सगळे देंवले. तांचे वांगडा कस्तुरबा आनी तिगेले दोग पुतूय देंवले. फकत गांधी बोटीर उरले. पुणून ते थोडेंच बोटीर रावतले आशिल्ले. सगळे देंवन गेले उपरांत तेवूय देंवले. देंवन धक्या भायर आयले. थंय तांकां एक रिक्षा दिश्टी पडली. तांणी ती थांबयली. रिक्षा चलोवपी एक निग्रो आशिल्लो. तो गांधींक वळखलो. 'हाचेर गोरे लोक खुबल्यात... हो म्हजे रिक्षेंत बशिल्लो तांकां दिश्टी पडलो जाल्यार ते रिक्षेंतल्यान ताका भायर ओडून काडटले आनी मारतले... म्हजी रिक्षाय मोडून उडयतले' अशें येवजून गांधींक घेनासतना तो मुखार गेलो. चलत घरा वचचें अशें येवजून गांधी चलूंक लागले. वाटेर एके कडेन कांय गोरे भुरगे खेळटाले. ते गांधींक वळखले. 'गँडी, गँडी' तांणी गजर सुरू केलो. गजर आयकून तांगेले आवय बापूय भायर आयले. आनी हाताक लागता तो फातर, गुंडो, विटे कुडको गांधींचेर शेंवटून मारपाक लागले. एकल्यान गांधींक धुकलून जमनीर उडयले. ताणें मारपाक खोंट उबारचे पयलींच पडिल्ले गांधी उठून उबे रावले. परतेय फातर गुंडे तांचेर पडपाक लागले. म्हऱ्यांत एका बंगल्याचें फाटक तांकां दिश्टी पडलें. ताच्या सरयांक घट धरून ते मार खायत रावले. योगायोगान थंयच्या पोलीस सुपरिंटेण्डेन्टाची घरकान्न घोड्या गाडयेंत बसून ते वटेनच्यान वताली. ती गांधींक वळखली. गाडी थांबोवन ती धांवत आयली आनी आपणाले फुलयल्ले सत्रेचेर फातर गुंडे झेलीत रावली. गांधी वाटावले.

उपरांत कितें जालें तें सगळ्यांक खबर आसा. 'गांधींचेर हल्लो करतल्यां आड केस चलयात' अशें इंग्लंडच्या सरकाराक दक्षीण आफ्रिकेंतल्या सरकारान सांगलें. गांधींनी केस केली ना, सरकाराकूय करूंक दिली ना.

हो तांचेर जाल्लो पयलो हल्लो.

दुसरो जालो तो धा वर्सां उपरांत. १९०८त. हो हल्लो आदल्या हल्ल्या परस अदीक जीवघेणो आशिल्लो. ते भायर, तो गोऱ्यांनी वा काळ्यांनी करूंक नाशिल्लो. तांगेल्याच एका पठाण सांगात्यान केल्लो. 'हाणें सरकारा कडल्यान पंदरा हजार पौंड घेवन चळवळ फाटीं घेतल्या... हाणें आमचो विस्वासघात केला' असो ताचो गांधीं संबंदान अपसमज जाल्लो. ताणें गांधींचे तकलेर तोणको हाणलो. 'हे राम' म्हणून गांधी कोंसळ्ळे. ते बेसुद्द जाले. ह्या पठाणा आडूय गांधींनी केस केली ना. कोणाक करूंक दिली ना. कांय दिसांनी त्या पठाणाचो अपसमज पयस जालो आनी तो गांधींचो एक बऱ्यांतलो बरो सांगाती जालो, ही गजाल वेगळी.

सुमार एकवीस वर्सां दक्षीण आफ्रिकेंत काम करून ते मायदेसाक परतले तेन्ना तांच्या हातांत सत्याग्रह नांवाचें एक दिव्यास्त्र आशिल्लें. ह्या अस्त्रान ते देश स्वतंत्र करपाक मुखार सरले.

सगळ्यांत पयलो तांणी सत्याग्रह केलो तो रौलेट बिलां आड. हो सत्याग्रह शिमो हुंपून मुखार वचपाक लागलो तेन्ना तांणी रोखडोच तो फाटीं घेतलो. फाटीं घेवंक नाशिल्लो जाल्यार लोक हाताभायर वतले आशिल्ले. आनी सरकाराची दडपशाय मोलावन घेतले आशिल्ले. सरकाराक कसलेच तरेची दडपशाय करपाची संद गांधी दिवंक सोदी नाशिल्ले. दडपशायेन लोक तकलीच वयर काडचे नाशिल्ले. पुणून गांधींची ही 'नीत' लोक समजूंक पावले नात. 'आपणा हाता भायर वता म्हूण गांधींनी सत्याग्रह फाटीं घेतला' अशें ते म्हणपाक लागले. पंजाबांतले कांय शीख तरणाटे खुबले. 'तुमी असो अवसानघात केलो म्हूण जालियांवाला बागेंतलें हत्याकांड जावंक पावलें' अशे तरेचे आरोप करून ते गांधींक मारपाचे बेत करपाक लागले. मारप जमलें ना ही गजाल वेगळी.

१९३४त गांधींनी हिन्दू समाजांतल्या आफुडभश्टा आड चळवळ सुरू केली. ती पळोवन 'सनातनी' हिन्दू तांचेर खुबले. 'हो पाखंडी, नास्तीक, हिन्दू धर्म हो ना करतलो' अशें म्हणून ते हिन्दूंक खुबळावपाक लागले.

ओडिसांतले भोंवडेंत गांधी जगन्नाथ पुरीक पावल्यात तेन्ना 'आमी तु[illegible] मारतले म्हळ्यार मारतलेच' अशें सनातन्यांनी तांकां सांगून धाडलें. गां[illegible] यात्रा मोटारीन चलताली. 'हांकां न्हांकां सोदपाचो त्रास पडचो न्हय' येवजून गांधी मोटारी बदला पांयांनी भोंवपाक लागले. मारपाचें का[illegible] कोणाक जालें ना. पुणून मारपाच्यो धमक्यो येवपाच्योय बंद जाल्यो [illegible] ओडिसांतली भोंवडी सोंपोवन गांधी महाराष्ट्राचे भोंवडेर गेले. पुण्यांत पा[illegible] कडेन सनातन्यांनी तांचे मोटारिचेर एक बॉम्ब शेंवटून मारलो. बॉम्ब दु[illegible] कडेन पडिल्ल्यान गांधी मरूंक पावले नात. त्याच वर्सा कराचीक[illegible] सनातनी हातांत कुराड घेवन तांच्या आंगार धांवन गेल्लो. वाराण[illegible] लालनाथ आनी कालभैरव नांवाच्या दोन सनातन्यांच्या शिष्यांनी श[illegible] धुमशेणां कांडून 'गांधींक मारात' म्हूण लोकांक खुबळावन घालपाचो [illegible] केल्लो.

आपणाक वाटावपाचो कसलोच यत्न करी नासतना इतल्याय ह्या हल्ल[illegible] गांधी योगायोगान वाटावल्यात.

तांच्या आयुष्याच्या निमाण्या पर्वांत पाकिस्तान आडावपाचो यत्न [illegible] खातीर ते सेवाग्रामांतल्यान मुम्बय वचपाक भायर सरिल्ले. तांकां बॅ. जि[illegible] मेळपाचें आशिल्लें. तांकां आडावपाचो 'पाकिस्तान विरोधी आघा[illegible] (म्हळ्यार सावरकरांच्या शिष्यांनी) सेवाग्रामांत येवन यत्न केल्लो. थत्ते नांवाच्या एका सावरकर शिष्याकडलो सुरो पोलिसांनी काडून घेत[illegible] सावरकरांच्या शिष्यांनी पुण्यांत गांधी विरोधी एक कारखानोच सुरू के[illegible] 'अग्रणी' नांवाचें एक नेमाळें सद्दां लोकांचे तकलेंत गांधी विरोधी [illegible] कालोवन ओतीत राविल्लें. गांधींक ह्या लोकांनी तरांतरांच्यो नखल[illegible] केल्यात. केन्ना ते रावतात थंय वचून प्रदर्शनां केल्यांत. केन्ना गाडय[illegible] रुळांचेर फातर घालून ते वतात येतात त्यो गाडयो उमथुपाचो यत्न [illegible] "म्हाका मरपाची ताकतीक लागूंक ना. आनी हुतात्मो जावपाची तर म[illegible] निखालूस इत्सा ना. हांव जिका म्हजी लागणूक लेखतां ती पुरी [illegible] आसतना मरण आयलें जाल्यार ती म्हजी पुण्यायेची जोड अशेंच [illegible] म्हणटलों' अशें गांधींनी तांगेले हे यत्न पळोवन कितलेशे खेपे म[illegible] तांकां मारपाचो निमाणो यत्न जालो तो ३० जानेवारी १९४८ ह्या [illegible] सावरकरांच्याच दोगां पट्टशिष्यांनी तो केल्लो. गुरू कडल्यान 'यश[illegible] होऊन या' हो आशिर्वाद घेवन दोगूय दिल्लीक गेल्ले. आनी गां[illegible] जीव घेवपांत 'यशस्वी' जाल्ले.

गांधींक पिरायेचें अंयशावें चलतालें. हरशींय जाल्यार एक दोन क[illegible] तांगेली कूड पडपाचीच आशिल्ली. ती दोन वर्सां पयलीं पडली, इ[illegible] जालें. पुणून एक मोटें लुकसान जालें. तांणी निमाणो उपास केल[illegible] सोडचे वेळार तांणी म्हळ्ळें, 'पाकिस्तानांतल्यान हांगा आयिल्ल्या [illegible] हांगासरल्यान पाकिस्तानांत गेल्ल्या एकान एका निर्वासिताक जे मेरेन त[illegible] घरा व्हरून पावयना, ते मेरेन हांव सस्त बसपाचों ना.' हें काम [illegible] ते करूंक पावले नात. तांचे उपरांत कोणूच करूंक पावलो ना. पाकि[illegible] मंजूर करून आमच्या फुडाऱ्यांनी जी चूक केल्ली ती निवळावपाची [illegible] गांधींतूच एकल्यांत आशिल्ली. तांकां हें काम करूंक हांणी दिलें ना.

पुणून, गांधी सोंपूंक नात. तरांतरांच्या रुपांनी ते आयजूय वावर [illegible] रावल्यात. मार्टिन ल्यूथर किंगांच्या रुपान ते अमेरिकेंतल्या निग्रो लो[illegible] घेवन जात कातिच्या वेगळेचारा आड काम करताले. जपानांतल्या निचि[illegible] फुजीईच्या रुपांत ते अण्वस्त्रां आड वावर करताले. नेल्सन मंडेल[illegible] रुपान ते दक्षीण आफ्रिकेंतलें स्वतंत्रतायेचें काम करताले. जर्मनींतल्या [illegible] केलीच्या रुपान ते येवरोपांत अण्वस्त्रां आड आंदोलन चलयताले. [illegible] वर्सां पयलीं नोबेल इनाम जोडिल्ल्या सुमार अंयशीं विचारवंतांच्या [illegible] विज्ञानिकांच्या सयांचें एक निवेदन 'युनो'च्या जाळवणदारांक मे[illegible] तातूंत 'ओझोनच्या थराक बुराक घालपी आनी धर्तरि वयली हवा [illegible]

करपी विकासकार्य रोखड्या रोखडें बंद करूंक जाय आनी
आर्थीक मळार गांधींचें वाटेन घेवन वचूंक जाय' अशें म्हळ्ळें
गांधीच थंय दिश्टी पडिल्ले. आयज इकॉलॉजिचें नांव घेवन
वावर करतात ते गांधींचे भक्त अनुयायीच न्हय, तर खासा
रुपान वावुरतात अशें म्हणूं येता. इकॉलॉजी हो गांधी विचाराचो
. गांधी ना जावंक नात. ना जावपाचेय नात.
वें शतक तांचें ह विशीं दुबाव घेवपाचें कारणूच ना.

खंय आशिल्ले आमी, खंय पावले

च कांय वर्सांतली गजाल. पणजे मांडवी हॉटेला मुखार एकल्याची
उबो राविल्लों. येतां म्हूण सांगिल्लें, अर्द वरा वयर जाल्लें,
ल्लो. भौन भौन हांव हाताचे घडयाळीकडेन पळेतालों.
फूटपाथा वयल्यान एकली चली येताली तिचेर नदर पडली.
ऑफिसा कडेन पाविल्ली. वीस बावीस वर्सांचे पिरायेची. म्हजे
श्वर्या राय भाशेन चलत येताली. म्हऱ्यांत पावतकूच हांवें तिका
एकल्यान आपणाले निजाचे चालीन चलचें... ही चाल तुका
ता. ऐश्वर्या रायचो प्रभाव पडला काय कितें तुजेर?'
नी हांसली आनी म्हणपाक लागली, 'ऐश्वर्या राय म्हजे पिरायेच्या
रोईन जाल्या... तिचे सारकें जावचें अशें आमकां चडशा सगळ्या
सता...'
म्हूण... तुमी ऐश्वर्या राय थोडींच जावपाचीं आसात... तुमी...
रशीत जाल्यार तूं ऐश्वर्या राय परस सुंदर. तूं तूंच राव. ती
वंक जाय?'
जाची वाट पळेत उबो राविल्लों तो इश्ट आयलो. आमी
ींत गेले. हांवें इश्टाक म्हळें, कोणा कोणाच्या नादाक लागतात
ो ह्यो चलयो!... ही ऐश्वर्या राय जावंक सोदता!...'
पलार हात मारलो आनी म्हळें, 'आमगेलें सुषमा सुश्मिता सेन
तालें...'
दिसांनी मुम्बय पावलों. नवीं पुस्तकां सोदीत सोदीत चौपाटी
ारतीय विद्या भवना'च्या स्टॉलार पावलों. थंय एकलो इश्ट
लिसराक भौराष्ट्रीय कंपन्यां आड खूब उलयता बरयता.
क रावता. म्हाका आपणाल्या फ्लॅटार घेवन गेलो. हांवें ताका
विश्वसुंदरिंच्यो सर्ती कोण घडोवन हाडटात?'
खबर ना? 'मिस् युनिव्हर्स'ची सर्त युनिलिव्हर नांवाची एक
वन हाडटा तर 'मिस् वर्ल्ड'ची रेवलॉन, प्रॉक्टर एण्ड गॅम्बल
सन एण्ड जॉन्सन कंपन्यो घडोवन हाडटात...'
राय आनी सुश्मिता सेन पयल्योच भारतीय चलयो विश्वसुंदऱ्यो
'
ये... कांय वर्सां पयलीं रिता फारीय नांवाची तुमच्या गोंयची
जाल्ली. खंयच्या वर्सा जाणा? इन्दिरा गांधीन रुपयाचें तेत्तीस
वमूल्यन केल्लें त्या वर्सा... विश्व बँकेच्या जाळांत त्याच वर्सा
घुसपल्लें... उपरांत इन्दिराजी देशाचे अर्थविवस्थेक राष्ट्रीयकरणाचे
न गेली... आंतरराष्ट्रीय मुद्रा कोशा कडल्यान रिणूय काडपाचें
र्लें... परिणामी, उपरांच्या काळांत कितलींशीं वर्सां एक लेगीत
ली विश्वसुंदरी जावंक पावली ना... ७०च्या दसकांत वेनेझुयेलान
देसाचीं दारां भौराष्ट्रीय कंपन्यांक उकतीं केलीं. ते उपरांतच्या
ीस वर्सांत मिस् युनिव्हर्स, मिस् वर्ल्ड, मिस् फोटोजेनिक पदव्यो
ल्या सुमार तीस चलयांक मेळ्ळ्यो... सोवियेट रशियेचें विघटन
एक रशियन चली विश्वसुंदरी जाल्ली. ९२/९३च्या अदमासाक
दारां उकतीं केलीं. तेन्ना लिसाहाना नांवाचे एके जामायकी
चलयेक ही पदवी मेळिल्ली. दक्षिण आफ्रिकेन दारां उकतीं करिना फुडें
बास्तसान नांवाची एकली दक्षिण आफ्रिकी चली हे पदवेर दुसऱ्या नंबरार
आयली... क्रोएशिया रशियेचो एक वाटार आशिल्लो. रशिये पसून फुटलो.
ताका विकास घडोवन हाडपाचो आशिल्लो. भौराष्ट्रीय कंपन्यांक ताचीं
आमंत्रणां गेलीं. एकली क्रोएशियन चली विश्वसुंदरी जाली... आंतरराष्ट्रीय
मुद्रा कोशाचे आनी विश्वबँकेचे सांगणेन ह्यो चलयो विश्वसुंदऱ्यो जावंक पावतात.
आतां भारतान उदारीकरण, संवसारीकरण सुरू केलां. आतां भारतांतल्यो
कितल्योश्यो चलयो विश्वसुंदऱ्यो जातल्यो, नांव जोडटल्यो... संवसारभर
गाजतल्यो...'

ताचे जिबेर इतलेंय हें पाठ आशिल्ले वरी पळोवन म्हाका अजाप जालें.

ताणें मुखार म्हळें, 'युनिलिव्हर, रॅवलॉन, प्रॉक्टर एण्ड गॅम्बल, जॉन्सन एण्ड जॉन्सन ह्यो कंपन्यो शॅम्पू, नेल पॉलिश, पावडर, शाबू, सेंट्स, क्रिमां बी तरां तरांचीं 'सौंदर्य प्रसाधनां' तयार करतात. तांकां बाजार नाका? म्हूण त्यो विश्वसुंदऱ्यो वेंचून काडटात. आपणालो माल खपोवपा खातीर ह्या चलयांचो जायरातिंनी उपेग करतात. आनी हो माल त्यो घेतात म्हणपाचें कळटकूच देशांतल्यो बाकिच्योय चलयो तो घेवपाक लागतात. हें अर्थकारण ह्या सर्तिंचें... भारतायेदी बाजारपेठ सगळी तांच्या हातांत येवंक जाय. क्रोटिंनी अब्जांनी रुपयांची तांकां जोड जावंक जाय... ना जाल्यार भारतीय चलयो विश्वसुंदऱ्यो जावपाच्यो नात.

आनीक एक गजाल लक्षांत दवरपा सारकी – ह्या चलयांनी कशें चलचें, कशें हांसचें, कशें उलोवचें सगळें ह्योच कंपन्यो तांकां शिकयतात. वर्सभर तांकां कंपन्यांचे सांगणेन चलचें पडटा. सुश्मिता सेनाचो उपेग क्लोझ-अप टूथपेस्टा खातीर जाता. तिका बबूल वा वज्रदंतीचे जायरातींत पळेल्या व्हय तुवें केन्ना? बबूल आनी वज्रदंती भौराष्ट्रीय कंपन्यो न्हय. देशी कंपन्यो ह्यो. भौराष्ट्रीय कंपन्यां इतलो खर्च करपाची तांक तांच्यांत ना... भौराष्ट्रीय कंपन्यो सुमारा भायर खर्च करतात आनी शंबर वांट्यांनी चड नफो जोडटात... चलयो बाबड्यो आपलें नांव जाता, फोटे खबरांपत्रांतल्यान छापून येतात म्हूण कंपन्यो सांगतात तें करतात. आपणालें शोषण जाता म्हणपाचें बाबड्यांक कळऽ लेगीत ना. हजारांनी डॉलर्स मेळटात, तितल्यार खोश्शी जातात. वियेतनामच्या झुजांत पडिल्ल्या अमेरिकन सैनिकांचें मन रिझोवपा खातीर, ते मुस्तींत, तुमचे रिता फारीय विश्वसुंदरेक वियेतनामांत धाडिल्ली हांणी... ह्यो चलयो विश्वसुंदऱ्यो म्हूण गाजपाक लागतकूच गिरेस्तांचे कितलेशे चले तांचेकडेन लग्न जावपाक आंवडेतात... पुणून ह्या चलयांक कंपन्यो लग्न जावंक दिनात. वर्सभर तरी दिनात. वर्सभर तांकां कितेंच करूंक मेळना. कसलीच मेकळीक मेळना. लग्न जाल्ली चली आपणाले कुडिचें प्रदर्शन मांडपाक सपसप तयार जायना. लग्न जावंक नाशिल्ली खंयच्याय ऍंगलान कुडिचें प्रदर्शन करपाक अनमनना. १९५२ वर्सा इन्द्रायणी रहमान 'भारत सुंदरी' सर्तींत वेंचून आयिल्ली. तिणें स्वीमिंग-सुटांत प्रदर्शन करिना म्हळें. परिणाम? तिका फुडल्या सर्तींतल्यान अचळय कडेक काडली...'

म्हाका हें सगळें नवें. ज्या खबरेपत्रांनी म्हाका भौराष्ट्रीय कंपन्यो ह्या देशांत आमकां लुटपा खातीर, नागोवपा खातीर आयल्यात म्हूण सांगपाचें तीं 'ह्यो कंपन्यो आमच्या तरणाट्यांक नोकऱ्यो-चाकऱ्यो दिवपा खातीर आयल्यात' म्हूण सांगतात. 'हांव अमेरिकेचे आनी कॅनडाचे भोंवडेर गेल्लों. थंयच्या गोंयकारांनी म्हाका Du Pont is a good company म्हूण सांगलें', अशें आमच्या एका उद्देगमंत्र्यान म्हाका सांगिल्लें. 'तुका वाचपाक वेळ आसा व्हय? हांव दितां तुका ड्यूपाँची सगळी जाणकारी' म्हूण हांवें ताका म्हळें. 'दी' म्हूण ताणें म्हाका म्हळें ना. जाणा जावन घेवपाची ताका इत्साच नाशिल्ली. ताकाच बाबड्याक कित्याक दुशण दिवं? मंत्री जातकूच गोंयांत सगळे विद्वान जातात. शाणे जातात. आनी सगळ्यांक शापातां सांगपाक लागतात (जाणकारांक लेगीत). आनी आमचीं खबरेपत्रां

हीं शापातां छापून हाडटात. 'तुमकां कांय कळना' म्हूण कोणूच तांकां सांगिना.

सुंदर फकत सुंदर आसलें म्हूण उपकारना. तें पवित्र्य आसूंक जाय. मोना लिसाच्या मुमुरख्या हांशांत कितलें सौंदर्य भरलां! तिचे कुडीकडेन कोणाचें लक्ष वता व्हय ? आमच्या देशांत अजंठ्याक, वेरूळाक, खजुराहोक, कोणारकाक मूर्तिशिल्पांतल्या बायलांची सुंदरकाय उकताडाक आयल्या. ती केन्ना कोणाक उणाक पांवड्याची, असभ्य, vulgar दिसल्या व्हय? सुंदरकाय म्हळ्यारूच पवित्रताय. पुणून सुंदरकाय जेन्ना सर्तींत देंवता तेन्ना ती 'हळशीक' जाता. कोंकणींतलें हें उतर संस्कृत 'अश्लिल' उतरावयल्यान आयलां म्हणटात. अश्लिल म्हळ्यार पोजडें – obscene. भौराष्ट्रीय कंपन्यो आमची आतां रुचीय (टेस्टूय) इबाडूंक लागल्यात. विश्वसुंदऱ्यांच्या सर्तीं आड, खरें म्हळ्यार, बायलांनी तिडकीन उसळूंक जाय आशिल्लें.

एक उगडास जालो –

हिन्दुस्तान निकतेंच स्वतंत्र जाल्लें. जवाहरलाल प्रधानमंत्री जाल्ले. नान्सी द स्काफा नांवाची दक्षीण अमेरिकेंतली एक विश्वसुंदरी मुम्बयंत पावली. ताजांत रावली. 'ब्लित्झां'त मासिलों द आल्मैद काम करतालो. म्हजो एक इश्ट मुम्बयंतलो. हांव ब्लित्झांत ताका मेळपाक गेल्लों. तो खंय तरी वचूंक भायर सरिल्लो पळेलो. म्हाका पळेनाफुडें म्हणपाक लागलो, 'येता ? ताजांत एकली विश्वसुंदरी आयल्या. दक्षीण अमेरिकी देशांतली एकली. तिची मुलाखत घेवंक वतां.'

बावीस तेवीस वर्सांचे पिरायेचो हांव. विश्वसुंदरी पळोवपाक येना म्हणटलों ? मोटे उमेदीन गेलों. अठरा वीस वर्सांचे पिरायेची आसूंक जाय ती. आंगलोट सुंदर. पुणून तिणें जो ड्रेस आनी मेक-अप् केल्लो तो पळोवन 'ही नागडीच अदीक सुंदर दिसतली आशिल्ली' अशें म्हाका (ते पिरायेर लेगीत) दिसलें. तिगेलो ड्रेस आनी मेक-अप म्हज्यान पळोवं नज जालो. सामको vulgar दिसलो. ती स्पेनिश भाशेंत उलयताली. आपणाली भास मासिलों समजता हें पळोवन ती फुलून आयिल्ली. मासिलोंक आनी म्हाका पुतुगीज येताली. म्हूण स्पेनिश समजताली. मासिलोंन तिका खूब प्रस्न केले. तांचो आनी तिच्या जापांचो आयज उगडास जायना. पुणून एका प्रस्नाची तिची जाप घट मतींत उरल्या. मासिलोंन तिका विचारलें, 'संवसारांतल्या राज-पुरसां मदीं तुका सगळ्यांत चड देखणे कोण दिसले ?'

'इराणचो शाह आनी पुर्तुगालचो सालाझार.' तिणें जाप दिली.

'नेहरू ?'

'आरोंगान्ति' – घमेंडी, तिणें जाप दिली. 'आतां मेरेन कोणाचीय मुलाखत हांवें मागल्या तेन्ना चोवीस वरां वयर वाट पळोवची पडूंक ना. आठ दीस जाले, नेहरू म्हाका मुलाखत दिना...'

'नेहरू कोणाकूय मेळटा... आयज वेळ नासलो जाल्यार फाल्यां यो म्हणटा. ना जाल्यार परां तरी वेळ दिताच दिता... आनी तूं तर एक विश्वसुंदरी... तुका तिश्टत दवरचो ना...' मासिलोंन म्हळें.

'जायत... म्हाका अजून मेळूंक ना.'

म्हाका त्या वेळार नेहरूचे चलणुकेचें कुवाडें सुटूंक नाशिल्लें. आयज विश्वसुंदऱ्यो कोण मुखार काडटात तें कळ्ळें तेन्ना सुटलें. स्वतंत्र भारतांत भौराष्ट्रीय कंपन्यो रिगूंक सोदताल्यो. तरेतरेच्यो ट्रिकी करताल्यो. नान्सी द स्काफाक असलेच एके कंपनीन नेहरूंक मेळून यो म्हूण सांगिल्लें आसूंक जाय... नेहरू हांकां सारके वळखताले... ते बदले नात.

ना जाल्यार आयज ? आमचे राष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री. खंयचेय विश्वसुंदरींक भेटी दितात. दूरदर्शना वयल्यान ह्या भेटींचें पोझ दिवन प्रदर्शनूय करतात. खंय आशिल्ले आमी, आनी आयज खंय पावल्यात!

•

ताळयो पेटपी लोकांच्या देसांत

'जाणां तूं रवीन्द्रबाब, काँग्रेस वर्किंग कमिटीन एक थाराव पास के... पक्षाची मिटींग सुरू करचे पयलीं सोनिया गांधींच्या फोट्या मुखार ... जोडून उबे रावंक जाय आनी 'पक्षगीत' म्हणून ती सुरू करूंक ... म्हणपाचो.'

'पक्षगीत ? तें आनी कसलें ?'

'घालीन लोटांगण, वंदीन चरण
डोळ्यांनी पाहीन रूप तुझें...
त्वमेव माता पिता त्वमेव
त्वमेव बंधु मम देव देव...' हें.' ताणें जाप दिली.

'शी: इतली crude टिका करची न्हय रे केन्ना कोणाची...' हांवें ... 'फाल्यां तुमीय अशेंच करतले... अटलजींच्या फोट्या मुखार उबे ... तुमीय हें गीत म्हणटले.'

तो फणफणून उठून गेलो.

मन कितल्याश्या वर्सां फाटल्यान गेलें.

दिल्लींत एकल्याकडेन निकतीच वळख जाल्ली. पयलेच वळखीन आ... तार जुळिल्ली. ताचे कडेन आख्यायिकांचें एक भांडार भरिल्लें आशि... कितेंय आयकूं, रोखडोच तो एक आख्यायिका सांगतालो. एक दीस ... चलत चलत रामलीला मैदानासरीं पाविल्ले. थंय एका राजकी प... सभा भरिल्ली. 'आयकुया, फुडाऱ्यांचीं शापातां ?' हांवें ताका विचार...

'शी... आमी हिजडे व्हय तर ?' ताणें म्हळें.

आनी सभेक फाट करून आमी परतले.

वाटेर ताणें म्हाका एक आख्यायिका सांगली. म्हळें, रामायणां... आख्यायिका ही. तुका ती वाल्मीकी रामायणांत मेळपाची ना. तुलसीदासा... रामायणांतूय मेळपाची ना. पुणून आमच्या गांवांत ती जाण्टेल्यांचे ... पिळग्यान पिळग्यां सावन घोळत आयल्या.

रामाचो राज्याभिषेक जावपाचो आशिल्लो म्हूण अयोध्येची ... खुशालभरीत जाल्ली. राज्याभिषेकाच्या उत्सवांत वांटो घेवपाची तिची त... चलिल्ली. इतल्यांत कोणें एकल्यान येवन तिका सांगलें, 'कैकयीन रात... सगळीं चाकां घुंवडायलीं आनी रामा वांट्याचो भरताक राज्याभिषेक ... अशें थरलें... राम आतां चौदा वर्सां वनवासाक वचपाचो आसा...' प्र... धसको बसलो. ती हुडक्या हुडक्यांनी रडपाक लागली ('प्रजेक ति... मारिना, उसळूंक येना. ती फकत रडूंक जाणा' – तो). सीतेक ... लक्षुमणाक घेवन राम वनवासाक वचपाक भायर सरलो तेन्ना प्रजाय ... फाटल्यान चलत चलत अयोध्येचे शिमे मेरेन गेली. शिमेर पावतकूच रा... प्रजेक म्हळें, 'म्हज्या भावांनो आनी भयणिंनो, म्हजे वयलो तुमचो ... पळोवन म्हजें काळीज भरून आयलां... जिबे वयल्यान उतर फुट... राजाचे आज्ञेक पाळो दिवंकूच जाय म्हूण वनवासाक वतां. चौदा ... अशींच उबून वतलीं आनी हांव आशिल्लो तसो अयोध्येक परत... ते मेरेन धीर धरात... आनी हांगाच्यान आतां घरा वचात...'

प्रजा जड अंतस्करणान अयोध्येक परतली.

वनवासाच्या चौदा वर्सांत रामाचेर तरांतरांचीं संकश्टां कोंसळ्ळीं ... लक्षुमणान तीं हड्ड्याचें कोट करून परतिलीं. सगळ्यांत व्हडलें सं... कोंसळ्ळें तें सीतेच्या अपहरणाचें. लंकेच्या रावणान तिका उबारुनच व्हे... रावणा आड झुजून तिका सोडोवन हाडपाक रामाकडेन सैन्य नाशि... किष्किंधाच्या वानरांच्या आधारान ताणें सीतेक सोडोवन हाडली. राव... मारून लंकाय ताच्या शेकांतली मेकळी केली आनी लंकेचें राज्य रावणा... भावाक दिवन राम अयोध्येक परतलो. ते मेरेन चौदा वर्सां जाल्लीं.

अयोध्येचे शिमेर पावपाक ताका कांय जाण हात जोडून उबे आशि...

ङले. रामान तांकां विचारलें. 'म्हज्या येवकाराक इतलेच तुमी
? बाकिचे खंय ?'

येवपा जाले... तूं आज येतलो म्हणपाचो तांकां अदमास
.. आमी तांकां तूं आयलो म्हूण सांगून धाडलां. येतले आतां
ांणी जाप दिली.

तांचे पयलीं कशें कळ्ळें, हांव आयज येतलों म्हूण ?'

यलो हें आमकां आतांच कळ्ळां... आमी तुजी वाट पळेत हांगा,
जालीं, उबे आसात...' तांणी म्हळें.

वर्सां तुमी हांगाच उबे आसात? हांवें तुमकां सगळ्यांक घरा
ना सांगिल्लें.' रामान अजापान तांकां म्हळें.

ां सांगूंक नाशिल्लें. तुवें तुज्या भावांक आनी भयणींक सांगिल्लें.
भावूय न्हय, तुज्यो भयणीय न्हय...' तांणी जाप दिली.

त्तर तुमी?' रामान विचारलें.

हिजडे. दादल्यांतूय मोडनात, बायलांतूय आमचो आसपाव
..

रे रे रे! येदो व्हड अन्याय केलो हांवें तुमचेर? शी... व्हडली
चूक जाली म्हजी... म्हाका आतां तिचें प्रायश्चीत घेवचेंच पडलें... तुमकां अयोध्येचें अर्दें राज्य दितां.'

'च्ये च्ये... तुजी आमचेर कृपा आसतकूच जाली... राज्य घेवन आमी कितें करतले? राज्य आमकां चलोवंक येवं नाका?'

'कितें येता तर तुमकां?'

'फकत ताळ्यो पेटपाक येतात...' तांणी जाप दिली.

'तशें जाल्यार, हे मुखार म्हज्याच न्हय, भारतवर्षांतल्या सगळ्या राज्यांनी तुमचोच शेक चलतलो असो वर दितां हांव तुमकां...' रामान तांकां वर दिलो.

ते बरोबर स्वर्गांतल्यान देवांनी तथास्तू म्हुणून सगळ्यांचेर फुलां शिंवरायलीं.'

ही आख्यायिका सांगून म्हज्या इश्टान म्हळें, 'तेन्ना सावन आमच्या ह्या देशांत फकत ताळ्यो पेटूंक जाणा आशिल्ल्या हिजड्यांचोच शेक सगळ्या राज्यांनी चलत आयला... मागीर ते कॉंग्रेसींतले आसूं, भाजपांतले आसूं वा आनी खंयच्याय पक्षांतले वा आघाडेंतले आसूं... रामलीला मैदानार जमल्यात ते हे तरेचे लोक... फकत ताळ्यो पेटूंक जाणा जाल्ले...

* * *

पडसाद

नमस्कार

'भास आनी समाज' सदरांत 'सांस्कृतीक आंवाटाभायलो उश्णो वेव्हार' हो लेख (जाग, डिसेंबर १९९९) वाचलो. ताचेर म्हजीं कांय मतां उक्तायतां.

पुर्तुगेज भाशेचो फाटलीं साडेचारशीं वर्सां (१९६१ मेरेन) कोंकणीचेर प्रभाव पडलो. तेच भशेन साडेचारशें वर्सां गोंयांत पुर्तुगेज भाशेचेर लेगीत कोंकणीचो प्रभाव पडलो. हो प्रभाव कमी प्रमाणांत आसलो तरी तो आडनदर करपाइतलो उणो न्हय. तुमी म्हळां तशें हालीं तेंपार जरी पुर्तुगेज भाशेचेर कोंकणीचो कितलो प्रभाव पडला हाचो अभ्यास जावंक ना तरी खूब वर्सांपयलीं मो. सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हांणी ह्या मळाचेर खूब वावर केल्लो. आनी तांणी दोन पुस्तकां उजवाडायिल्लीं – Influencia do vocabulario Português em Linguas Asiaticas (पुर्तुगेज उतरावळिचो आशियाई भासांचेर प्रभाव) आनी दुसरें, Glossario Luso-Asiatico.

Glossario Luso-Asiatico १९१९-१९२१ वर्सा कोइंब्रा-पुर्तुगाल हांगा दोन खंडांनी उजवाडाक आयिल्लें आनी तांतूंत पुर्तुगेज लेखकांचे बरपावळींत आसपाव जाल्ल्या ५५०० वयर आशियाई मुळांच्या उतरांची वळेरी आसा.

ह्या ५५०० उतरांमदीं कोंकणी भाशेचो चडांत चड आसपाव जाला हाची खास नोंद मो. दाल्गादांनी केल्या. पुर्तुगेज भाशेंत आसपाव जाल्लीं कांय कोंकणी उतरां अशीं:

abolim ''आबोलीं'', alenga ''माडाकडेन खणटात तें 'आलें''', ambalo ''आंबाडो'', ambil ''आंबील'', angana ''आंगण'',

babaré ''बाबारे!'', batcar ''भाटकार'', bate ''भात'', bombilem ''बोंबील'', boto ''भट'', brindão ''भिण्णां'',

cajulo ''काजुलो'' (माडाची सूर), calo ''कालो'' (हिंदूंची परब), carie ''कडी'' (शीत-कडी), caratém ''कारातें'', cantandor ''काटांदोर'', champo ''चाफो'', chetni ''चटणी'', chardo ''चाड्डो'', curo ''कुडव'' (तांदूळ मेजपाचें माप), cudolim ''कुदळ'' (खणपाची), diagi ''दायजी'', dali ''दाली'' (कोंड्या वेतां पासून केल्ली), dekhani ''देखणी'' (नाच), diuti ''दिवटी'', dol ''धोल'', dossoró ''दसरो'', doutró ''धुत्रो'', fenim ''फेणी'', gaddi ''घाडी'', gauncar ''गांवकार'', gonçalim ''घोंसाळी'', gumata ''घुमट'', gunji ''गुंजी'', jambolão ''जांबळ'', jono ''जण'', ladu ''लाडू'', lonim ''लोणी'', mando ''मांडो'', mandares ''मांडारे'', mundcar ''मुंडकार'', mati ''माती'', mongari ''मोगरी'', mordexim ''मुड्डशी'', moroda ''मरड'', mazane ''म्हाजन'', nachenim ''नाचणे'', naique ''नायक'', namoxim ''नामोशी'' (एक जात), niro ''निरो'' (काजुचो), panchaito ''पंचायत'', paparim ''पापड'', pará ''पारो'' (नुस्त्याचें लोणचें), potravalim ''पत्रावळी'', pudvem ''पुडवें'', puza ''पुजा'', quiraita ''किरायतें'', quizol ''किनळ'' (मदेराचो एक प्रकार), ranes ''राणे'', ramponim ''रांपण'', ronto ''रोंटो'' (कीड), sandana ''सान्नां'', sanvori ''सांवर'' (कापसाचें झाड), sissó ''शिसो'', sigmo ''शिगमो'', sura ''सूर'' (माडाची), tambio ''तांबयो'', tefla ''तेफळां'', tendelim ''तेंडलीं'', tulosse ''तुळस'', urraca ''उर्राक'', vangana ''वायंगण'', velu ''वेळू'' (व्हडलो कोंडो), xenoi ''शेणय'' (मास्तर), zagor ''जागोर'', zaios ''जायो'', zatra ''जात्रा''.•

मो. दाल्गादांनी फकत पुर्तुगेज भाशेंत रिगिल्ल्या कोंकणी उतरांची व
दिवंक ना, तर त्या उतरांचो अर्थ, फोडणिशी, पुर्तुगेज लेखकांनी
बरपावळींत तांचो कसो उपेग केला हाची पुराय म्हायती Glossário पुस
दिल्या. (संदर्भ: Dalgado – The Man & the Scholar, ब
आंतोन पेरैर, उजवाडावपी: साहित्य अकादमी, १९८३).

साडेचारशीं वर्सां राज्य करपी पुर्तुगेज भाशेचो कोंकणीचेर प्रभाव
सभावीक आसलें. कित्याक तर ती राज्यकर्त्यांची (वयली) भास आ
कोंकणी भाशेन पुर्तुगेज भाशेकडल्यान खाशेल्या रासवळ मळांचेर (ध
न्यायालयीन, शासकी) उतरावळी घेतल्यो आनी कांय कडेन
कोंकणीकरणय केलें.

पूण एक मात अजाप दिसता, साडेचारशीं वर्सांचो पुर्तुगेज भ
कोंकणीवेलो प्रभाव गोंय सुटके उपरांत साडेचार वर्सां भितर इतलो
कसो जालो? इंग्लेज भाशेन पुर्तुगेजिचो जागो कसो घेतलो? हं
अभ्यास करपा सारको विशय.

इंग्लेज भास तर हांगच्या राज्यकर्त्यांची नासली. नव्यानच
आयिल्ल्या मगो सरकारान 'जळीं-मळीं-स्थळीं' मराठीच शाळा उगडि
इंग्लेज माध्यमांतल्यो शाळा हातावेल्या बोटांचेर मेजपा इतल्यो आस
इंग्लेज जाणा जाल्लेय गोंयांत चड लोक नासले. पुर्तुगेज भाशेचो
तशें पळयल्यार मराठीन घेवपाचो. पूण अशें कित्याक जालें ना? वे
कोंकणीचेर १९६१ वर्सा जितलो मराठीचो प्रभाव आसलो तितलो
आतां ना. अशें कित्याक घडचें?

आयज इंग्लेज भाशेचो कोंकणीचेर फकत प्रभावच पडूंक ना, तर
आक्रमण जालां. आयची कोंकणी भास एके तरेची कोंकणी-इंग्लीश रु
जावन पडल्या. कांय जाण तिका विनोदान कोंग्लीश (Konglish) म्हण

बरोवपाच्या मळार लेगीत इंग्लीशीचो प्रभाव कोंकणीचेर पडिल्लो अ
दिश्टी पडटा. 'सुनापरान्तां'त येवपी कांय लेखांचेर नदर मार
कितलिंशींच इंग्लीश उतरां कोंकणी उतरांनी भरसल्लीं आमकां
पडटलीं. हे बरोवपी कोण 'सटर-फटर' न्हय, तर खडेगांठ लेखक!

कोंकणींतले उश्णे उतरावळींत बदल हाडपाचेंच काम इंग्लीशीन व
ना. तिणें आमचे सांस्कृतीक जिणेंत लेगीत आक्रमण केलां. दुर्दैवान अ
म्हणचें पडटलें, जें काम पुर्तुगेज भाशेक साडेचारशें वर्सां करूंक
ना, तें फाटल्या चाळीस वर्सांत इंग्लीश भाशेन केलां.

आयचे पुरतें कोंकणी-पुर्तुगेजिचें नातें लागिंचें – intimate –
जायत. पूण तें बदलत चल्लां. आयज नवी पिळगी जनेल म्हणिना,
म्हणटा. कदेल म्हणिना, चॅर म्हणटा. जी सुवात पुर्तुगेजीन कोंकणी
उतरावळींत मेळयिल्ली, ती आयज हळू हळू इंग्लीश घेत चल्ल्या.
थोड्या तेंपान पुर्तुगेजिचें पुराय रितीन कोंकणींतल्यान उच्चाटन ज
पुर्तुगेज भाशेक लागून कोंकणी भाशेंत 'भारदस्तपण' आसलें, गो
आसली, 'जान' आसली. ती थोड्या तेंपान आमकां अणभवूंक मे
ना हाची भिरांत दिसता.

— सखाराम शेणवी बोरकार, म

हिरू

चंद्रकांत केणी

मरीन लायन्सच्या फ्लायओवरचेर तो म्हजे फुडें चलतालो. त चलपाचो यत्न करतालो. पूण ताचो दावो पांय ओडटा तें म्हाका तां. खादिचो म्हेळो लेंगो आनी त्या मानान धवो सदरो इतलोच प. दाव्या खांद्याक शबनम पिशवी. ते पिशवेच्या कोनशाक कागदाची कुळी लडी भायर सरिल्ली. कॅलेंडर आसुंये. वाडिल्लें खाड आनी वक्ल. माथ्याक मुखावयल्यान खरड पडलां पूण फाटल्यान केंस ते मानेचे सकल मेरेन वाडल्यात.

तां चलतां तो थांबतालो. फाटल्यान पळयतालो. एक-दोन खेपे तो म्हाकाच पळयता. पूण येवजिलें, तो म्हाका कसो पळयतलो? ताका वळखना. तोय म्हाका वळखुपाची शक्यताय ना. फाटल्यान कोणय येता आसुंये. हांवेंय एक दोन खेपे फाटल्यान नदर घुंवडायली. फुटपाथ म्हळ्यार मुयांची रांग लागची तशी लोकांची रांग लागिल्ली कोण कोणाच्या सांगातान चलता तें लेगीत कळना.

काळबादेवीक वचपाचें आसलें. ताकीत नासली. भोंवतणचीं दृश्यां हांव सवकासायेन चलतालों. ताचे आनी म्हजे मदीं सुमार धा अंतर उरतालें. मागीर म्हाका दिसलें, ताचो दावो पांय दुखता जाय. देखून थोडें अंतर चलतकच विसव घेवंक तो उबो रावता.

स स्ट्रीट आनी गिरगांव रोडाच्या नाक्यार एका झाडामुळांत तो लो आनी हांव ताचेसरीं पावलों. पूण लागीं पावतकच हांवें नदर आनी ताचेकडेन पळेनासतना फुडें गेलों. सिग्नलाकडेन म्हाका चें पडलें तेन्ना फाटल्यान पळयलें. पळय जाल्यार तो म्हाकाच नदरेक नदर भेटली तेन्ना ताणें उजवो हात फुडें काडलो.

न पावलां फुडें सरलो आनी ताणें म्हाका विचारलें, ''गोवा के?'' जाप दिली ना. फकत हांशिल्ले भशेन केलें तेन्ना ताणें कोंकणींतल्यान व घेतलें आनी विचारलें, ''वळखलो काय ना?''

फाटीं सरून ताचेसरीं आयलों. बारिकसाणेन ताका निरखिलो. डले दांत पडिल्ले आनी ताका लागून ताचे उच्चार स्पश्ट शेल्ले. ताची वळख घेवपाक हांवें म्हळें, ''तूं म्हाका वळखलो. मात तुका वळखलों ना. तुजें नांव कितें?''

ंसलो. हांसतना खुबच कुरूप दिसतालो. उजव्या हाताच्या नाखटांनी पलें वाडिल्लें खाड खरपिलें. म्हाका ओगीच दिसलें, हो मनीस स तरी न्हाल्लो नासतलो. वतांतल्यान आयिल्ल्यान ताच्या ल्यान हूम गळटाली आनी ताणें आपल्या मनगटाक ती पुशिल्ल्यान तोंडय खताविल्लें. हांवें पळयलें, तागेलो दावो पांय सुजला आनी पांयांक ताणें दोन पट्यांचें जोतें घालां. दावो पांय उकतोच आसा. नांत दुबाव आयलो, दाव्या पांयांच्या जोत्याचो पटो रोमता देखून ताणें पिशवेंत काडून दवरिल्लें आसतलें. पूण एका पांयांत जोतें मोंवपी हो मनीस तकलेन सारको आसा मू?

र मिनीटभर ताणें म्हज्या प्रस्नाक जाप दिलिना. घडये हांव वळखतां काय म्हूण तो वाट पळयतालो आसुंये. पूण हांव कांय उलयना हें पळोवन ताणेंच म्हळें, ''तूं कसो वळखतलो? आनी नांव सांगलें तरी वळखत अशें दिसना. म्हजें नांव हिरू... भुरगेपणांतली याद कर.''

हांव वळखलोंना. तरी हांवें ''आरे हिरू, तूं कितलो बदल्ला'' अशें एक नाटकी वाक्य तोंडांतल्यान भायर काडलें आनी ताचो निरोप घेवन फुडले वाटेक वचचें अशें येवजून म्हळें, ''सध्या खंय आसता तूं? करता कितें?''

''सध्या म्हळ्यार आज हांगा मुंबय. फाल्यां खंय आसतलों तें सांगूंक जावचेंना. आनी करतां कितें ह्या तुज्या प्रस्नाक म्हजेकडेन जाप ना.''

''पूण कितेंय तरी करता आसतलो न्हय... वेवसाय, धंदो, नोकरी... त्या अर्थान विचारलां हांवें...''

''हांव तत्त्वज्ञानाची भास उलयना. खरेंच हांव कितें करतां तें हांव नकळ. म्हळ्यार, हांव कांयच करिना.''

''बरें तर'' अशें म्हणून हांव ताचो निरोप घेवपाची तयारी करूंक लागलों. म्हाका काळबादेवीच्या एका ऑफिसांत वचपाचें आसलें. हात दिवंक म्हणून हांवें ताचेमुखार हात धरलो. ताणें तो आपल्या हातांत घट्ट धरून म्हळें, ''कितल्या वर्सांनी तूं म्हाका मेळ्ळा. खरें म्हळ्यार हांवें तुका च्या तरी दिवपाची...''

म्हाका च्या घेवपाची नासली आनी ताची वळखूय पुरती मेळूंक नासली. हांवें म्हळें, ''च्याचें बरें आसा. तूं आसता खंय? परत केन्नाय मेळुंया.''

तरी ताणें म्हजो हात सोडलो ना. म्हळें, ''परत मेळुंया? घडये भेट जावची ना. म्हजो पांय सुजला तो तुवें पळयलाच. पांच पावलां चलतकच खरस येता... म्हजें एक काम कर. म्हाका एक धा रुपया दी... तुजे पयशे हांव परत दिवंक पावचोंना म्हणपाचें हांव जाणां. देखून ते परत दितां असलें फटिचें आस्वासन हांव दिवंक सोदिना...''

हांवें विचार केलो. हाची चड वासपूस केली जाल्यार हांव घुस्पून पडटलों. देखून हांवें बोल्सांतले धा रुपया काडून ताका दिले आनी म्हळें, ''पांय डॉक्टराक दाखयलोना?''

''हॉस्पिटलांत वतां. वखदां घेतल्यांत.'' ताणें सांगलें आनी म्हजो हात सोडलो.

हातांत आशिल्ली धा रुपयांची नोट निरखितना ताच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं अशें म्हाका दिसलें. देखून म्हळें, ''तूं मनाक लावन घेवं नाका.''

''ना, मनाक लावन घेना. पूण म्हाका एका प्रसंगाचो उगडास आयलो. हांव स्कुलांत आसतना म्हज्या बोल्सांत खूब पयशे आसताले. आनी हांव म्हज्या सवंगड्यां सांगातान खूब पयशे मोडून फोल्गां मारतालों. फोल्गां म्हळ्यार हॉटेलांत वचून च्या पिवप, भाजी-उंडो खावप... ना जाल्यार शिरो. आनी फुटबॉलांनी खेळटा आसतना आयस्फ्रूट येतकच आमचे टिर्मीतल्या भुरग्यांक घेवन दिवप... त्या काळार भुरग्यांच्या बोल्सांनी पयशे नासताले. एक दीस दुसरे टिर्मीतल्या एका भुरग्यान म्हजेकडेन आयस्फ्रूट

घेवपाखातीर उशणे प़यशे मागिल्ले. हांवें ताका आयसफ्रूट घेवन दिलो. ताकाय तान लागिल्ली. बडी हातांत धरून हांवें आयसफ्रूट तोंडांत घालतां घालतां ताच्या आयसफ्रुटाचेर फुटबॉल मोखिल्लो... आयज तो प्रसंग म्हज्या दोळ्यांमुखार उबो रावता. म्हाका तेन्ना मद मारिल्लो. आज सगळो मद निवळ्ळा.''

हांव रस्तो क्रॉस करून फुडें गेलों आनी म्हाका जंय वचपाचें आसलें ते दिशेन चलूंक लागलों. एक खेपे हांवें फाटल्यान पळयलें. पूण म्हाका ते गर्दैंत तो मनीस... हिरू... दिसलो ना.

हांव येवजूंक पडलों. कोण हो हिरू ? आसतलो कोणय. असो बेफिकीरीन विचार करीत हांव म्हज्या कामाक गेलों. काम सोंपून भायर सरतासर तीनसांज जाल्ली. म्हाका माहिमाक वचपाचें आसलें. हे गर्देच्या वेळार बसीन वा लोकल गाडयेन वचचे परस टॅक्सी घेवन वचचें अशें हांवें थारायलें. पूण एकय टॅक्सी मेळ्ळिना. हांव चलत धोबी तलावार मेट्रो सिनेमा लागसार आयलों आनी थंय टॅक्सिची वाट पळयत उबो रावलों.

अचकीत म्हजी नदर थिएटराचे वणटीक तेंकून फुटपाथाचेर उकडयां बसून भेळ आनी पाव खातल्या हिरूचेर गेली. वसवशा भशेन तो खातालो. ताची नदरच हातांतल्या खाणाचेर थिराविल्ली. फुटपाथावेल्यान लोक येताले-वताले. कुशिच्या बस स्टॉपाचेर खुबशे लोक उबे आसले. रस्त्यावयल्यान येरादार चालू आसली. पूण एकांतांत बसून खाणाची रूच घेवची तसो हिरू आपले भितरूच गुल्ल आसलो. ताणें म्हाका पळोवंक नासलो.

खीणभर येवजिलें, ताका जाप दिनासतनाच फुडें वचचें. पूण कोण हो हिरू तें जाणून घेवपाची उत्सुकता सुरवेक सावन मनांत आसली. कामाचे तिश्टतीक लागून ती चिड्डल्ली. आतां हांव मेकळो आसलों. देखून हांव ताचेसरीं गेलों आनी ताका उलो मारलो.

एकदम उठून तो उबो रावलो. काचाबूल जाल्ले भाशेन जालो. हांवें म्हळें, ''बस तूं. सवकासायेन खा.''

''तूं उबो आनी हांव कसो बसूं?'' ताणें म्हळें. ''तुवें पयशे दिले देखून आज हें खालें. तुजो विस्वास बसचो ना, चार दिसां उपरांत आज हें अन्न पोटांत घेतां. गोंयांत आमच्या घरांत जेवणावळी पडटाल्यो. दनपारच्या वेळार कोणेय भुकेल्ल्यान येवचें आनी पंगतीक बसून पोटभर जेवन वचचें अशी रीत आसली. आज भिकारी जावन हांवें तुजेकडेन पयशे मागले...''

सट्ट करून हिरूची वळख मेळ्ळी अशें म्हाका दिसलें. काळखांत विजेचो दिवो पेट्टां पेट्टां पालवचो तशी ती अवस्था. हांवें म्हळें, ''येदोळ हांव बोवाळांत आसलों. चल, आज सांगातान जेवंक या.''

तो अनमनलो. ताणें म्हळें, ''आसूं. आज तूं जेवण दितलो आनी फाल्यां ही भेळ ताळ्या सकयल देंवचिना. तेन्ना खंय वतलों?''

हांवें ताका चड उलोवपाची संद दिलिना. ताका हाताक धरलो आनी लागशिल्ल्या एका वातानुकुलीत रॅस्टोरंटांत आमी भितर सरले.

''म्हाका भूक ना.'' ताणें म्हळें. ''पूण तूं दिता जाल्यार म्हाका एक सूप दी आनी नुस्त्याची एक प्लेट मागय.''

''तूं रावता खंय?'' हांवें ताका परत विचारलें.

''सध्या मुंबय शारांतच आसां.''

''खंयचेकडेन?''

तो मात्सो गडबडलो. ताणें म्हळें, ''तुका दिवंक म्हजेकडेन पत्तो ना. हांव जे वस्तींत रावतां ते वस्तींत सभ्य लोक वचनात. न्हिदपापुरतो हांव थंय वतां आनी सकाळीं परत भायर सरतां तो बद्द रातचो उसरां परत रुमार वतां.''

''रुमार कोण आसा?''

''कोण ना. एकलोच रावतां. वस्ती बरी न्हय. पूण करतलों कितें? दुसरो जागो ना. पारशी लोकांक अग्यारी आसा. आमकां हिंदूंक [illegible] लेगीत ना. तशो धर्मशाळा खूब आसात. पूण म्हजे सारकेल्याक [illegible] मेळना.''

अजून हिरू कोण ताची म्हाका सारकी कल्पना येना. मदीं [illegible] आसा अशें दिसतासर तो अनवळखी दिसूंक लागता. तो कोंकणी [illegible] खरो, पूण तागेले उच्चार मात्शे वेगळे हें म्हाका जाणवता. [illegible] खऱ्यांनीच गोंयकार काय कितें असो दुबाव येता. जे तरेन ताणें सूप [illegible] आनी उपरांत कांटो सुरी घेवन नुस्तें खालें ती तरा पळयतकच तो [illegible] रस्त्यावयलो भिकारी न्हय इतलें कळटालें. हांवें ताका जेवता [illegible] कसलोच प्रस्न विचारलोना. तोच मदीं मदीं उलयतालो. आपल्याच [illegible] तो दोश दितालो.

जेवण सोंपतकच हांवें ताका म्हळें, ''तुजें नांव म्हाका वळखिचें [illegible] पूण आमी खंय मेळिल्ले ताचो उगडास जायना.''

''तूंय बरो मरे!'' ताणें म्हळें. ''तूं अजून म्हाका वळखूंक [illegible] तुवें घा रुपये दिले आनी आपल्या सांगातान हॉटेलांत हाडलो?''

''तूं वळखिचो कसो वागलो देखून हांवें प्रतिसाद दिलो.'' हांवें [illegible]

''एक सांग, तुमी आर्दी कासावले आसताले न्हय?... आतां तरी [illegible] उगडास जालो?''

''सगळो वेळ हांव भुरगेपणांतल्या सवंगड्यांची याद करीत आस[illegible] तुजो तोंडावळो दोळ्यांमुखार कसोच.''

''येतलो कसो?'' ताणें म्हळें. ''भुरगेपणांतलें तोंड तशेंच कशें उ[illegible] तें पुराय बदलून वता. म्हजें तरी बदलून गेलां. पूण तुजें बदलं[illegible] हें खरें. ना जाल्यार हांव तुका वळखुपाचो न्हय. तुका पळयनाफु[illegible] वळखलों. आनी तूंय म्हाका निरखिता हें पळयतकच म्हजी खात्री जा[illegible]

''हांव तुका निरखी नासलों. म्हजेमुखार तूं आसलो. देखून नद[illegible] पडटाली, इतलेंच.'' हांवें म्हळें.

''पूण आतां तरी वळखलो न्हय?'' ताणें विचारलें.

''तशे आमी कांसावले गांवांत रावनासले. उबाळाच्या दिसांनी [illegible] येवन रावताले आनी त्या वेळार हांव तुमगेरूच उरतालों...'' ताणें [illegible]

आनी एकदम म्हज्या दोळ्यांमुखार हिरू उबो रावलो.

''आतां याद जाली'', हांवें म्हळें.''तूं सायकल घेवन येतालो [illegible] वेळेर रेंवेचेर आमी ती चलयताले... आतां सगळी याद जाली.''

बील फारीक करून आमी भायर आयले तेन्ना हांवें हिरूक म्हळें, [illegible] हांव वतां. फाल्यां तुजो कितें प्रोग्राम?''

''म्हजो आनी कसलो प्रोग्राम? खरें म्हळ्यार हांव कांय करिना. [illegible] कफल्लक जालां. बसीन भोंवंक पयशे नात. संस्कारांक लागून सर[illegible] मागना. तुजे सारकिल्या मुखार हात पातळायतां आनी दीस काडट[illegible]

''अशें उपकारना. तुज्या पांयांक वखद करून बरो जा. आनी [illegible] काम सोदून घेवन खर्चापुरते पयशे जोड.'' हांवें ताका सांगलें.

''कोण दितलो म्हाका काम? आतां पिराय जाल्या. देह थकला[illegible] मनूय थकलां... आनी खरें म्हळ्यार काम करपाची संवंय मोडल्या. [illegible]

''तूं पुलीस खात्यांत आसतालो म्हूण आयकल्लें. केन्ना रिटायर्ड जा[illegible]

''अजून थंय आशिल्लों जाल्यार हे आर्दीच रिटायर्ड जावपाच[illegible] म्हाका डिसमीस केलो.''

एक विचित्र हांसो हिरू हांसलो. ल्हान भुरगीं दुसऱ्याक चा[illegible] काडटात तसलो आवाज ताच्या तोंडांतल्यान भायर सरलो. हांवें अ[illegible] ताच्या तोंडाकडेन पळयलें आनी म्हळें, ''घरा कोण कोण आसा? [illegible]

''घरच ना जाल्यार घरा कोण आसतलो?'' ताणें परतो प्रस्न [illegible]

''गोंयांत तुमचें मूळ घर आसतलेंच न्हय? थंय कोण कोण आ[illegible]'' हांवें विचारलें.

…इल्यार कायीक वर्ग जायत आयली. त उपरांत हांव गोयांत … अमचें संयुक्त कुटुंब म्हज्या बापायक मुर्खपणांत नरग आयलें … म्हजें आवयच्यो सयो घेवन घराच्याचें धंवळ्यिंचो आमचो …ल्या नांवार करून घेतलो आनी उपरांत आमकां घराभायर काडलीं. … तीं आपल्या कुळारा गेली. पूण चड दीस वांचलिना. तिच्या … म्हाका पोलीस खात्यांत नोकरी मेळिल्ली. हांव तिका घेवन … आयलों." थंइं नितळ जिवीत कशें सागचें अशें तरेन त …

…हें म्हाका कांयच खबर ना." हांवें म्हळें. "पूण पुलिसेंत नोकरी …वें भाड्यान घर घेतलें ना?"

…फ्लॅट आशिल्लो भाड्याचो. फक्त हांव पुलीस खात्यांत आसां … घरमालकान तो दिल्लो. म्हजी नोकरी वतकच हांवें फ्लॅट … ताणें प्रयत्न सुरू केले आनी हांवें भाडें फारीक करंक … करून कोर्टाच्या आदारान त्या फ्लॅटाचो ताबो घेतलो."

…करून म्हळ्यार? तुंवें भाडें फारीक केल्लें तर?" हांवें विचारलें.

…वयलो मनीस. नोकरेखातीर म्हाका खंय खंय भोंवचें पडटालें. … भाडें फारीक करतालो. तो पयशे घेतालो. पूण … म्हाकाय पावती कित्याक जाय आसली? आवय उपरांत … तेन्ना तगेल सगलें भाडें फारीक करतालों. म्हाकाय … पावती दिली ना. आनी म्हजी नोकरी वतकच भाडें फारीक … अशी कागाळ करून ताणें म्हाका फ्लॅटांतलो भायर काडलो."

…तुजी बायल, भुर्गीं?"

… खबर उजवाड करून …

… गंभीर जाल्लें पळोवन म्हाका दिसलें, त विशीं चड … हांवें म्हळें. "तूं फाल्यां म्हाका कित्याक मेळना? … दी. हांव तुगेर येतां."

… हांव … " ताणें म्हळें.

… थिएटराच्या दारांत सकाळच्या ११ वरांचेर मेळूंया …

… बदलुंक काय किते?" एकदम ताणें म्हाका विचारलें. … सिनेमा पळोवया. सांगातान … हात मुखार करतलें. पूण म्हाका गोयांत … हात घालून आनीक एक धा रुपयांची नोट भायर काडली. … ताणें म्हळें. "फाल्यां मेळटलें तेन्ना लागले जाल्यार …

… खाड कर. तुजे कपडे म्हळे जाल्यार ते बदल."

…गलें धा रुपयां भितर जावचेंना."

…ले लागतले?"

… म्हजी लज दिसना?" ताणें गंभीर जावन प्रश्न विचारलो.

… हांवें ताका … दिलें. "म्हाका लज दिसना … तुका … ना अशें दिसना … एका पांयाक ज़ोतें घालून तूं भोंवता…"

… पायांकडेन गेली. आता दोनूय पायांनी … "पांय दुखता तेन्ना हांव जोतें काडून दवरतां."

… वीस रुपया दिले आनी म्हळें. "तुजो प्रश्न हांव … पूण फाल्यां कपडे बदल आनी खाड कर."

… तूं? … दिल्ल कपडे … नाशिल्ल्यान … रुपया जाल्ले … दिताच जाल्यार आनीक वीस रुपय दी … जाल्यार सारकें काडुया."

हांवें आनीक वीस रुपया दिले. आनी ताका दुसऱ्या दिसा सकाळीं ११ वरांचेर तेच सुवातेर येवपाचो उगडास करून दिलो.

"सिनेमाक वतलो जाल्यार बरीन वतां. सकाळच्या वेळार तिकेट मेळूंक सोंपी.धा वरांचेर सुरू जाता… कितले दीस हांव त्या सिनेमाचें पोस्टर पळयतां. पूण तिकेट विकती घेवन थिएटरांत वचूंक परवडना."

"तशें जाल्यार हांव धा वरांचेरच येतां. कसलो सिनेमा चलता?"

"पोरणो. 'बायसिकल थीफ'. भुरगेपणांत खूब वर्सांआदीं पळयिल्लो. सध्या परत लागला. तुंवें पळयला? बरो सिनेमा. कितलेय खेपो पळयल्यार उबगण येवचिना."

* * *

गोयचे तुटके आदले दीस वगळच आसले. म्हाका उगडास जाता ते नाशेन कांसावले गांवांत सांजेच्या स वरांच्या अदमासाक लोंडा-मुरगांव गाडी येताली. पांच-धा मिन्टांखातीर रेल्वे स्टेशनार जात्रा भरताली. गाडी सुटटासर जात्रा उलगताली. चारय दिकांनी काम करतले कश्ट करपी लोक त्याच अदमासाक दिसाचें काम सोंपोवन स्टेशनाक लागून आशिल्ल्या बाजारांत येताले. पॅट्रोमॅक्साच्या उजवाडांत त्या दिसाची खरेदी करून काळोख जातां जातां घरा परतूंक लागताले. त उपरांत एके तरेन पुराय गांव न्हिदतालो. सकाळीं उकतीं केल्लीं घराचीं दारां राती वेळार बंद जातालीं आनी घरांत एकाद्री चिमणी वा दिवो पेटलो तरी ताचो किरण दाराभायर येना आसलें.

गांवाक सकाळची जाग येताली ती इगर्जेच्या घांटिंनी वा रेंदेराच्या गितांनी. सगळेच सगल्यांक वळखताले. नवें अशें कांय नासलें. घाण्याक बांदिल्ल्या बैलावरी एका सांच्यांत गांवचे वेव्हार चलताले.

म्हजी पिराय तेन्ना नव-धा वर्सांची आसुंये. त पिरायेंतच सगलो गांव हांवें पायांनी मातयिल्लो. घरान्घर हांव वळखतालों. आनी चडावत लोकय म्हाका वळखताले. कोणाल्या पोरसांत लिंबू, काण्णां वा जगमां आसात… जांबां तोरां वा अंबाडे खंय आसात… कसलीं फुलां खंय मेळटलीं… कोणांगेर सुणीं आसात आनी कोणालें दुकर मातलें हें सगलें म्हाका खबर आसलें. आमी वाड्यावयले चार भुरगे जमून सदांच पोरसांतलीं झाडां झुडुंक वताले. लुटपाचो एक आनंद आसता. ते धुंदींत आमी फळां, फुलां लुटून हाडटाले. तशें केल्ल्यान झाडांक दुखो जावता, हरवीं फळां झुडून फायदो जायना म्हणपाचें गिन्यान आमकां नासलें. कोणय तरी आमकां पळयतालो आनी मागीर घराकडेन येवन कागाळ करतालो. अशा वेळार घरांतले जाणटेले कागाळ करूंक आयिल्ल्या भाटकारामुखार आमकां चड करून उतरांचो मार दिताले आनी भाटकाराकच आमची काकूळट येताली. तो म्हणटालो, "तुमी मागून घेयात. पूण पोरसाची वाट लावं नाकात." पूण मागून हाडपांत पुरुशार्थ नासता हें भाटकाराक कशें सांगतलो?

घरांत सोदूंक कोणेंय उलो मारलो जाल्यार आमी केल्लें कसलेंय नांवरूप घरच्याच्या कानार पावना अशें आमकां दुबाव येवंक लागतालो आनी आरोपीन आरोप न्हयकारतना आपले पुरावे मांडचे ते तरेन आनी त्या वेळार खंय कशे नासले हें सिद्ध करपा खातीर मांडोवाल्याक कोळंबवाल्याची साक्ष म्हणची, ते तरेन एकामेकांचे साक्षीदार जावन आरोप परतिताले.

अशेंच एक दीस बापायल्यान म्हाका उलो मारलो आनी विचारलें, "फाल्यां तुका शाळा आसा?"

प्रश्न इतलो अनपेक्षित आसलो की जाप दिवचें तें म्हाका कळळेंना.

"शाळा आसल्यार आसूं, फाल्यां तूं वचूं नाका. सकाळीं एक मोटार येतली आनी ते मोटारींतल्यान भाटकाराचें कुटुंब हांगा येतलें. तांकां आमचें घर खबर ना. तुवें बाजाराच्या नाक्यार रावन तांकां घर हाडपाचें आनी जेवले उपरांत तांकां तांच्या बिराडार पावोवपाचें. हें काम तुजें. समजलो?"

खरें म्हळ्यार हांव कांयच समजूंक नासलों. तरी हांवें तकली हालोवन म्हळें, ''म्हजें एकल्याचें?''

''आनीक कितले लोक जाय तर तुका? तुवें फकत वाट दाखोवपाची.'' बापोलयान म्हळें.

. त्या दिसा म्हाका हांव जाण्टो जालां अशें दिसलें. म्हजेर एकल्याचेर कसलें तरी काम सोंपयिल्लें. दुसऱ्या दिसा सकाळीं हांव सदां परस बेगीनच उठलों. आनी शाळा चुकोवन बाजारांत वचून रस्त्याचेर उबो रावलों. शाळेंत वतलीं भुरगीं म्हाका मेळटालीं. साडेइकरा वरांचेर शाळा सुटली तरी हांव बाजारांत उबो. गांवकार कुटुंबाक घेवन मोटार आयली ना. गांवांत एकय मोटार येवंक नाराली. त्या दिसांनी मोटार येवप म्हळ्यार अप्रूप. तांबडे मातयेच्या रस्त्यावयल्यान धुल्ल उबयत एखाद्री मोटार गेली म्हणटकच तो धुल्ल खायत ल्हान भुरगीं मोटारिचे फाटल्यान धांवतालीं.

शाळा सुटली तरी मोटार आयली ना. तेन्ना हांव तान लागली म्हणून घरा परतलों. भितर वचून उदक पियेतासर आमच्या मागीलदारांत एक मोटार येवन उबी रावली. येदोय वेळ जे मोटारिची हांव वाट पळयतालों ती आपूण जावन आमच्या दारांत पाविल्ली. घराक वळसो धालून ती फुडल्या दारांत घेवंक ड्रायव्हराक सांगलें. १५-२० मिटरांचें तें अंतर आसलें. तरी हांव फुडल्या सिटाचेर मोठे उमेदीन वचून बसलों.

मोटारींतलीं मनशां घरांत आयलीं. एक बायल आनी दोन भुरगीं. ते भायर एक जाण्टी बायल. मोटार चलयतालो तो ड्रायव्हर अशीं पांच मनशां देंवलीं. म्हाका घरच्यांनी सांगून दवरिल्लें, जे लोक येवपाचे आसात ते मोठे मनीस. तांकां बाब म्हणूंक जाय. तांचेकडेन नम्रतायेन उलोवंक जाय.

भुरगो आरालो तो म्हजेच पिरायेचो. एक दोन वर्सांनी व्हड जातलो. पूण ताका पळयनाफुडें म्हज्या मनांत नसाय उपजली. आमी तेन्ना हाफ पॅंट आनी हाफ शर्ट घालताले. पांयांत जोतें लेगीत नासतालें. गांवांत भोंवतना जोत्याची गरजय लागनासली. दिसपट्ट्या वापराचे पोरणे कपडे आनी चवथ, दिवाळी, शिगम्याखातीर वा खंयच्याय लग्ना कार्याक घालपाखातीर नवे कपडे आसताले. तो भुरगो वेगळोच दिसलो. राजालो राजकुंवर कसो. ताच्या आंगार लांब पॅंट आसली. इनशर्ट केल्लें लांब हाताचें शर्ट. दाव्या हाताच्या बोटाक मुदी. उजव्या हाताच्या मनगटाक माश्कोत. ते भायर दाव्या मनगटाक घड्याळ. गळ्याक भांगराची सरपळी आनी जाण्ट्यांनी काडचो तसो केसांचो मागो. पांयांत मेय आनी बूट. आम्च्या आंगणांत रेंव आसली तरी ताच्या बुटांचो टक् टक् आवाज आयलो आनी तो घरांत गेलो. दोनय बायलो आदींच घरांत गेल्ल्यो. तांचे फाटल्यान एक चली – जी तेन्ना सोळा सतरा वर्सांची आसुंये. हांवें मनांतल्या मनांत तांचीं नातीं जुळयलीं. चलो आनी चली भाव-भयण. ती बायल तांची आवय आनी जाण्टेली बायल तांची आजी. मागीर गांवकारबाब खंय तर? म्हाका सट्ट जालें. मोटार चलयतालो तोच गांवकारबाब आसूंक जाय. ताणें पुलीस घालतात तसो ड्रेस घाल्लो. माथ्याक चेपें आसलें. हांव ताचेसरी गेलों आनी म्हळें, ''बाब, तुमी भितर येयात. हांव सामान काडूंक मनशाक धाडटां.''

मोटारिच्या टपाचेर सामान आशिल्लें आनी फाटले डिकींतय.

ताणें म्हळें, ''सामान एकदम बिराडाचेर देंवोवया. हांव हांगाच रावतां.''

म्हाका सांगिल्लें, तो एक व्हड मनीस म्हूण. ताचो मान राखूंक जाय. देखून हांवें ताका भितर येवपाचो आग्रो केलो. तो आयलो आनी भायले वटेन कुशीक एका कदेलाचेर बसलो. येदो मोठो मनीस रांकोच कित्याक करता तें म्हाका कळ्ळेंना. घरांत त्या वेळार जाण्टो दादलो कोणच नासलो. हांवें भितर वचून आवयक ल्हवू सांगलें, ''गांवकारबाब भायरच बसला.''

दाराकुशीक रावन आवय ताका पळोवन गेली आनी म्हळें, ''तो गांवकारबाब न्हय. तो ताचो ड्रायव्हर.''

मनांत म्हळें, हो इतल्या झेतान भोंवता जाल्यार खासा गांव
कितल्या झेतान भोंवता आसतलो?

ड्रायव्हराकडेन उलयतकच म्हाका कळ्ळें, गांवकारबाब सांजचे येतलो. तो कसल्या तरी कामाखातीर मडगांवां गेला. मोटारीन आ तीं दोनय भुरगीं गांवकारबाबालीं. ती बायल भुरग्याची आवय अ जाण्टी बायल तांची रांदतली.

हो सगळो प्रसंग धोबी तलावसावन माहिम वतना टॅक्सींत दोळ्यांमुखार उबो रावलो. तो थाटांत बूट वाजयत भितर गेल्लो त तोच हिरू. ताका हिरू म्हणचें काय हिरूबाब म्हणचें हेंच म्हाका कळ

दनपारचें जेवण उलगतकच हांव तांचें बिराड दाखोवंक गेलों. कामाखातीर कांसावले आयिल्लें. देड दोन म्हयने रावलें. त्या दोन म्ह त्या कुटुंबाकडेन म्हजो खूब लागिंचो संबंद आयलो. आनी हिरूचो अखंड मेळ्ळो. ताची म्हजी इश्टागत जाली अशें म्हणपाचें धाड करचोंना. ताचो तरतरच वेगळो आसलो. त्या मानान हांव गांवढळ दिस

तो हिरू. इतल्या वर्सां उप्रांत मुंबय शारांत म्हाका मेळिल्लो मुखार ताणें भिकेचो हात पातळायिल्लो आनी हांवें ताका वळखनार भिकेचे पयशे दिल्ले.

* * *

एप्रिल-मे म्हयन्यांत कासावलेचे वेळेर वाऱ्याखातीर लागशिल्ले प लोक वताले. ल्हानसोच शांत गांव.

त्या दिसा हिरूच्या कुटुंबाक हांवें तागेल्या बिराडाचेर पावयलें त्या घरांत हांव भितर सरलों तेन्ना म्हाकाच अजाप जालें. सगली त वेवस्था. पूण चोख बरी आसली. बरें फर्निचर थंय आसलें. इतलें तर केरोसिनाचेर चलपी एक रेफ्रिजिरेटर आसलो. हिरूल्या घ व्हडविकेची गवाय दिवपी ल्हान व्हड वस्त थंय आसली.

मुळांत तें घर एका भाटकाराचें. तो आफ्रिकेक स्थायिक जाल्ल चार वर्सांनी केन्नाय गोंयां येतालो. पूण हरशीं तांचें घर बंदच उरता

त्या दिसा सांजचो गांवकारबाब आयलो. रेल्वेचे गाडयेन देंवलो थेट आमगेर आयलो. ताका तागेल्या घराची वाट दाखोवपाखातीर ताच्या सांगातान वचचें पडलें. गांवकारबाबाक पळयनाफुडें तो कोण मोठो मनीस म्हणपाचें कळटालें. तो कासाटो मारून धवेंफुल्ल पुडवें न्हे आनी पांयांक पठाणशूज घाल्ले. इनशर्ट केल्लें रसमी शर्ट आनी त टाय. तसोच उंची कोट. ताच्या दोळ्यांक भांगराचे फ्रेमिचें वक्ल आनी कोटाच्या एका बोल्साक भांगराची सरपळी. सरपळेच्या दुसऱ्या भांगराची वाटकुळी घडयाळ, जी कोटाच्या वयल्या बोल्सांत दव वयले वयर घडयाळ भायर काडून तो वरां पळयतालो. दाव्या ह दोन बोटांक तीन मुदयो. मनगटाक भांगराचो पटो आशिल्ली घड थाटच वेगळो. हातांत एक रोत. एकेक पावल उखलून तो चलता अ वाटेवयलो लोक आपसूक कुशीक सरतालो. अशा मोठ्या मनशा स मोटवें कालसांव आनी मोटवें खोमीस घालून हांव उकत्या पायांनी तरी गांवच्या लोकांनी म्हाका पळोवचो अशें म्हाका मनापासून दिस

खुबशीं पुर्तुगेज वाक्यां भरसून गांवकारबाब मर्दीच म्हाका एखाद्र विचारतालो. म्हाका पुर्तुगेज समजनासली. पूण हांव ताका जाप दीत रा म्हाका आतां दिसता, कितेंय तरी उलोवंक जाय म्हूण तो प्रस्न विचा आनी हांव जी जाप दितालों ती आयकून लेगीत घेनासलो. फक 'हूं' करतालो.

त्या दिसा ताच्या बिराडाचेर ताणें म्हाका आग्रो करून च्या प्लेटींत मचमचीत तुपाचो शिरो. आनी सगलो मानकुराद आंबो.

गांवकारबाबालो हिरू हो एकलो, एकसुरो चलो.

...र तीन-चार वर्सां हें कुटूंब वर्सान वर्स चुकनासतना कांसावले ...येतालें आनी देड-दोन म्हयने रावतालें. त्या वेळार म्हजी हिरूकडेन ...य जाल्ली. ताचेकडेन एक सायकल आसली. म्हाका तेन्ना सायकल ... येनासली. सांजच्या वेळार दर्या वेळेर वता आसतना ताणें सायकल ...आनी मदीं मदीं म्हाका चलोवंक दिवची. आतां सारको उगडास ... पूण दिसता, हिरूलें सायकलिचेरच हांव सायकल चलोवंक शिकलों. ...हिरू इतल्या वर्सां उपरांत मुंबय अचकीत मेळिल्लो. हिरूलें घर ...ोवंक ना. पूण तागेले भयणिच्या लग्नाचो म्हाका उगडास जाता. ... तरी देवळा म्हन्यांतले अगरसाळेंत तें लग्न जाल्लें आनी त्या ... हांवय गेल्लों. पूण ह्या खिणाक हिरूचे भयणिचें नांव वा तिचो ...ो म्हाका याद जायना.

... कल्पनेप्रमाण त्या वेळार हिरू पुतुगीज शिकतालो. तो डॉक्टर ...ोल जातलो अशें लोक म्हणटाले. हिरू आनी तागेलो बापूय ...ांकडेन पुतुगीजींतल्यानच उलयताले. आपल्या चल्याक पुतुगीज ...ची संवंय जावची हे खातीर बापायन ती चाल सुरू केल्ली. तेन्ना ...पुतुगीजींतलें एकय उतर समजनासलें आनी ते उलोवंक लागले ...च हांव मोठे लक्तुबायेन हिरूकडेन पळयतालों.

... हिरूक मोठेपणाचो गर्व आसा म्हणपाचो एक अणभव ते पिरायेचेर ...तलो. सांजच्या वेळार हांव हिरूगेर गेल्लों आसतना हिरूलो मामा .... मामान येता आसतना सफरचंदां हाडिल्लीं. आमच्या भुरगेपणांत ...द हें दुर्मिळ फळ आसलें. युरोपाक सावन तीं येतालीं आनी तीं ...चे दांत सगल्यांकच नासताले.

...ान हाडिल्ली पोटली हिरूच्या हातांत दिली. हिरून ती उसयली. ...तलो आनी म्हाका म्हळें, ''हीं सफरचंदां खूब म्हारग. हांव एक ... तुका आंबो दिवं?''

...ची परिस्थिती मध्यम वर्गांतली आसली तरी खाणाजेवणाक कांयच ...सलें. हिरूलो तो प्रस्न आयकून म्हाका अपमान जाल्लेभाशेन दिसलें. ... घट उगडास आसा, तेन्ना हांवें ताका म्हणिल्लें, ''हांव तुमगेर ...आनी सफरचंदां खावंक येना. म्हाका तुजो आंबो नाका आनी सफरचंदय ...आनी गांवांत म्हाका सवंगडी थोडे नात. तुका नाका आसत जाल्यार ...ल्यांच्यान तुगेर येना.''

...्या दिसा हांव तागेर गेलोना. सांजचो हिरूच आमगेर आयलो. ...रांत नासलों. मेयाचो बॉल करून आमी तेन्ना फुटबॉल खेळटाले. ...ाटल्या शेतांत आमची मॅच रंगांत आयिल्ली. खेळ सोंपूंक एक ...नटां उरिल्लीं. अशा वेळार आपली सायकल घेवन हिरू ग्रावंडाचे ... आयलो आनी म्हाका हात करपाचो यत्न करूंक लागलो. पूण ...ाका खऱ्यांनीच पळोवंक नासलो. मॅच सोंपसर तो रावलो आनी ...ोंपतकच म्हजेसरी आयलो. तो म्हाका आपणागेर आपयतालो.

...ळ सोंपतकच आमी शेताचे धडेवयले जांबळिचीं जांबळां काडटाले. ...दिसा हांवें हिरूक जांबळां दिवंक काडलीं. एकेक जांबळ पेरायेदें ...ालें. रसाळ आनी मांसाळ. सगळे भुरगे बचक्यांनी जांबळां खाताले. ...हिरून हांवें दिल्लीं जांबळां घेतलीं नात. ताणें सांगलें, ''आमी ...ांतल्यान जांभळां हाडटात आनी घराकडेन व्हरून तीं धुवन मीठ ... खातात.''

...ाका ताजी काकूळट दिसली. बाजारांत सगळीं फळां मेळटात. पूण ...वयलीं पाडून ताजीं फळां खातना जो आनंद मेळटा तो घरांत कसो ...लो? झाडाक पिकिल्लो अपुरपिको आंबो... ताची आंबट-गोड रूच ... तणांत पिकयिल्ल्या आंब्याक ती कशी येतली? झाडार पिकून ... आपलो घमघम वाठारार पातळायतली बरकय... हरवे आंबाडे... ... आंबल्यो... म्हाका दिसलें, हिरून सगळें खालां. घडये तो दिसपट्टो सफरचंदांच खाता आसतलो. पूण झाडपिक्या फळाची रूच ताका खबरच ना.

कशेंय आसना, हिरूविशीं हांवें वेगळी कल्पना केल्ली. हो मनीस खूब व्हडलो जातलो. घडये सरकारी अधिकारी जातलो. घडये डॉक्टर, वकील जातलो आनी केन्ना तरी म्हाका ताचो आदार मेळटलो. आदार नासलो तरी एका व्हड मनशाकडेन म्हजी वळख उरतली. पूण त्या चार वर्सां उपरांत हिरूक हांवें केन्ना पळयलोच ना. ताचेविशीं कांय आयकलेंय ना.

तो हिरू इतल्या वर्सां उपरांत इतले लाचार अवस्थेंत म्हज्या जिवितांत परत आयिल्लो. म्हाका दिसलें, फाल्यां सकाळीं ताच्या सांगातान सिनेमा पळोवचो आनी ताच्यो उमेदी भागोवच्यो. फाल्यां सांजच्यो आमच्यो वाटो वेगळावतल्यो. घडये हे जिणेंत त्यो परतून लागीं येवच्यो नात.

सकाळीं मॅट्रो सिनेमाकडेन पावंक म्हाका कळाव जालो. पूण हिरू थंय हाजीर आसलो. म्हजेसरीं येवन ताणें म्हळें, ''सिनेमा बदलला.''

''तरी आमी तो पळोवंया.'' हांवें सुचयलें.

''तुका जाय जाल्यार या. थंडशें बसून उलोवंक मेळटलें.'' हिरून म्हळें.

हिरूचो भेस बदलूंक नासलो. पूण आंगावयले कपडे धवेफुल्ल आनी चकचकीत आसले. पांयांत मात कालचेंच जोतें. वाडिल्लें खाड काडिल्लें आनी केंसय कापिल्ले. जाण्टेपण लिपलेंना तरी तो म्हाका तरतरीत दिसलो.

सिनेमा थिएटर अर्दें रिकामेंच आसलें. आमी बाल्कनिच्यो तिकेटी काडिल्ल्यो. एका कोनश्याक वचून बसले.

''काल हांव तुका वळखूंक नासलों. पूण आतां सगळो उगडास जाला.'' हांवें हिरूक म्हळें.

ताची प्रतिक्रिया कळ्ळिना. तो निखटो हांसलो. हांवेंच फुडें म्हळें, ''तेन्नाचो तुजो थाट वेगळोच आसलो. याद आसा तुका?''

''याद नासूंक कितें जालां? खरें म्हळ्यार गोंय स्वतंत्र जालें आनी आमची दुर्दशा सुरू जाली. आमच्या घराण्यांत शिकिल्लो तो हांव एकलोंच. लिसेवाचेर आसतना पुतुगीज शिक्षण सोडून इंग्लीश शिक्षण घेवंक मुंबय आयलों. पूण ते आदींच म्हजो बापूय भायर पडिल्लो. घराणें खूब मोठें. जेवणाखाणाची अडचण नासली. हात खर्चाकय पयशे मेळटाले. पूण म्हजो बापूय आसतना जो दरारो आशिल्लो तो उरलोना.''

''पूण तूं लिसेव सोडून मुंबय येवंक कारण कितें जालें?'' हांवें विचारलें.

हिरून एक व्हडलो सुस्कारो सोडलो. थिएटरांत उजवाड पालवलो आनी सिनेमा सुरू जालो. कसलो तरी इंग्लीश सिनेमा. आमच्यो नदरो पड्ड्याचेर थिरावलेल्यो. पूण म्हजे कान हिरू सांगतालो ती खबर आयकताले.

''देवाचे कृपेबगर येदी व्हडली गिरेस्तकाय कोणाक मेळना. आनी देवाच्या स्रापाबगर ती गिरेस्तकाय मातयेभरवण जायना.'' आपली खबर सांगून जातकच हिरून म्हळें.

भायर येतकच हांवें ताका विचारलें, ''आज कसलें जेवण जेवंया?''

''गोंयचें आनी नुस्त्याचें. आज म्हाका पोटभर जेवंक जाय. इतल्या वर्सांची भूक एका जेवणान भागोवंक जाय... तुका उपकारता न्हय?''

''सांगातान जेवप म्हळ्यार तूं खाता तितलेंय हांवें खावप असो अर्थ न्हय. आज तुज्या मनासारकें जावंदी. खंय वचुंया सांग.''

''अनंताश्रमांत'', ताणें सुचयलें.

टॅक्सी करून आमी गिरगांवांत गेले. अनंताश्रमांत जेवतना लेगीत हिरू उलयत रावलो. जेवले उपरांत हांवें ताका म्हळें, ''आतां आमी तुज्या रुमार वचून बसुंया.''

तो एकदम गडबडलो. ताणें म्हळें, ''म्हजी इतली काणी आयकतकच त्या रुमांत वचचें अशें तुका दिसता जाल्यार हांव तुका आडावचों ना. पूण म्हाका दिसता, सभ्य मनशान थय वचचें न्हय. तरी तुवें आग्रो केलो

जाल्यार हांव नाका म्हणचोंना.''

तागेलो संकोच पळोवन हांवें विचार बदललो आनी ताका घेवन हांव म्हज्या एका इश्टागेर गेलों. इश्टाल्या फ्लॅटाचे एके कुडींत बसून आमी थंडसाणेन खबरो केल्यो आनी एका एका प्रसंगांतल्यान हिरूची कर्मकाणी म्हज्या दोळ्यांमुखार उबी रावली.

''तुका फ्लॅट कसो सोडचो पडलो तें कळ्ळें. पूण तुका नोकरी कित्याक सोडची पडली तें तुवें सांगलेंना.'' हांवें म्हळें.

''हांवें एक मोठी चूक केली. पक्षपात केलो. तेन्ना हांव गुप्तहेर विभागांत आसलों. एका अधिकाऱ्याक लांच घेता आसतना धरिल्लो आनी तागेली इस्टेट आमी जप्त केल्ली. पूण खाशेले परिस्थितीक लागून हांवें त्या अधिकाऱ्याक सुटपाची वाट दाखयली. ताचे आड आशिल्ले पुरावे दुबळे दवरले... तो त्या वेळार सुटलो. पूण म्हजेआड कागाळ जाली आनी म्हाका डिसमीस केलो.'' एकदम सादेपणान हिरून सांगलें.

''पूण जाका तुवें सांबाळ्ळो ताणें तुका कसलोच आदार दिलोना?''

''तो आनी ताची बायल म्हाका लाखांनी रुपया दिवंक तयार आसलीं. अजूनय तागेर गेलों जाल्यार म्हजें भाग्य बदलतलें हें जाणां. पूण म्हजे नितींत तें बसना.'' हिरून म्हळें.

म्हाका अजाप जालें. भ्रश्टाचाराचो मार्ग आपणायिल्लो हो आदलो पोलीस अधिकारी नितिची भास उलयतालो. पूण ताका सरळ कांय विचारलेंना.

''तुजे बायलेविशीं सांगूंक तूं कित्याक अनमनता?'' हांवें विचारलें.

''अनमनतां? बायलच ना जाल्यार तिचेविशीं कितें सांगूं?''

''म्हळ्यार, तूं लग्नच जालो ना?''

''ना.''

''पूण काल लग्नाचो विशय काडलो तेन्ना ते विशीं विचारूं नाका अशें तुवें कित्याक म्हळें?''

''म्हजें लग्न थरिल्लें... बापायन थारायिल्लें. म्हजी पसंती कोणें विचारलिना. पूण हांवें जावन तें मोडलेंय ना...''

''अशी कुवाड्याची भास कित्याक उलयता? नोकरी कशी गेली तेंय तुवें सांगलेंना. नोकरी करतना जोडिल्ल्या पयशांचें कितें जालें?''

''तशे पयशे जोडपाचे आशिल्ले जाल्यार लाखांनी जोडूं येताले. पूण हांवें केन्ना लांच घेतलिना आनी लांच घेतल्याची दया केली ना.''

''पूण एका भ्रश्ट अधिकाऱ्याक आदार दिलो अशें तूंच सांगतालो...''

''ती म्हजी लाचारी आसली. आनी ते लाचारींतल्यानच हांव एक कायद्याभायलें अनितीक कर्तुप करून बसलों. ते खातीरच म्हजी नोकरी गेली. फट उलयिल्लों जाल्यार नोकरी वचची नासली. पूण नोकरेर उदक सोडपाचें थारावन हांवें खरें तें सांगलें.'' ताणें म्हळें.

''म्हाका कांयच बोध जायना. तुजी लाचारी कसली? भ्रश्ट अधिकाऱ्याक आदार दिवचे खातीर नोकरी सोडली? कोण तो अधिकारी? मित्र? सोयरो? काय ताणें तुका विकतो घेतलो?''

''हिरूक विकतो घेवपी अजून जल्मूंक ना.'' एकदम उबो रावन छातयेर हात मारून हिरून म्हाका सांगलें.

हांवें ताच्या हाताक धरून ताका बसयलो आनी म्हळें, ''हांव तुजेर आरोप करिना. पूण तूं कितें तरी लिपयता अशें म्हाका दिसता.''

''त्या अधिकाऱ्यान म्हाका पयशे दिवंक केल्ले. हांवें ते घेतले नात. पूण ताची बायल म्हाका मेळूंक आयिल्ली...'' एकदम हिरून जीब चाबली आनी म्हळें, ''उपकार करून तूं म्हाका असले प्रस्न विचारूं नाका. म्हाका कांयच सांगचेलें ना आनी सांगून फायदोय कांय ना. तूं म्हजें चरित्र बरोवंक सोदता काय कितें?''

''जमल्यार चरित्रय बरयन. पूण तूं लिपयता कित्याक? ताचे बायलेक तूं मेळ्ळो आनी विश्वामित्राचो मेनकेन केलो तसो तिणें तुजो तपोभंग केलो?''

''तुका एक सांगतां. हांव अखंड ब्रह्मचारी. बायलांकडेन म्हजो [illegible] संबंद येवंक ना. पूण म्हजी लाचारी वेगळी आसली. तुका जाय [illegible] हांव सांगतां...''

''सांग.'' हांवें म्हळें. ''तुजी ही आवतिकाय पळोवन म्हाका ख[illegible] वायट दिसता. तुका शिक्षण आसा. तुज्यांत गूण आसात. पोलीस खा[illegible] नोकरी गेली म्हणून संवसार बुडलोना. तुका दुसरी मेळूं येताली.''

''नोकरी मेळूं येताली आनी मनांत हाडिल्लें जाल्यार घरा बसून [illegible] येतालें. पूण हांवें तें केलेंना. दुसऱ्या गांवांत वचून रावं येतालें. सु[illegible] दिसांनी तसो यत्न केलो. खंयूय गेल्लों जाल्यार दुसऱ्याक फटोव[illegible] आसलें. म्हज्या मनाक कसो फटयतलों आसलों? म्हजो अध:पात [illegible] हें म्हाका कळटालें आनी एके भाशेन प्रायश्चित्त घेवपाखातीर हां[illegible] फकीर जालों. फाटलो फुडलो कोण ना. आई मरत सावन मायेचो [illegible] उरूंक नासलो. देखून अशे तरेन भोंवप म्हाका उपकारतालें.

''अध:पात कसलो म्हणटा?''

''तूं समजता तसलो न्हय. हांवें कोणाचो गैरफायदो घेतलो ना. [illegible] मनशाचो तर निखालस ना. सदां उजू मार्गान चल्लों. फट केन्ना उलयलो[illegible] पूण त्या भ्रश्ट अधिकाऱ्याक सांबाळून घेवचो पडलो. हांवें ताका सां[illegible] घेतलो हो म्हजो अध:पात.''

''पूण लाचारी कसली?''

''लाचारी... लाचारी बेलाची.''

''बेला?'' अजापून हांवें विचारलें.

एकदम तो खर्शेलो आनी ताणें म्हळें, ''तिचो विचार करून हांवें प[illegible] बदललो... आनी पळवाटय ताका दाखोवन दिली.''

धनराज एक गुजराती वेपारी. गोंयांत ताचें ल्हानशें दुकान आसलें. हि[illegible] बापायकडेन धनराजाची खूब इश्टागत आसली. गांवकारबाब स[illegible] अधिकारी आशिल्ल्यान आपलें वजन वापरून तो धनराजालीं कामां कर[illegible] फुडें धनराजान गांवकारबाबाच्या आदारानच आफ्रिकेंतले पुर्तुगीज वस[illegible] मोजांबिकेक पेढी घाली आनी ताचें भाग्य फळफळ्ळें. ताणें गोंय [illegible] तरी गांवकारबाबाची इश्टागत सोडली ना. वर्सांतल्यान एक दोन ख[illegible] गोंयांत येतालो आनी गांवकारबाबागेरच रावतालो.

बेला धनराजाची चली.

एक खेपे धनराज गोंयांत आयलो तेन्ना बेलाक ताणें आपल्या [illegible] हाडली. तांकां बोटीवयल्यान उतरावन घेवन पणजे व्हरपा[illegible] गांवकारबाबान हिरूक धाडिल्लो. हिरू तेन्ना लिसेवाचेर शिकतालो. [illegible] दीस बेला आनी धनराज गांवकारबाबाल्या पणजेच्या घरांत उरलीं. [illegible] चड करून बेलाक, भोंवडावपाचें काम हिरूचेर येवन पडलें. ती ताची [illegible] वळख.

''आनी पयलो मोगय आसतलो न्हय?'' हांवें हिरूक विचारलें.

''ना. तशी बेला सुंदर आसली. भाशेची अडचण आशिल्ल्यान [illegible] मर्दी संवाद जायनाशिल्लो. मनांतले उमाळे तिणें उकतायले नात [illegible] म्हाका सांगचेलें आसलें तें हांव सांगूंक पावलोंना तरी आमची इ[illegible] जुळ्ळी अशें तुज्यान म्हणूं येत. पूण तो मोग नासलो.''

''तुज्या मनांत नासलो तरी तिच्या मनांत आसूं येता.'' हांवें म्हळें.

''तरूण चली तरूण चल्याबरोबर भोंवतना लजेता, संकोचता. ती [illegible] मोगाची काय कितें तें हांव नकळ. खरें म्हळ्यार हांवय लजेतालों. [illegible] संकोच खूब जातालो. पूण सांगातान भोंवतां-भोंवतां संकोच मोडलो.''

''तुमचो संवाद खंयचे भाशेंत जातालो? तिका कोंकणी येताली?''

''ना. ती जल्मल्ली मोसांबिकेक, पूण वाडली मुंबय शारांत. गु[illegible] मोडकी तोडकी हिंदी, इंग्लीश ह्यो भासो ती उलयताली. म्हाका ह्यो [illegible] भासो येनासल्यो. थोडीशी मराठी आनी थोडीशी इंग्लीश वापरून केन्ना[illegible]

रवांनी आमचेभितर संवाद जातालो.''

''तुमकां सांगातान दवरपाफाटलो जाण्टेल्यांचो वेगळो हेतू आसलो काय तें?'' हांवें विचारलें.

''हो तुगेलो दुबाव सामको खरो. सुरवेक म्हाका कांयच खबर नासलें. ा परत वतकच म्हज्या बाबान म्हाका सांगलें, फुडल्या जुनांत हांवें इंग्लीश क्षण घेवचे खातीर मुंबय वचपाचें. धनराजागेर रावपाची वेवस्था केल्या.''

''हांव शिक्षणाविशीं म्हणना. बेलाविशीं म्हणटालों.'' हांवें म्हळें.

''तेंच सांगतां. त्या वेळार बापायन पयले खेपे सुचयलें, धनराज म्हाका वंय करून घेवंक सोदता.''

''आनी तुजी प्रतिक्रिया कितें जाली?'' हांवें विचारलें.

''म्हाका बेलाविशीं ओड आसली. पूण ती म्हजी बायल जावं येता हे रेन केन्नाच हांवें पळोवंक नासलें. हांव मुंबय शिकूंक गेलों तेन्ना धनराजागेर रतालों. म्हजी बडदास्त बरी दवरिल्ली. तरी थंय म्हजो घुस्मटमार तालो.''

''बेला आसतनाय घुस्मटमार?''

हिरू पयलेच खेपे मेकळेपणान हांसलो. ताणें म्हळें, ''घडये बेला आशिल्ली खून म्हजो घुस्मटमार जातालो जावंक जाय. ती मेकळेपणान वागताली री धनराजान तिका कितें सांगिल्लें आसतलें ताची म्हाका कल्पना नासली. रळ तिका ते विशीं विचारपाचें धाडस जायनासलें. हांव तिका टाळटालों नी हांवें पळयलें, ती आपूण जावन म्हजेसरीं चुकून येताली. जेवणाच्या जार वा भायल्या सालांत बशिल्ल्या वेळार तिची म्हजी भेट जाताली तलीच. घरांत हेर लोक आशिल्ले. धनराज केन्ना मोसांबिकेक जाल्यार न्ना मुंबय यो-वच करतालो.''

''कितलीं वर्सां तूं धनराजागेर उरलो?''

''१९५७-५८ वसमिरेन हांव मुंबय उरलों आनी मुंबय आसतना हांव गेरच रावलों. मदीं एक खेप धनराज मुंबय आयिल्लो तेन्ना ताणें म्हाका रळ सुचयिल्लें, आपलें आनी म्हज्या बाबालें उलोवणें जालां. चड शिकून कतें करचें पडलां? आपल्या धंद्यांत हांवें लक्ष घालचें अशे तरेची ती चक भास आसली.''

''तुवें मुंबय सोडचे आदीं लग्नाविशीं कांयच थारायलें ना?''

''एक गजाल सांगपाची उरली. हांव मुंबय येवचे आदींच म्हजो बापूय ायर पडिल्लो. पूण धनराज ताका दिल्लें उतर पाळूंक सोदतालो. खरें ांगतलों म्हळ्यार म्हज्या मनाची तयारी जायनासली. गुजराती वातावरणांत न रमना आसलें. १९५६ वर्सा गोंयची नाकेबंदी जाली आनी म्हाका घरच्यान ावयलो रकाद आयलो. हांवें निमाण्या वर्साची परिक्षा दिल्ली. हांव गोंयांत लों. त्या वेळार धनराज मुंबय नासलो. बोरीबंदर स्टेशनाचेर म्हाका पावोवंक ला आयली. थंय पयलेच खेपे तिणें म्हजे दोनय हात आपल्या हातांत तले आनी म्हळें,''तूं परत केन्ना येतलो?''

हिरून तिका सांगलें, ''पळोवया...''

त्या उतराक तिणें म्हळें, ''तुका जाय तेन्ना यो. हें घर तुजेंच. पूण म्हजेर क उपकार कर. म्हजो बापूय म्हजें तुजेकडेन लग्न करूंक सोदता. तुवें विशीं कितें येवजिलां?''

हिरू गोंदळ्ळो. तोडून घेतल्यार तिचें मन दुखावतलें अशें येवजून ताणें हळें, ''म्हाका कोणें सांगूंकच ना. तरी हांव आईकडेन उलयतां.''

''तशें जाल्यार म्हजेर एक उपकार कर.'' बेलान म्हळें. ''म्हजें एका मेत्राचेर प्रेम आसा. तोय गुजराती. तुका मेळचे आदींच आमची वळख आसली. वें म्हजेकडेन लग्न करूंक न्हयकार दिलो जाल्यार...''

हिरून तिगेले दोनूय हात थापटिले आनी म्हळें, ''तुजें लग्न तुज्या नासारकें जावचें हीच म्हजी इत्सा आसतली.''

''ते उपरांत तिचें लग्न जालें?'' हांवें विचारलें.

''हांव गोंयांत गेलों तो गोंय स्वतंत्र जायसर परत मुंबय पावलोंच ना. पत्रवेव्हारय नासलो. बाबा गेल्ल्याक धनराजाकडचो संपर्क तुटिल्लो. आमच्या घरांत तर सगली उलथापालथ जाली. वांटे जाले आनी म्हज्या वांट्याक पणजेचें घर तितलें आयलें. जीं शेतां आशिल्लीं तीं कुळांक गेलीं. आनी नोकरी केलेबगर धडगत ना अशी परिस्थिती जाली तेन्ना हांव मुंबय आयलों. धनराजागेर उरलों. पूण तेन्ना बेला नासली. घरांत आशिल्ल्यांनी म्हाका रावंक दिलें. पूण 'ही पीडा गेल्यार बरी' अशी वागणूक दिली.''

''बेला नाशिल्ली म्हळ्यार खंय गेल्ली?'' हांवें विचारलें.

''हांवें वासपूस केली. पूण कोणें सारकी जाप दिली ना. तिचें लग्न जालां आनी ती घोवाबरोबर दुसऱ्या शारांत रावंक गेल्या हें कळ्ळें. पूण ल्हवू ल्हवू अशेंय कळ्ळें की घरच्यांचो लग्नाक विरोध आशिल्लो.''

''ती लग्न जाली अशें कळटकच तुज्या मनाची प्रतिक्रिया कितें जाली?''

''खऱ्यांनीच बरें दिसलें. तिचेविशीं म्हज्या मनांतली भावना भावाची भयणीविशीं आसता तशी आसली. आजय आसा.''

''खुबसो उलगडो केलो तुवें.'' हांवें हिरूक म्हळें. ''पूण आतां सांग, तूं लग्न जायनासतना रावपाचें एक कारण बेला न्हय मू?''

''प्रत्यक्ष कारण बेला न्हय. अप्रत्यक्ष आसूं येता. लग्नाचो विचार करता आसतनाच नोकरी गेली. ते आदीं आई गेली. अशीं विघ्नां येत रावलीं आनी लग्न उरलें.''

''पूण नोकरी वचपाक बेला कारण जाली अशें तूं म्हणटालो न्हय?''

''हय. ज्या भ्रश्ट अधिकाऱ्याचेर आमी छापो घालो त्या भ्रश्ट अधिकाऱ्यान म्हाका लांच दिवपाचो यत्न केलो. पूण हांव आयकना हें पळोवन ताणें कितें करचें? सांजच्या वेळार हॉटेलांत आपले बायलेक धाडली. हांव हॉटेलांत उतरिल्लों. खास धाड घालुंकच मुंबयच्यान त्या शारांत गेल्लों.''

''ती बायल बेला काय कितें?''

''हय. ती बेला. तिणें पोरणी वळख सांगली. आपलो पदर म्हज्या पांयाकडेन पातळायलो आनी म्हळें, 'म्हाका भीक घाल...' सिनेमाचे पद्धतींतलो तो प्रसंग आसलो. म्हजें काळीज विरघळ्ळें ना. निमाणें तिणें म्हजेर आरोप केलो. आपूण म्हजेकडेन लग्न जालिना देखून हांवें सूड घेतला अशें तिणें म्हळें. तेन्ना रागाच्या भरांत तिच्या पोल्यार हांवें थापट मारलें.''

''ह्या थापटाखातीर तुका बडतर्फ केलो?''

''ना. पोलो पोशेत, रडत बेला गेली आनी हांवूय बदल्लों. रातीकडेन हांव तागेर गेलों. हांवें तिगेल्या घोवाक सांगलें, तुका बेडी घालून पोलीस कोठडींत व्हरपाचो अधिकार म्हाका आसा. पूण तूं बेलाचो घोव म्हूण तुका सोडटां... कोर्टान ताका निर्दोश सोडलो. पूण पोलीस अधिकारी म्हूण म्हजेर ठपको दवरलो.''

''तुवें पळवाट कसली दाखयली?'' हांवें विचारलें.

''थोडेंशें धन आनी भांगर जप्त जाल्लें. हांवें बेलाक सांगलें, तें आपलें अशें तूं कोर्टाक सांग.''

''तिका तें माफ जालें?''

''माफ जालेंना. टॅक्स भरचो पडलो. पूण तिका जेन्ना वकिलान विचारलें, हें धन तुवें कशें जोडलें, तेन्ना तिणें सांगलें, 'हांव एक सुंदर बायल हें तूं कशें विसरता?''

सांजवेळ देंवताली. हिरूक ताकीत नासली. हांवें ताका विचारलें, ''इतलेच खातीर तूं असो फकीर जावन भोंवता?''

''हांव थारावन फकीर जावंक ना. पूण आतां कांय म्हाका कोंब फुटचेनात. ल्हानपणांतल्या इश्टाचें रीण माथ्यार उरतलें.''

''तें विसर तूं'' अशें म्हणून हांवें ताका थोडे पयशे दिवंक काडले. पूण हिरून ते घेतलेनात.

* * *

जाल्यार हांव नाका म्हणचोंना.''

तागेलो संकोच पळोवन हांवें विचार बदललो आनी ताका घेवन हांव म्हज्या एका इश्टागेर गेलों. इश्टाल्या फ्लॅटाचे एके कुडींत बसून आमी थंडसाणेन खबरो केल्यो आनी एका एका प्रसंगांतल्यान हिरूची कर्मकाणी म्हज्या दोळ्यांमुखार उबी रावली.

''तुका फ्लॅट कसो सोडचो पडलो तें कळ्ळें. पूण तुका नोकरी कित्याक सोडची पडली तें तुवें सांगलेंना.'' हांवें म्हळें.

''हांवें एक मोठी चूक केली. पक्षपात केलो. तेन्ना हांव गुप्तहेर विभागांत आसलों. एका अधिकाऱ्याक लांच घेता आसतना धरिल्लो आनी तागेली इस्टेट आमी जप्त केल्ली. पूण खाशेले परिस्थितीक लागून हांवें त्या अधिकाऱ्याक सुटपाची वाट दाखयली. ताचे आड आशिल्ले पुरावे दुबळे दवरले... तो त्या वेळार सुटलो. पूण म्हजेआड कागाळ जाली आनी म्हाका डिसमीस केलो.'' एकदम सादेपणान हिरून सांगलें.

''पूण जाका तुवें सांबाळ्ळो ताणें तुका कसलोच आदार दिलोना?''

''तो आनी ताची बायल म्हाका लाखांनी रुपया दिवंक तयार आसलीं. अजूनय तागेर गेलों जाल्यार म्हजें भाग्य बदलतलें हें जाणां. पूण म्हजे नितींत तें बसना.'' हिरून म्हळें.

म्हाका अजाप जालें. भ्रश्टाचाराचो मार्ग आपणायिल्लो हो आदलो पोलीस अधिकारी नितिची भास उलयतालो. पूण ताका सरळ कांय विचारलेंना.

''तुजे बायलेविशीं सांगूंक तूं कित्याक अनमनता?'' हांवें विचारलें.

''अनमनतां? बायलच ना जाल्यार तिचेविशीं कितें सांगूं?''

''म्हळ्यार, तूं लग्नच जालो ना?''

''ना.''

''पूण काल लग्नाचो विशय काडलो तेन्ना ते विशीं विचारूं नाका अशें तुवें कित्याक म्हळें?''

''म्हजें लग्न थरिल्लें... बापायन थारायिल्लें. म्हजी पसंती कोणें विचारलिना. पूण हांवें जावन तें मोडलेंय ना...''

''अशी कुवाड्याची भास कित्याक उलयता? नोकरी कशी गेली तेंय तुवें सांगलेंना. नोकरी करतना जोडिल्ल्या पयशांचें कितें जालें?''

''तशे पयशे जोडपाचे आशिल्ले जाल्यार लाखांनी जोडूं येताले. पूण हांवें केन्ना लांच घेतलिना आनी लांच घेतल्याची दया केली ना.''

''पूण एका भ्रश्ट अधिकाऱ्याक आदार दिलो अशें तूंच सांगतालो...''

''ती म्हजी लाचारी आसली. आनी ते लाचारींतल्यानच हांव एक कायद्याभायलें अनितीक कर्तुप करून बसलों. ते खातीरच म्हजी नोकरी गेली. फट उलयिल्लों जाल्यार नोकरी वचची नासली. पूण नोकरेर उदक सोडपाचें थारावन हांवें खरें तें सांगलें.'' ताणें म्हळें.

''म्हाका कांयच बोध जायना. तुजी लाचारी कसली? भ्रश्ट अधिकाऱ्याक आदार दिवचे खातीर नोकरी सोडली? कोण तो अधिकारी? मित्र? सोयरो? काय ताणें तुका विकतो घेतलो?''

''हिरूक विकतो घेवपी अजून जल्मूंक ना.'' एकदम उबो रावन छातयेर हात मारून हिरून म्हाका सांगलें.

हांवें ताच्या हाताक धरून ताका बसयलो आनी म्हळें, ''हांव तुजेर आरोप करिना. पूण तूं कितें तरी लिपयता अशें म्हाका दिसता.''

''त्या अधिकाऱ्यान म्हाका पयशे दिवंक केल्ले. हांवें ते घेतले नात. पूण ताची बायल म्हाका मेळूंक आयिल्ली...'' एकदम हिरून जीब चाबली आनी म्हळें, ''उपकार करून तूं म्हाका असले प्रस्न विचारूं नाका. म्हाका कांयच सांगचेलें ना आनी सांगून फायदोय कांय ना. तूं म्हजें चरित्र बरोवंक सोदता काय कितें?''

''जमल्यार चरित्रय बरयन. पूण तूं लिपयता कित्याक? ताचे बायलेक तूं मेळ्ळो आनी विश्वामित्राचो मेनकेन केलो तसो तिणें तुजो तपोभंग केलो?''

''तुका एक सांगतां. हांव अखंड ब्रह्मचारी. बायलांकडेन म्हजो संबंद येवंक ना. पूण म्हजी लाचारी वेगळी आसली. तुका जाय हांव सांगतां...''

''सांग.'' हांवें म्हळें. ''तुजी ही आवतिकाय पळोवन म्हाका ख वायट दिसता. तुका शिक्षण आसा. तुज्यांत गूण आसात. पोलीस खा नोकरी गेली म्हणून संवसार बुडलोना. तुका दुसरी मेळूं येताली.''

''नोकरी मेळूं येताली आनी मनांत हाडिल्लें जाल्यार घरा बसून येतालें. पूण हांवें तें केलेंना. दुसऱ्या गांवांत वचून रावं येतालें. सु दिसांनी तसो यत्न केलो. खंयूय गेल्लों जाल्यार दुसऱ्याक फटोवप आसलें. म्हज्या मनाक करो फटयतलों आसलों? म्हजो अध:पात हें म्हाका कळटालें आनी एके भाशेन प्रायश्चित्त घेवपाखातीर हांव फकीर जालों. फाटलो फुडलो कोण ना. आई मरत सावन मायेचो उरूंक नासलो. देखून अशे तरेन भोंवप म्हाका उपकारतालें.

''अध:पात कसलो म्हणटा?''

''तूं समजता तसलो न्हय. हांवें कोणाचो गैरफायदो घेतलो ना. मनशाचो तर निखालरा ना. सदां उजू मार्गान चल्लों. फट केन्ना उलयलो पूण त्या भ्रश्ट अधिकाऱ्याक सांबाळून घेवचो पडलो. हांवें ताका सां घेतलो हो म्हजो अध:पात.''

''पूण लाचारी कसली?''

''लाचारी... लाचारी बेलाची.''

''बेला?'' अजापून हांवें विचारलें.

एकदम तो खर्शेलो आनी ताणें म्हळें, ''तिचो विचार करून हांवें प बदललो... आनी पळवाटय ताका दाखोवन दिली.''

धनराज एक गुजराती वेपारी. गोंयांत ताचें ल्हानशें दुकान आसलें. हि बापायकडेन धनराजाची खूब इश्टागत आसली. गांवकारबाब स अधिकारी आशिल्ल्यान आपलें वजन वापरून तो धनराजालीं कामां कर फुडें धनराजान गांवकारबाबाच्या आदारानच आफ्रिकेंतले पुतुगिज वस मोजांबिकेक पेढी घाली आनी ताचें भाग्य फळफळ्ळें. ताणें गोंय स तरी गांवकारबाबाची इश्टागत सोडली ना. वर्सांतल्यान एक दोन खे गोंयांत येतालो आनी गांवकारबाबागेरच रावतालो.

बेला धनराजाची चली.

एक खेपे धनराज गोंयांत आयलो तेन्ना बेलाक ताणें आपल्या हाडली. तांकां बोटीवयल्यान उतरावन घेवन पणजे व्हरपा गांवकारबाबान हिरूक धाडिल्लो. हिरू तेन्ना लिसेवाचेर शिकतालो. दीस बेला आनी धनराज गांवकारबाबाल्या पणजेच्या घरांत उरलीं. चड करून बेलाक, भोंवडावपाचें काम हिरूचेर येवन पडलें. ती ताची वळख.

''आनी पयलो मोगय आसतलो न्हय?'' हांवें हिरूक विचारलें.

''ना. तशी बेला सुंदर आसली. भाशेची अडचण आशिल्ल्यान मर्दी संवाद जायनाशिल्लो. मनांतले उमाळे तिणें उकतायले नात म्हाका सांगचेलें आसलें तें हांव सांगूंक पावलोंना तरी आमची इ जुळ्ळी अशें तुज्यान म्हणूं येत. पूण तो मोग नासलो.''

''तुज्या मनांत नासलो तरी तिच्या मनांत आसूं येता.'' हांवें म्हळें

''तरूण चली तरूण चल्याबरोबर भोंवतना लजेता, संकोचता. ती मोगाची काय कितें तें हांव नकळ. खरें म्हळ्यार हांवय लजेतालों. संकोच खूब जातालो. पूण सांगातान भोंवतां-भोंवतां संकोच मोडलो.'

''तुमचो संवाद खंयचे भाशेंत जातालो? तिका कोंकणी येताली?

''ना. ती जल्मल्ली मोसांबिकेक, पूण वाडली मुंबय शारांत. गुज मोडकी तोडकी हिंदी, इंग्लीश ह्यो भासो ती उलयताली. म्हाका ह्यो भासो येनासल्यो. थोडीशी मराठी आनी थोडीशी इंग्लीश वापरून केन्ना

रवांनी आमचेभितर संवाद जातालो.''

''तुमकां सांगातान दवरपाफाटलो जाण्टेल्यांचो वेगळो हेतू आसलो काय तें?'' हांवें विचारलें.

''हो तुगेलो दुबाव सामको खरो. सुरवेक म्हाका कांयच खबर नासलें. ना परत वतकच म्हज्या बाबान म्हाका सांगलें, फुडल्या जुनांत हांवें इंग्लीश क्षण घेवचे खातीर मुंबय वचपाचें. धनराजागेर रावपाची वेवस्था केल्या.''

''हांव शिक्षणाविशीं म्हणना. बेलाविशीं म्हणटालों.'' हांवें म्हळें.

''तेंच सांगतां. त्या वेळार बापायन पयले खेपे सुचयलें, धनराज म्हाका वंय करून घेवंक सोदता.''

''आनी तुजी प्रतिक्रिया कितें जाली?'' हांवें विचारलें.

''म्हाका बेलाविशीं ओड आसली. पूण ती म्हजी बायल जावं येता हे रेन केन्नाच हांवें पळोवंक नासलें. हांव मुंबय शिकूंक गेलों तेन्ना धनराजागेर रतालों. म्हजी बडदास्त बरी दवरिल्ली. तरी थंय म्हजो घुस्मटमार तालो.''

''बेला आसतनाय घुस्मटमार?''

हिरू पयलेच खेपे मेकळेपणान हांसलो. ताणें म्हळें, ''घडये बेला आशिल्ली खून म्हजो घुस्मटमार जातालो जावंक जाय. ती मेकळेपणान वागताली री धनराजान तिका कितें सांगिल्लें आसतलें ताची म्हाका कल्पना नासली. रळ तिका ते विशीं विचारपाचें धाडस जायनासलें. हांव तिका टाळटालों नी हांवें पळयलें, ती आपूण जावन म्हजेसरीं चुकून येताली. जेवणाच्या जार वा भायल्या सालांत बशिल्ल्या वेळार तिची म्हजी भेट जाताली तलीच. घरांत हेर लोक आशिल्ले. धनराज केन्ना मोसांबिकेक जाल्यार न्ना मुंबय यो-वच करतालो.''

''कितलीं वर्सां तूं धनराजागेर उरलो?''

''१९५७-५८ वसमिरेन हांव मुंबय उरलों आनी मुंबय आसतना हांव गेरच रावलों. मदीं एक खेप धनराज मुंबय आयिल्लो तेन्ना ताणें म्हाका रळ सुचयिल्लें, आपलें आनी म्हज्या बाबालें उलोवणें जालां. चड शिकून कतें करचें पडलां? आपल्या धंद्यांत हांवें लक्ष घालचें अशे तरेची ती चक भास आसली.''

''तुवें मुंबय सोडचे आदीं लग्नाविशीं कांयच थारायलें ना?''

''एक गजाल सांगपाची उरली. हांव मुंबय येवचे आदींच म्हजो बापूय ायर पडिल्लो. पूण धनराज ताका दिल्लें उतर पाळूंक सोदतालो. खरें ांगतलों म्हळ्यार म्हज्या मनाची तयारी जायनासली. गुजराती वातावरणांत न रमना आसलें. १९५६ वर्सा गोंयची नाकेबंदी जाली आनी म्हाका घरच्यान ावयलो रकाद आयलो. हांवें निमाण्या वर्साची परिक्षा दिल्ली. हांव गोंयांत लों. त्या वेळार धनराज मुंबय नासलो. बोरीबंदर स्टेशनाचेर म्हाका पावोवंक ला आयली. थंय पयलेच खेपे तिणें म्हजे दोनय हात आपल्या हातांत तले आनी म्हळें,''तूं परत केन्ना येतलो?''

हिरून तिका सांगलें, ''पळोवया...''

त्या उतराक तिणें म्हळें, ''तुका जाय तेन्ना यो. हें घर तुजेंच. पूण म्हजेर क उपकार कर. म्हजो बापूय म्हजें तुजेकडेन लग्न करूंक सोदता. तुवें विशीं कितें येवजिलां?''

हिरू गोंदळ्ळो. तोडून घेतल्यार तिचें मन दुखावतलें अशें येवजून ताणें हळें, ''म्हाका कोणें सांगूंकच ना. तरी हांव आईकडेन उलयतां.''

''तशें जाल्यार म्हजेर एक उपकार कर.'' बेलान म्हळें. ''म्हजें एका मेत्राचेर प्रेम आसा. तोय गुजराती. तुका मेळचे आदींच आमची वळख आसली. तुवें म्हजेकडेन लग्न करूंक न्हयकार दिलो जाल्यार...''

हिरून तिगेले दोनूय हात थापटिले आनी म्हळें, ''तुजें लग्न तुज्या मनासारकें जावचें हीच म्हजी इत्सा आसतली.''

''ते उपरांत तिचें लग्न जालें?'' हांवें विचारलें.

''हांव गोंयांत गेलों तो गोंय स्वतंत्र जायसर परत मुंबय पावलोंच ना. पत्रवेव्हारय नासलो. बाबा गेल्ल्याक धनराजाकडचो संपर्क तुटिल्लो. आमच्या घरांत तर सगली उलथापालथ जाली. वांटे जाले आनी म्हज्या वांट्याक पणजेचें घर तितलें आयलें. जीं शेतां आशिल्लीं तीं कुळांक गेलीं. आनी नोकरी केलेबगर धडगत ना अशी परिस्थिती जाली तेन्ना हांव मुंबय आयलों. धनराजागेर उरलों. पूण तेन्ना बेला नासली. घरांत आशिल्ल्यांनी म्हाका रावंक दिलें. पूण 'ही पीडा गेल्यार बरी' अशी वागणूक दिली.''

''बेला नाशिल्ली म्हळ्यार खंय गेल्ली?'' हांवें विचारलें.

''हांवें वासपूस केली. पूण कोणें सारकी जाप दिली ना. तिचें लग्न जालां आनी ती घोवाबरोबर दुसऱ्या शारांत रावंक गेल्या हें कळ्ळें. पूण ल्हवू ल्हवू अशेंय कळ्ळें की घरच्यांचो लग्नाक विरोध आशिल्लो.''

''ती लग्न जाली अशें कळटकच तुज्या मनाची प्रतिक्रिया कितें जाली?''

''खऱ्यांनीच बरें दिसलें. तिचेविशीं म्हज्या मनांतली भावना भावाची भयणीविशीं आसता तशी आसली. आजय आसा.''

''खुबसो उलगडो केलो तुवें.'' हांवें हिरूक म्हळें. ''पूण आतां सांग, तूं लग्न जायनासतना रावपाचें एक कारण बेला न्हय मू?''

''प्रत्यक्ष कारण बेला न्हय. अप्रत्यक्ष आसूं येता. लग्नाचो विचार करता आसतनाच नोकरी गेली. ते आदीं आई गेली. अशीं विघ्नां येत रावलीं आनी लग्न उरलें.''

''पूण नोकरी वचपाक बेला कारण जाली अशें तूं म्हणटालो न्हय?''

''हय. ज्या भ्रश्ट अधिकाऱ्याचेर आमी छापो घालो त्या भ्रश्ट अधिकाऱ्यान म्हाका लांच दिवपाचो यत्न केलो. पूण हांव आयकना हें पळोवन ताणें कितें करचें? सांजच्या वेळार हॉटेलांत आपले बायलेक धाडली. हांव हॉटेलांत उतरिल्लों. खास धाड घालुंकच मुंबयच्यान त्या शारांत गेल्लों.''

''ती बायल बेला काय कितें?''

''हय. ती बेला. तिणें पोरणी वळख सांगली. आपलो पदर म्हज्या पांयाकडेन पातळायलो आनी म्हळें, 'म्हाका भीक घाल...' सिनेमाचे पद्धतींतलो तो प्रसंग आसलो. म्हजें काळीज विरघळ्ळें ना. निमाणें तिणें म्हजेर आरोप केलो. आपूण म्हजेकडेन लग्न जालिना देखून हांवें सूड घेतला अशें तिणें म्हळें. तेन्ना रागाच्या भरांत तिच्या पोल्यार हांवें थापट मारलें.''

''ह्या थापटाखातीर तुका बडतर्फ केलो?''

''ना. पोलो पोशेत, रडत बेला गेली आनी हांवूय बदल्लों. रातीकडेन हांव तांगेर गेलों. हांवें तिगेल्या घोवाक सांगलें, तुका बेडी घालून पोलीस कोठडींत व्हरपाचो अधिकार म्हाका आसा. पूण तूं बेलाचो घोव म्हूण तुका सोडटां... कोर्टान ताका निर्दोश सोडलो. पूण पोलीस अधिकारी म्हूण म्हजेर ठपको दवरलो.''

''तुवें पळवाट कसली दाखयली?'' हांवें विचारलें.

''थोडेंशें धन आनी भांगर जप्त जाल्लें. हांवें बेलाक सांगलें, तें आपलें अशें तूं कोर्टाक सांग.''

''तिका तें माफ जालें?''

''माफ जालेंना. टॅक्स भरचो पडलो. पूण तिका जेन्ना वकिलान विचारलें, हें धन तुवें कशें जोडलें, तेन्ना तिणें सांगलें, 'हांव एक सुंदर बायल हें तूं कशें विसरता?''

सांजवेळ देंवताली. हिरूक ताकीत नासली. हांवें ताका विचारलें, ''इतलेच खातीर तूं असो फकीर जावन भोंवता?''

''हांव थारावन फकीर जावंक ना. पूण आतां कांय म्हाका कोंब फुटचेनात. ल्हानपणांतल्या इश्टाचें रीण माथ्यार उरतलें.''

''तें विसर तूं'' अशें म्हणून हांवें ताका थोडे पयशे दिवंक काडले. पूण हिरून ते घेतलेनात.

* * *

डायग्लॉसिया

(पयली खिरस्त)

माधवी सरदेसाय

१९५९ वर्सा चार्ल्ज फर्गुजन हांगेलो 'डायग्लॉसिया' हो सोद-निबंद उजवाडा आयलो आनी एके 'विचित्र' भाशीक परिस्थितिचेर संवसाराचें लक्ष गेलें.[1] फर्गुजनाचो अभ्यास अरबी, ग्रीक, स्विस-जर्मन आनी हायशियन क्रियोल ह्या चार भाशीक समाजांतले भाशीक परिस्थितिचेर आधारिल्लो आशिल्लो. लोकांचे जिबेर घोळपी भाशेच्या तरेकवार सभावीक बोलयांचेर लोकांचे जिबेर घोळच नाशिल्ले एके आदले वा 'भायले' बोलयेचो शेक चलता; भाशीक समाज सभावीक बोलयांक 'उणाक' – 'सकयल्यो' बोलयो लेखता आनी असभावीक बोलयेक 'ऊंच' मानून माथ्यार बसयता, असली ही विचित्र परिस्थिती म्हळ्यार डायग्लॉसिया. अरबी भाशीक समाजांत आदले, अभिजात (क्लासिकल) अरबी बोलयेक 'ऊंच' लेखतात. ग्रीक भाशीक समाजांतूय अशीच एके आदले ग्रीक बोलयेन ही सुवात जोडल्या. जाल्यार, स्विस-जर्मन आनी हायशियन क्रियोल भाशीक समाजां भितर 'भायल्या' प्रमाण जर्मन आनी प्रमाण फ्रेंच बोलयांनी म्हत्व जोडलां. ह्या सगळ्या समाजां भितर जित्यो जिव्यो, जिबेर घोळपी थळाव्यो बोलयो सकयल्या पांवड्याच्यो बोलयो जावन खालतेपणान जियेतात.

फर्गुजन डायग्लॉसियेचीं खाशेलपणां दितात —

१. वापराच्या मळांची वांटणी

डायग्लॉसीक परिस्थितींत 'वयली' बोली आनी 'सकयल्या' बोलयां भितर कामाची वांटणी जाल्ली आसता. भाशेच्या वापराचीं कांय मळां 'वयले' बोलयेखातीर तर कांय 'सकयल्या' बोलयां खातीर नेमून दिल्लीं आसतात. देखीक, इगर्जेंतलीं वा मशिदींतलीं प्रवचनां, सभे माजार केल्लीं उलोवपां, रेडियो, टी.वी. वयलीं बातमी-पत्रां, उलोवपां हांतूंत फकत 'वयले' बोलयेकूच रीग मेळटा. घरांत वा भायर, अनुपचारीक खबरांनी सकयल्यो बोलयो घोळटात. 'प्रतिशठीत' साहित्याच्या मळार चडशी 'वयली' बोलीच दिश्टी पडटा. खाजगी पत्रां लेगीत 'वयले' बोलयेंत बरयतात. लोकसाहित्य मात 'सकयल्या' बोलयांनी मेळटा. रेडियो वयल्या नाटकुल्यांनीय 'सकयल्या' बोलयांचो वापर जाता. खबरापत्रांतल्यो खबरो, संपादकीय लेख 'वयले' बोलयेंत आसतात आनी कार्टुनांचीं कॅप्शनां 'सकयल्या' बोलयांनी दितात. शिक्षणाच्या मळार माध्यम म्हूण वयली बोलीच मिरयता. फर्गुजन सांगतात, कांय अरब राष्ट्रांनी माध्यमीक शाळांनी शिकयतना 'सकयल्या' बोलयांचो वापर करपाचेर कायद्यान बंदी आसतनाय शिकयल्लें सारकें समजावन सांगपा खातीर शिकोवप्याक 'सकयल्या' बोलयांचोच आधार घेवचो पडटा.

ह्या, भाशेच्या बोलयांच्या 'वापराच्या योग्य व्याकरणा'क डायग्लॉसीक समाजां भितर खूब म्हत्व आसता. फर्गुजन बरयतात, कोणूय भायलो खंयचीय एक 'सकयली' बोली सामको बरे तरेन शिकता आनी तिचोच उपचारीक उलोवप करतना वापर करता तेन्ना ताचें हाशेंच जाता. हेच भाशेन, कोणूय 'भितल्लो' – भाशीक समाजाचोच एक वांगडी – साद्य[...] अनुपचारीक खबरांनी वा अनुपचारीक प्रसंगार – देखीक, बाजारांत खरे[...] करतना 'वयले' बोलयेचो वापर करता तेन्ना ताचेंय हाशेंच जाता.

२. प्रतिश्ठा

डायग्लॉसीक भाशीक समाजाचे नदरेन 'वयले' बोलयेकूच प्रतिश्ठा आसता[...] इतलेंच न्हय, जायते फावटीं उलोवप्यांचे नदरेन फकत 'वयले' बोलयेकूच[...] अस्तित्व आसता, सकयल्या बोलयांक अस्तित्व लेगीत आसना. फर्गुजना[...] दिल्ल्योच ह्यो देखी पळेयात – एक अरबी भाशीक दुसऱ्या खंयच्या[...] अरबी भाशिकाक 'अरबीच येना' म्हणटा तेन्ना ताचो अर्थ, ताका 'वयली[...] बोली येना असो आसता. हेच भाशेन, शिकिल्लो सवरिल्लो हायशियन[...] क्रियोल भाशीक आपणाक फ्रेंच भाशिकूच लेखता; आपूण सदां फ्रेंचूच[...] उलयता अशें तो मानता. 'वयली' बोली सारकी उलोवंक लेगीत नकळ[...] आशिल्ले तिका 'सकयल्या' बोलयां परस अदीक सुंदर, म्हत्वाचे विचा[...] मांडपाक अदीक योग्य बी मानतात. 'वयले' बोलयेंतलीं उलोवपां[...] काव्य-गायनां बी सारकीं समजनासतनाय आयकुपाक तांकां आवडटा.

फर्गुजन म्हणटात, केन्ना केन्ना धर्मीक कारणांक लागुनूय 'वयल्या' बोलयां[...] ही प्रतिश्ठा आयिल्ली आसता. ते अरबी भाशेची देख दितात. कुरा[...] कोणें मनशान बरोवंक ना, देवान जें कितें सांगलां तेंच तांतूंत आसा[...] कुराणाची भास तीच देवाची भास असो मुसलमान मनशाचो भावार्थ. हाक[...] लागून कुराणांतले अरबी बोलये कडेन अरबी समाज पूज्य भावान पळेता[...] कुराणांतली अरबी सगळ्या अरबी बोलयां भितर 'वयली' बोली जाता.

ग्रीक समाजांतूय मात मात अशेंच घडलां अशें म्हणूं येता. बायबलाचे[...] नवो करार 'कातारेवुसा' बोलयेंतूच पळोवपाची ग्रीक लोकांक इतली संवय[...] जाल्ली की १९०३ वर्सा नव्या कराराचो 'दिमोतिकी' ग्रीक बोलयेंतल[...] 'अणकार' उजवाडा आयलो तेन्ना ग्रिसांत खंय दंगे जाले.[2] हायशियन[...] क्रियोल भाशीक समाजांतूय लोकांक अशीच प्रमाण फ्रेंच भाशेंतलेंच बायब[...] पळोवपाची संवय जाल्या.

३. साहित्यीक दायज

'वयले' बोलये कडेन लिखीत साहित्याचें गडगंज दायज आसता. समकाली[...] साहित्याचेरूय ह्या दायजाचो धेंक चलता. 'वयले' बोलयेंतल्या ज[...] साहित्याकडेन भाशीक समाज आदरान पळेता, तें एक तर आदल्या काळां[...] निर्माण जाल्लें साहित्य आसता वा डायग्लॉसीक भाशीक समाजा भाय[...] निर्माण जावपी समकालीन साहित्य आसता. अरबी आनी ग्रीक भाशी[...] समाजां भितर साहित्यीक मळार आदल्या काळा वयल्या साहित्याची सत्त[...] चलता जाल्यार स्विस-जर्मन आनी हायशियन क्रियोल भाशीक समाजां[...]

ायल्या', अनुक्रमान, प्रमाण जर्मन बोलयेंत आनी प्रमाण फ्रेंच बोलयेंत
िर्माण जावपी साहित्याचो शेक चलता. आदल्या काळा वयल्या साहित्याचो
क मानून घेतिल्ल्या भाशीक समाजांतले साहित्यकार जायते फावटीं
रण्या साहित्यांतल्यान पोरणीं, काळा भायर जाल्लीं उतरां वा वाक्प्रचार
स्तून काडून आपणाल्या बरपांत तांचो वापर करतात वा पोरण्यो वाक्य
चनाय आपणायतात. वाचतल्यांक असलें बरप सोंपेपणान – कोश उकते
ले बगर वा कोणा जाणकाराक विचारले बगर समजना. तरी ते ताका
रें' आनी 'खरेलें' साहित्य म्हूण तोखेतात.

. भास शिकपाची तरा

ायग्लॉसीक समाजांत घरगुती वाटारांत 'संकयल्यो' बोलयोच घोळटात.
ावय-बापूय भुरग्यां कडेन आनी भुरगीं आवय-बापाय कडेन ह्याच बोलयांनी
लयतात. देखून, ह्यो बोलयोच भुरगीं घरगुती वातावरणांतल्यान 'आपले
ापूण' शिकिल्लीं आसतात, आवय-भास शिकचीं तशीं. त्यो तांकां 'मुद्दाम
िकयले बगर' **आयिल्ल्यो** आसतात. 'वयली' बोली अर्दी मदीं तांच्या
ानार पडटाच. पूण ती तांकां मुद्दाम शिकयले बगर कशीच येना. 'सकयल्या'
ोलयांचेर प्रभुत्व जोडिल्लीं भुरगींच उपरान्त उपचारीकपणान 'वयली'
ोली शिकतात. दुसरी खंयचीय भास शिकची, तशीं. 'सकयल्या' बोलयांचें
ाकरण तांणी भाशेच्या प्रयोगांतल्यानूच आत्मसात केल्लें आसता; तें
ांकां कोणें शिकयल्लें नासता. 'वयले' बोलयेचें व्याकरण मात, जायते
ावटीं, तीं नेम 'पाठ करून' शिकयतात.

. प्रमाणिकरण

यले' बोलयेक व्याकरणीक अभ्यासाचेंय दायज आसता. ती कशी उलोवची,
शी बरोवची, खंयच्या प्रसंगार तिची खंयची शैली उपकारावची हाचे
गळ्याचे नेम घालून दिल्ले आसतात. हे बोलयेचीं व्याकरणां बरयल्लीं
ासतात, तिचे कोश तयार जाल्ले आसतात. सगळ्या आंगांनी तिचें
माणिकरण जाल्लें आसता. वेगळेपणाक तिचे भितर भोव थोडो वाव
ासता. हाचे उरफाटें, 'सकयल्या' बोलयां भितर वेगळेपणाक खूब वाव
ासता. तांचे बरपाचे नेम सारके थरिल्ले आसनात. उच्चारण, व्याकरण,
तरावळ – खंयच्याच आंगान तिचें प्रमाणिकरण जाल्लें आसना. तांचीं
रयल्लीं व्याकरणांय चडशीं आसनात. आसलींच जाल्यार तीं चडशीं
ायल्या जाणकारांनी, भायल्या भासांनी बरयल्लीं आसतात.

डायग्लॉसीक भाशीक-समाज ल्हान आसता. आनी ताचें संपर्काचें एक
ुखेल केन्द्र आसता तेन्ना हेर वाटारांतले लोक ह्या केन्द्रांतले बोलयेचें
अनुकरण करूंक लागतात आनी अशे तरेन भाशेचें सभावीक प्रमाणूय
आकार घेवंक लागता. केन्द्रांतली बोली पुराय भाशीक समाजाची मुखेल
बोली जाता. अथॅन्सांतली शिक्षीत वर्गाची बोली – दिमोतिकी अशी ग्रीक
भाशेची सभावीक प्रमाण बोली जाल्या. पूण तरी 'वयले' कातारेवुसाची
समाजांतली सुवात ती हालोवंक पावूंक ना. दिमोतिकी फकत 'सकयल्या'
बोलयां मदली मुखेल बोली जाल्या. तिच्या वापराचो विस्तार जावंक ना.

डायग्लॉसीक समाज व्हडलो आसता आनी खंयचोय एक वाटार ताचें
संपर्काचें केन्द्र आसना, तेन्ना भाशेचीं कितलिंशीं थळावीं सभावीक प्रमाणां
तयार सरूं येतात. अरबी भाशेचे बाबतींत अशें घडलां. देखीक, कायरो
शारांतली अरबी इजिप्तांतल्या अरबी बोलयां मदली प्रमाण बोली जाल्या.
हेर वाटारांतले इजिप्तांतले अरब 'वयले' अरबी बोलये वांगडा कायरोंतली
अरबीय शिकतात. पूण ही अरबी ते फकत उलोवपा खातीर वापरतात.

६. थिराय

शेंकड्यांनी वर्सां समाजांत डायग्लॉसीक परिस्थिती उरूं येता. फर्गुजन
म्हणटात, कांय समाजां भितर डायग्लॉसियेन हजार वर्सांय हुपल्यांत म्हणपाचें
दाखोवन दिवं येता. जायते फावटीं डायग्लॉसियेक लागून आयिल्ले संपर्काचे
ताण सदळ करपाच्यो भाशीक माण्ण्योय समाज आपशींच सोडून काडटात.
डायग्लॉसीक समाजांत वापराच्या मळार भाशेचीं तात्पुरतीं 'मदलीं' रुपां
जल्माक येतात. अरबी भाशेचे बाबतींत अशें घडलां. उतरावळिच्या आंगान
चडशें अभिजात अरबीक लागीं आनी व्याकरणाच्या आंगान चडशें जिबे
वयले अरबीक लागीं. हे तरेचें अरबी भाशेचें एक 'काम चलाऊ' रूप
लोकांचे जिबेर घोळिल्लें पळोवंक मेळटा. ग्रीक भाशीक समाजांतूय अशीच
एक मिश्र भास खबरांपत्रांच्या मळार घोळिल्ली दिसता.

७. व्याकरण

'वयली' बोली आनी 'सकयल्यो' बोलयो हांचे भितर व्याकरणी बांदावळिचीं
खूब वेगळेपणां आसतात. देखीक, अभिजात अरबी भाशेंत तीन विभक्ती
मेळटात आनी त्यो नामां फाटल्यान लागपी कुसांतल्यान उकल्यो जातात;
जिबेवेल्या अरबी बोलयांनी विभक्तिचे हे भेदूच नात. फ्रेंच भाशेंत नामांक
लिंग आनी वचन लागता जाल्यार हायशियन क्रियोलींत नामांक हे दोनूय
भेद लागनात. असले तरेच्यो बारिकसाणी हिसपांत घेवन फर्गुजन म्हणटात,
'वयले' बोलयेच्या व्याकरणा परस 'सकयल्या' बोलयांचीं व्याकरणां सोंपीय
आसतात अशें आमच्यांनी म्हणूं येता. अरबी, ग्रीक आनी हायशियन क्रियोल
ह्या भासां संबंदान तरी अशें दुबावा विरयत म्हणूं येता म्हणपाचें ते दाखोवन
दितात.

८. उतरावळ

'वयली' बोली आनी 'सकयल्यो' बोलयो हांचे भितर समान उतरावळ
खूब आसता. जांकां 'सकयल्या' बोलयांनी समानअर्थी उतरां मेळनात
अशीं फकत 'वयले' बोलयेंत मेळपी कितलिंशीं उतरांय वेगळीं काडूं येतात.
तशीं, जांकां 'वयले' बोलयेंत समानअर्थी उतरां मेळनात अशीं फकत
'सकयल्या' बोलयांनी मेळपी कितलिंशीं उतरांय पेल्यान काडूं येतात.
उतरावळिचें हें वेगळेपण भाशेच्या वापराच्या मर्यादांक लागून आयिल्लें
वेगळेपण. तांतूंत व्हडलेंशें अजाप ना. पूण डायग्लॉसियेंत उतरांवळिच्या
मळार आमकां वेगळीच एक गजाल पळोवंक मेळटा. 'वयले' बोलयेंतलीं
उतरां आनी 'सकयल्या' बोलयांतलीं उतरां अश्यो कितल्योश्यो समानअर्थी
उतरांच्यो जोडयो आमच्यांनी लावं येतात. देखीक, अभिजात अरबींत
''पळे'' म्हळ्यार **ra'ā** आनी हेर अरबी बोलयांनी ''पळे'' म्हळ्यार **Šāf.**
कातारेवुसा ग्रीक बोलयेंत ''वायन'' म्हळ्यार **ínos** आनी दिमोतिकींत
''वायन'' म्हळ्यार **krasi.** अनुपचारीक वापरांत **ra'ā** आनी **ínos** केन्ना
येना आनी उपचारीक वापरांत **šāf** आनी **krasi** केन्ना येना. देखीक,
हॉटेलांतल्या मेनू कार्डार **ínos** बरयल्लें आसता आनी वेटराकडेन ऑर्डर
दितना मात गिरायक **krasi** म्हणटा. अशे तरेन उतरांच्या वापरावेल्यानूच
बोलयेच्या वापराचो अदमास लावं येता.

९. नादांची बांदावळ आनी वेवस्ता

'वयली' बोली आनी 'सकयल्यो' बोलयो – दोनूय बोलयांच्या मुळाक
नादांची एकूच बांदावळ पळोवंक मेळटा. 'सकयले' बोलयेची नादवेवस्ता
मुळावी आसता. जायते फावटीं 'वयले' बोलयेचीं कांय स्वनिमां 'सकयल्या'
बोलयांनी नासतात. असल्या वेळार तांची सुवात 'सकयल्या' बोलयांतलीं
स्वनिमां घेतात.

डायग्लॉसियेच्या ह्या सगळ्या खाशेलपणांचेर उजवाड घालून जातकच
फर्गुजन हे भाशीक परिस्थिती संबंदान उप्रासपी तीन प्रस्नांक जापो दिवपाचो

यत्न करतात – १) भाशेची प्रमाण बोली आनी तिच्यो हेर प्रमाणेतर थळाव्यो बोलयो – ही संवकळिची भाशीक परिस्थिती आनी डायग्लॉसीक परिस्थिती हांचे भितर वेगळेपण कितें? २) थळाचे, काळाचे तशे भाशे-कुळांच्या आंवाटाचेय नदरेन डायग्लॉसीक परिस्थितिची व्याप्ती कितलिशी? आनी ३) डायग्लॉसिया कशी जल्मा येता आनी डायग्लॉसियेंतल्यान दुसरे खंयचे भाशीक परिस्थितीक वाट मेळूं येता?

ह्या प्रस्नांच्यो तांणी दिल्ल्यो जापो–

१) डायग्लॉसीक समाजांतली 'वयली' बोली त्या भाशीक समाजांतल्या खंयच्याच पंगडाची वा म्हणुंया, पोट-समाजाची दिसपट्ट्या, साद्या, किरकोळ संभाशणाची बोली आसना. भाशेची सभावीक प्रमाण बोली भाशीक समाजांतल्या खंयच्या तरी पंगडाची, पोट-समाजाची दिसपट्ट्या किरकोळ भाशीक वेव्हाराची बोली आसता. डायग्लॉसीक बोली केन्नाय कोणाय उलोवप्याचे जिबेर किरकोळ वेव्हाराची बोली जाता तेन्ना एक तर ह्या उलोवपाक पुस्तकी उलोवपाची सया मारता – तें कृत्रीम – अडेचें कशें दिसता (अरबी, ग्रीक भासांचे बाबतींत अशें घडटा) वा, असल्या वापराक लागून उलोवप्याचे भाशीक समाजा कडले निश्ठेचोय आयकुपी दुबाव घेता (स्विस-जर्मन आनी हायशियन क्रियोल समाजांत अशें घडटा).

२) डायग्लॉसिया संवसारभरच्या वेगळ्या वेगळ्या कोनशांनी, वेगळ्या वेगळ्या काळांचेर आनी वेगळ्या वेगळ्या भाशेकुळांतल्या भासांनी पळोवंक मेळटा.[3].

हांगा फर्गुजन भारतांतल्या तमीळ भाशीक समाजाची देख दितात आनी डायग्लॉसियेची संकल्पना तमीळ भाशेक कशी ज्युस्ताजुस्त लागू जाता तें सांगतात. आदल्या काळार लेगीत डायग्लॉसिया आसताली म्हणपाचें दाखोवन दिवंक ते मध्ययुगांतले येवरोपांतले भाशीक परिस्थितिची देख दितात. मध्ययुगांत येवरोपांत लॅटीन भाशेचो 'वयले' बालयेचो जावचो तसो वापर जातालो आनी लॅटीन भाशेच्यो इटॅलियन, फ्रॅंच, पुर्तुगेज, स्पॅनिश बी धुवो भाशीक वेव्हाराच्या 'सकयल्या' मळांनी घोळटाल्यो.[4] चिनी भाशीक समाजांतूय सगळ्यांत व्हडल्या प्रमाणाचेर डायग्लॉसिया पळोवंक मेळटा म्हणपाचें फर्गुजन सांगतात. चिनी भाशेची एक 'वयली' बोली आसा तशी एक सभावीकपणान मुखार आयिल्ली प्रमाण बोलीय आसा. इतलेंच न्हय, तर तिचीं कितलिंशीं 'सकयलीं' रुपां आसात आनी तीं वेगळ्यो भासो म्हणूं येत इतलीं वेगळीं आनी स्वतंत्र आसात, ही म्हायती दिवन फर्गुजन म्हणटात, आयज चिनी भाशीक समाज डायग्लॉसीक परिस्थितींतल्यान भायर सरून प्रमाण बोली आनी हेर बोलयो असले 'सभावीक' भाशीक परिस्थिती कडेन वचत आसा.

३) एका खाशेल्या 'वातावरणां'त डायग्लॉसिया जल्मा येता – १) समाजाचे सभावीक भाशेचे एके इतिहासीक बोलयेंत वा, हे भाशेच्या लार्गिच्या नात्यांतले दुसरे एके भाशेंत गडगंज साहित्य आसता आनी हें साहित्य धार्मीक वा सांस्कृतीक नदरेन भाशीक समाजाक भोव म्हत्वाचें आसता; २) भाशीक समाजाचो एक ल्हान वांटोच बरोवंक-वाचूंक जाणा आसता. आनी, ३) १ आनी २ वयल्यान शतमानांचीं शतमानां उलगतात तेन्ना समाजांत डायग्लॉसिया मूळ धरता. 'दोन कुडक्यांची' डायग्लॉसीक भाशीक जीण जियेतात तांकां ती 'विचित्र'य दिसना आनी तिचे पसून त्रासूय जायनात. काळ बदलूंक लागता तेन्ना मात डायग्लॉसियेची भाशीक समाजाक आडखळ जावंक लागता. बरोवप-वाचप समाजांतल्या सगळ्या थरां कडेन पावता, समाजाक सगळ्या पोट-समाजां कडेन संपर्काचे नदरेन एकवट साधचो अशें दिसता आनी, राजकी गरजांक लागून भाशीक समाजाक एके राष्ट्रभाशेची / राजभाशेची गरज जाणवूंक लागता तेन्ना डायग्लॉसीक भाशीक-समाजूच हे 'विचित्र' परिस्थितींतल्यान वाट काडूंक आंवडेता.

जिणेच्या सगळ्या मळांचेर खंयचें तरी एक रूप – 'वयलें', 'सकयले वा ह्या दोगांयचे भरसणुकेंतल्यान तयार जाल्लें 'मिश्र' रूप घोळूंक पा हे दिकेन ह्या समाजांतले फुडारीच वावरूंक लागतात. आनी समाजा मनार घेतलें जाल्यार शेंकड्यांनी वर्सां सावन चलून आयिल्ले डायग्लॉसिये बांदावळ कोंसळुनय पडटा. असल्या वेळार, डायग्लॉसीक परिस्थितींत 'वयली' बोली खंयच्या तरी भाशीक समाजांतली प्रमाण बोली आस तेन्ना डायग्लॉसीक परिस्थितींतल्यान भायर येवपी भाशीक समाजाची ती प्रमाण बोली जाता आनी आदलो डायग्लॉसीक भाशीक समाज भायल सम भाशीक समाजाचो (भाशीक नदरेन) वांटो जावन बसता. 'वयली बोली अशी खंयच्याच समाजांतली प्रमाण बोली आसना तेन्ना ती इल्ल इल्ली वापराभायरी जाता. फंकत धर्मीक मळार तिचो वापर जाता आ कांय जाणकार तिचो अभ्यास करतात आनी खंयची तरी एक 'सकयली बोली वा एक मिश्र भाशीक रूप प्रमाण रूप म्हूण वयर सरता. भाशी समाजाचें संपर्काचें एक केन्द्र आसता तेन्ना त्या केन्द्रांतली बोली प्रमा बोली म्हूण मुखार येता. संपर्काचें एक केन्द्र नाशिल्ल्या समाजां भित वेगळीं वेगळीं थळावीं प्रमाणां वयर सरतात.

निबंदाचे निमाणे कडेन फर्गुजन तांणी अभ्यास केल्ल्या चार डायग्लॉसी भाशीक समाजांची मुखावयल्या दोन शतमानांत, म्हळ्यार २१५० मे कसली परिस्थिती आसतली ताचें 'ज्योतीश' करतात. ते म्हणटा स्विस-जर्मन भाशीक समाजाचे परिस्थितींत व्हडलोसो बदल घडिल्ल आसचोना. अरबी भाशीक समाजांत 'वयले' बोलये कडल्यान भरपू उतरावळ घेतिल्लीं अरबी भाशेचीं कितलिंशीं थळावीं प्रमाणां (माग्रेबी प्रमाण अिजिप्शियन प्रमाण, पुर्वेकडलें प्रमाण, सिरियन प्रमाण, सुदानीज प्रमा बी) वयर सरतलीं. हायशियन क्रियोल समाजांत पोर्त-ओ-प्रांसा 'सकयली' बोली प्रमाण म्हूण वयर सरतली.ग्रीक समाजांतूय वयले बोल कडल्यान भरपूर उतरावळ घेतिल्ली अथेन्साची ग्रीक बोली, भाशेचें एकवटी प्रमाण म्हूण वयर येतली.

फर्गुजनाच्या निबंदाचो हो आपरोस. पयसुल्ल्या अरबी, ग्रीक, स्विस-जर्म आनी हायशियन क्रियोल समाजांचें हें वर्णन. ह्या हारंशांत कोंकणी समाजाक चड करून गोंयकार हिंदू कोंकणी समाजाक, आपणालें रूप दिश्टी पड बग़र कशें रावतलें? शंबर वर्सां फाटीं वचुंया. शंबर कित्याक, पन्नासू वर्सां फाटीं गेल्यार पुरो.

[मुखार चलता

✻ ✻ ✻

---

१. Ferguson, Charles A. 1959. **Diglossia in Language in Cultur and Society** ed. Dell Hymes 1964: 429-439 (Indian reprint: Allie Publishers, New Delhi.)

२. 'कातारेखुसा' आनी 'दिमोतिकी' हीं अनुक्रमान 'वयल्या' आनी 'सकयल्या ग्रीक बोलयांचीं नांवां. डायग्लॉसीक भाशीक समाजां भितर अशीं 'वयल्या' आन 'सकयल्या' बोलयांक खेरीत नांवांय आसतात.

३. आपणालो डायग्लॉसियेचो अभ्यास **बरोवंक वाचूंक जाणा आशिल्ल्याच** भाशी समाजांतले परिस्थितिचो म्हणपाचें सांगून फर्गुजन म्हणटात, बरोवंक वाचूंक नक आशिल्ल्या आनी मौखीक साहित्याचें दायज आशिल्ल्या भाशीक समाजांनी डायग्लॉसिया आसूं येता.

४. भारतांतूय आदल्या काळार संस्कृत 'भाशे'क अशीच प्रतिश्ठा आशिल्ली आन प्राकृत 'बोलयां'चेर तिचो धेंक चलतालो. हीय डायग्लॉसियेचीच एक देख.

दोंगराचो बाबा

प्रकाश पर्येंकार

दोंगराचो बाबा जोत घेवन वांयगणांत वतालो तो बद्द वांयगण लुवून त घरांत पाव मेरेन घराचें तोंड पळयनासलो. घराकडल्यान चलून न-अडेज वरांचे वाटेर वांयगण. वांयगणाच्या मुखावयल्यान म्हादय न्हंय वता. तशेंच सरभोंवतणी दाट रान. ह्या वांयगणाक तेंकून लागीं गांव . शेंकड्यांनी वर्सां पयलीं कडवळ-पेंढाळ सारकेले गांव ह्या रानांनी शिल्ले. पूण प्लेगाक लागून हे गांव पुराय उध्वस्त जाल्ले. जे कोण चले ते गांव सोडून दुसरेकडेन पळून गेले. दोंगराच्या बाबाच्या घराण्यानूय वेळार आपलो गांव सोडिल्लो. हें वांयगण म्हळ्यार दोंगराच्या बाबाच्या राण्याची कुरू. ताच्या पुर्वजांची याद...

दोंगराचो बाबा वांयगणांत जोत घेवन वचचे म्हयनोभर पयलीं टली-पोटली घेवन थंय रावूंक वता. खोंप सारकी करता. वांयगणाक दक पाजपाक म्हादय न्हंयक आडवो बांद घालचो. जोत धरपाक. वांयगणाची य करपाक ताका दुसरो मनीस लागनासलो. वांयगण रोपच्या वेळार त घरचीं सगळीं वांयगणाकडेन रावंक येवचीं. वांयगण रोपून जातकच मागीर घरा वचचीं. पूण दोंगराचो बाबा मात आपली खोंप सोडून यच वचनासलो. तो त्या अटंग्या रानांत एकलोच रावतालो.

म्हादय न्हंयचेर बांद घालपाक ताका पंदरा-वीस दीस लागचे. बांद नी वांयगणा मदलें अंतर सादरण एक किलोमिटर आसलें. ताणें व्हडा श्टान चर मारून उदक वांयगणांत पावयल्लें. खोंपी फाटल्यान चार ळबेय रोयिल्ले. एक दोन कवाथेय आतां फुटाक आयल्यात.

घरा येतकच गांवच्या कांय भुरग्यांनी ताका म्हणचें, ''दोंगराच्या बाबा मी तुजे बरोबर वांयगणांत केन्ना येवं?''

''तुमकां जाय तेन्ना येयात.''

''आमी येतात. पूण आमकां माशे खावंक मेळटले मरे?''

''तुमी खातलेच जायात...'' अशें म्हणत दोंगराच्या बाबान तांकां कोमार काडचे. मागीर ते एकदीस पेट्रोलमॅक्स दिवो आनी सामान-सुमान घेवन दोंगराच्या बाबावांगडा वांयगणांत वचचे. दोंगराच्या बाबाकडेन बालें आशिल्लें. आपूण एकलो आसतना ताणें नेमान न्हंयंत बालें घालचें आनी माशे येतिश्ट खावंचे. गांवांतसून असो कोणूय येतकच ताका खूब बरें दिसचें. ते राती गोळये, खरचांड्यो आनी घोळश्यांच्यो राशी पडच्यो. जेवन-खावन जातकच आयल्यो-पयल्यो गजाली जावंच्यो. आयकतलो ताच्यो गजाली आयकतच रावचो. दोळ्यांत न्हीद रिगसर...

दोंगराच्या बाबाचो राबितो रानांत आसलो तरी ताका केन्ना आर्म हातांत घेवपाची वान्सा जाली ना. त्या रानांत कोणूय कासादोर पावल्यार दोंगराचो बाबा आसूं-नासूं, ते राबित्याक ताचे खोंपींत येवन रावचे. तांकांय ते खोंपिचोच आदार. दोंगराचो बाबा खोंपींत आसतकच ते कासाक यो म्हण ताका फोर्सार करचे. तेन्ना दोंगराचो बाबा म्हणचो, ''तुमचे वांगडा जागरणां करपाक म्हाजेकडेन जावचेंना. दीसभर काम करून जालां पुरो.''

दोंगराचो बाबा कितें न्हय कितें करीत आसचो. वांयगणाची मेरान मेर भोंवून वांयगण नियाळचें. वांयगणान एखादें सावद पावलां जाल्यार ताचो माग पळोवंचो. मागीर ताणें रानांत वचून कुमयाचे दोर काडून हाडचे. न्हंयचेर गुण्यार धरून बडोवंचे. वताक बरे सुकोवंचे... वेळ मेळटा तसो खोंपींत बसून त्या कुमयांच्या दोरांच्यो दोरयो वळच्यो. गांवांतले चडशे गोरवांकार ताचेच कडल्यान दावीं, दांवल्यो आनी कानयो करून घेवंचे. 'दोंगराच्या बाबाकडसून घेतिल्ल्या दाव्यांक चार-पांच वर्सां भंय ना' अशी ताची तुस्त तोखणाय जावंची. 'दोंगराच्या बाबा' आमकां थोड्यो घरवेली जाय आसल्यो. घर सामकें कडणेक येयलां. अनू कडणी केली ना जाल्यार नळे सकयल देंवतले' असो कोणूय काकुळटेक येतकच दोंगराचो बाबा ताका धीर दीत म्हणटालो, ''तुका जायो तितल्यो घरवेली काडून दवरतां. एक दीस व्हरोंक मात यो.'' दोंगराच्या बाबाक खंयच्या दोंगरार खंय कितें आसा तें ज्युस्त खबर आशिल्लें. घरवेली, बेतां, पालकोणी, घुरमवेली, शेळो असल्या वस्तुंची ताका खोलायेन म्हायती आसची. रानांतले खंयचेय वस्तुची म्हायती जाय पडली जाल्यार कोणेंय बद्द दोंगराच्या बाबाकडेन येवंचें आनी तकली खाजयत आपणाक जाय ती म्हायती विचारची. नाणो, झांबो, करमळ, नागीण, किंजळ, मारट, चिंवर अशीं शेंकड्यांनी झाडां ताचे वळखिचीं. नाण्याचें झाड खंयच्या वेळार आपली साल सोडटा, खंयच्या झाडाची साल वखदी, खंयच्या झाडाचो पालो दुखण्याक वापरतात, कसल्या दुयेंसाक खंयच्या झाडाचें पाळ झरोवन दिवचें हेंवूय ताका ज्युस्त खबर आशिल्लें. इतल्या आंवाठाक वखद ताच्याच हातांतल्यान वयचें. ताचें घर म्हळ्यार एक फर्मास कशी. कितलिंशींच वखदी पाळां ताचे सांगशेंत आसचीं. दोंगराच्या बाबाचो हातगुणूय बरो आशिल्लो. घराकडेन आसतना कोण एकलो चड बरो ना जाल्यार रातचो ताका उठोवन घालतालो. मागीर दोंगराचो बाबा एका हातांत बॅटरी दिवो आनी दुसऱ्या हातांत दांडो घेवन रातचोच रानांत रिगचो आनी कसलो तरी पालो घेवन येवंचो.

रानांत वचपाक घरांतल्यान भायर सरतना ताच्या खांदार गीम-पावस कांबळ आसची. आकडेक कोयतो. हातांत पाळुकी, पांयांत चामड्याचीं जोतीं. कमरेक बोलशी. कानाक कुड्याची विडी. न्हेशिल्ल्या वाल्याचे गांठीक तंबाकू, माथ्याक वाल्याचो मुंडासो... आनी आंग मात उकतेंच. तो गांवांतल्यान चलपाक लागतकच ताच्या चामड्याच्या जोत्यांचो चर्रऽ चर्रऽऽ असो आवाज जावंचो. हीं चामड्याचीं जोतीं तो शेजारच्या गांवांत आशिल्ल्या चामाराकडल्यान करून घेतालो. नवीं जोतीं हाडटकच ताका तो शेरभर खोबरेल तेल खावयतालो. जोत्याक तेल घालतकच ताचो रंग काळोच जावंचो. तेलाक लागून पावला कणकणी चर्रऽ चर्रऽऽ असो आवाज जावंचो. कोणेंय जोत्याविशीं विचारतकच ताणें म्हणचें, ''तुमचीं तीं फटफटीं जोतीं

घालात दुर्लीत. म्हजो जर एक पांय पडात जाल्यार तुमच्या पांयाचें तोकटेंच वयतलें.'' आपल्या जोत्याची व्हडदीक ताणें बरी मीट-मसालो लावन सांगची. आपले पांय थंड उरतात. जोत्याच्या आवाजान रातचीं वाटेवयलीं जिवाणीं कशीं पळटात. जोत्याक कांटो आरपार कित्याक जायना...

दोंगराच्या बाबान विडी केन्ना विकती घेतली ना. आनी विडी चकमका बगर पेटयल्ल्याची ताका याद ना. वांयगणांत आसतना रानांत वचून तो नागूल कुड्याचे ताळे घेवन येतालो. ते ताळे ताणें सुकोवंक घालचे. तिनसांजच्या वेळार ताचेर मात्सो दंव पडटकच त्या ताळयांचीं पानां मोडून ताणें ताच्यो मोवळ्यो बांदच्यो. अश्यो तो शंबरांवयर मोवळ्यो बांदतालो. ह्यो मोवळ्यो ताका पावसभर पावच्यो. रातीकडेन शेन्तां कातरून दुसऱ्या दिसा आपणाक जाय तितल्यो विडयो ताणें बांदच्यो. गिमाच्या दिसांनी एकाद्या भिल्ले माडार चडून धुबो काडून दवरचो. भायर सरून खंयूय वयतना बोलसेंत घुबो, चकमक आनी गुणो आसा काय ना हाची खात्री करून घेवंची. रानांत कांट्या-बुट्टांत भोंवून पुरो जातकच एकाद्या तळपार ना जाल्यार झाडाचे शितळ सावळेंत बसून ताणें विडी ओडची.

दोंगराच्या बाबाचें नांव आटयो गांवकार. ताका दोंगराचो बाबा नांव कशें पडलें हाका मोठी फाटभूंय आसा. आटयो पंदरा-सोळा वर्सां पिरायेचो आसतना खांदार कुराड उडोवन कुमेरी शेत हणपाक गेल्लो. सरकारान कुमेर शेत बंद उडयसर आटयान शेत हणलें. बेतीचें पाणी, दोबाचो दोंगर, धामण सरी, तमुचो कणो अशा साबार दोंगरांचेर ताणें गांवच्या लोकां वांगडा शेत हणून खाणयांनी नाचणे घरांत हाडले. चार-पांच जाणांची सावड तशेंच गांवसावडी मेरेनच्या शेताचो ताणें अणभव घेतिल्लो. झाड कशें हडप, पाशाणी कशी करची, शेताक उजो केन्ना घालचो, नाचणे केन्ना पेरचे... हातूंत तो निपूण जाल्लो.

शेत सावडीक केल्यार एका गवळांत वीस-पंचवीस लोक आसचे. नडणे वेळार दिसावयलें नडप-काडप जातालें. आटयाचो शेव सगळ्यांच्याकय मुखार पावचो. शेत नडून शेव राखणे वेळार आटयो दोंगराचे दोंगर गरगरून भोंवचो. व्हाळार वचून कुल्ल्यो धरून हाडचो. दुसऱ्या एका तेमकार वचून भाजये खातीर कणकिचे कोंब घेवन येवचो. शेतांत तरातरांचीं भुजावणीं तयार करून लावचीं. हातांत पेट्टें कोलीत घेवन रातचो एकलोच माळ्याक वयचो. घरा वेळार कितेंय करपाक तयार. ताचेकडेन आळस म्हणटा तो नासलो.

अशींच कांय वर्सां गेलीं. इल्लोसो गिड्डो आटयो आल्त मानाय जालो. शेजारच्या गांवांतले चलयेकडेन ताचें लग्न जालें. तीन चलयां फाटल्यान एक चलो जालो. ताच्या बापायक मरण आयलें. आटयाचो बापूय बऱ्योच काणयो सांगतालो. बापूय भायर पडले उपरांत काणयो सांगपाची जबाबदारी ताचेर येवन पडली. बापायन सांगिल्ल्यो काणयो ताणें घट्ट उगडास धरिल्ल्यो. बापूय जे तरेन काणयो सांगतालो ताच्याकय बऱ्यो काणयो आटयो सांगतालो. ताचो आवाजय बरो खणखणीत आशिल्लो. जेवन-खावन जातकच गवळार आटयाच्यो काणयो आयकुपाक एका गवळापुरतो उरूंक नाशिल्लो. तो सगळ्या गवळकाऱ्यांचो जाल्लो...

बापायन जीव सोडचे पयलीं ताका झाडापाल्यांच्या वखदांची म्हायती सांगली. खंयचें झाड कसल्या दुयेंसाक उपकरा पडटा, तें झाड खंय आसता, वखद कशें काडप, कशें घेवप, केन्ना घेवप, कसलीं पथां पाळप हें सगळें ताका समजावन सांगलें. बापूय भायर पडले उपरांत सगळी जबाबदारी ताचेर येवन पडली. दोंगरार शेतांत आसतना तो गवळकारांक वखद दिवंचो. आटयो गवळांत आसपूच म्हळ्यार हेर गवळकारांक तितलोच धीर. सगळे गवळकार ताका आदारान पळोवपाक लागले. बऱ्या वायटाक ताचें नांव सगळ्यांचे जिबेर घोळपाक लागलें. करतां करतां आटयो सगळ्यांचो दोंगराचो बाबा जालो. ताच्याकयू पिरायेन व्हड आशिल्लेय ताका दोंगराचो बाबा ह्या नांवानूच उलो मारपाकलागले.

आयज गांवांतलीं सगळीं पोरां-तोरां, म्हातारीं-कोतारीं आटयाक दोंगराचो बाबा ह्या नांवान उलो करतात. दोंगराच्या बाबाचें नांव आटयो हें आयचे तरणाटे पिळगेक खबर ना. खबर आशिल्ल्याचेय जिबेवयलें तें ना जालां.

दोंगराच्या बाबाच्या आंगांत आयज शक्त उरूंक ना. भायर-भितर सरतलो जाल्यार ताका दांड्याचो आदार जाय पडटा. अशें आसलें तरी ताणें चार पावलां भोंवपाचें सोडूंक ना. दोंगराच्या बाबाची दिश्ट बरी आसा. आयकुपाक बरें येता. आंगाक आंगभर तेलाचो लेप काडून आयजूय तो गीम-पावस थंड उदक न्हाता. सकाळींफुडें तोंड धुतकच वासूच्या च्यायेच्या दुकानार वचून च्या पियेवन येता. गांवांत कोणाय एकल्यागेर वचून आयल्यो-पयल्यो गजाली करता. तिनसांजच्या वेळार कोणेंय 'दोंगराच्या बाबा आमकां काणी सांग रे' अशें म्हणटकूच 'आतां कोणाक जायो काणयो आनी म्हाका तरी याद खंय उल्ल्या त्या काणयांची... केन्ना केन्ना सांगात रावल्यार याद उरता' म्हणटा. चडूच हट्ट धरतकच दोंगराचो बाबा काणी सांगपाक लागता. तोच खणखणीत आवाज, तोच उत्साह... दोंगराचो बाबा काणी सांगूंक लागतकच आडेकुशिचे पांच-पंचवीस लोक जमतात.

'दोंगराच्या बाबा, झिलाक कामीण जाल्याशी दिसता. आंग हळडुवेंच जालां. वखद इल्लें जाय आसलें' अशें कोणूय येवन सांगतकच तो म्हणटा, ''म्हाज्यान कांय आतां रानांत वचोंक जायना. तुका वखद कोण हाडून दितलो? तूंच वचून घेवन यो... तुका मागीर हात उकलून दितां. अशें कर, असोच काजऱ्याकडल्यान वयर चल. सातुनाच्या झाडाकडेन पावतकच दाव्यान सर. थंय तुका काळो गुणो थायो पडटलो. त्या काळ्या गुण्याक तेंकून बारीक पानांचें चिंवरिचें झाड आसा तेच्यो कोमऱ्यो काडून हाड. तें झाड मेळोंक ना जाल्यार आवाळणेची साल काडून हाड. वाटेर खंय तरी हांसाळी आसतली तेच्योय चार कोमऱ्यो घेवन यो. वखद काडचे पयलीं आजोबाक हात उकलूंक विसरों नाका. चल वगोत करूं नाका. वखदान बाकिचें काय काय घालचेलें तें आसतलें सांगशेंत...'' आनी दोंगराच्या बाबान सांगलेलो तो जागो आनी तें झाड घट मतींत धरून आयिल्लो आपले वाटेक लागता.

आपली सांगणी आपलो चलो आयकना हें दोंगराच्या बाबाक मोठें दुख्ख. आपलेकडेन आशिल्लीं झाडपाल्याचीं वखदां आनी काणयांचें भांडार आपल्या चल्यानं सांबाळचें अशें ताका मनापसून दिसता. पूण तो मनार घेना. कोणाकय वखद काडून दी म्हटल्यार 'तुजीं तीं वखदां आतां पारपाचीं नात' अशी परती जाप दिता. आपल्या चल्याचीं उतरां आयकून दोंगराच्या बाबाक खूब वायट दिसता. आयजवेर आपल्या हातान कितल्या जाणांक बरे केल्यात हाचो तो थाव घेवंक लागता. ताच्या चल्याकडेन वांयगणाचें काम जायना. चार-पांच वर्सां जालीं. वांयगण कोण तरी गांवांतलो अर्दलीन करता...

एक दीस शेजारच्या गांवांतलो एकलो येवन दोंगराच्या बाबाक म्हणपाक लागलो, ''दोंगराच्या बाबा, तुजें वांयगण विकता? पयशे कितले ते सांग...'' हें आयकून दोंगराचो बाबा सामको उसळ्ळो आनी म्हणपाक लागलो, ''म्हाज्या जिवांत जीव आसा मेरेन वांयगणाचो एक कुणगो पासून विकचोंना. आमच्या पुर्वजांची याद ती. ती तुका विकूं? आदीं पयलीं तोंड घेवन चलोंक लाग हांगासरलो...'' दोंगराचो बाबा त्या दिसा रागाच्या भारांत खूब कितें बडबडलो. ताचे दोळे भरून आयले. त्या दिसा तो जेवलो लेगीत ना.

दोंगराचो बाबा व्हडा कश्टान उठलो. पांयांत चामड्याचें जोतें रेटलें. खांदार कांबळ घेतली. हातांत दांडो घेतलो. आनी घरा फाटल्यान आशिल्ल्या दोंगराचेर ल्हवू-ल्हवू चडपाक लागलो. आपलें दुख्ख ल्हव करपाक.

* * *

ोर-सुवादीक कॉलम

दीप बोरकार

हें संवसारांतलें एक ल्हान राज्य.
न सिटी परस्पूय म्हाका दिसता तें ल्हान.
आसलें तरीय तें म्हजें राज्य.
अना सारको तें कोणालें तरी राज्य म्हणिना.
रत लेगीत कोणालो तरी देश म्हणटा.
ोकांक देशप्रेम म्हणटात तें मात लेगीत ना.
ांतूय तें नासत, पूण गोंयप्रेम भरपूर आसा.
आसुनय हांवें गोंयचेर कांयच बरोवंक ना.
ताचेर गोंया तुज्या मोगाखातीर म्हूण बरयलां
ोणें पुण्यभूमि गोमंतक म्हूण नमस्कार केला.
र कोण गोंयांत रावन बरयता
मुंबय बी रावन वेळ मेळ्ळो जाल्यार बरयतात.
च्यान अना गोंयचेर बरयता ताका अनाळ्यो म्हणटात खंय!
त रावून गुरुनाथ बी गोंयचेर बरयतात ताका गुनाळ्यो म्हणटात आसूंक
ा मात अजून मेरेन ह्यो अनाळ्यो गुनाळ्यो जमूंक नात.
अर्थ, म्हजो गोंयचेर मोग ना असो न्हय.
आसा पूण म्हाका तो हेरांवरी दाखोवंक कळना.
कित्याक, म्हाका म्हजो कोंकणीवेलो मोग खंय उक्तावंक येता तर!
चे कोंकणी मोगी खंयीय खुट्ट जाल्यार रोखडेच फुट्ट करून मोग
यतात.
ीवाद्यांनी कसलीय नखलामी केली जाल्यार एक बरें आसा.
र काडात तुमी पत्रकां आनी उक्तायात तुमचो कोंकणी मोग.
न तांचे वांगडा तुमचें नांव लोकां मुखार येत रावतलें.
न हांच्या काळजांत कोंकणी मोग खतखतता हें तरी कळटलें.
हे मराठीवाद्यांक सोडून कोंकणी मोग्यांचेरूच फुरफुरतात.
ली बाबा ही पाडी संवंय फुर्रऽ फुर्रऽऽ करपाची?
लो तो कोंकणी मोग, हेरांचो मात कोंकणी भोग!
न्हय, वायट ती संवंय कोंकणीवाद्यांची.
ांचे संवये पासत हांव म्हजो मोग उक्तावंक वचना
ूय म्हाका तांचे पंगतीक व्हरून बसयत म्हूण!
नच म्हाका गोंयचो उप्पाट मोग आसून सांगूंक जमना.
ंय आनीक हेर हजार कारणां आसात.
ल्हान आसलें तरी तातूंत म्हान लोक रावतात.
ीबाबान गरजेभायर शिताफुडें मीठ खावन उडयलें
ी गोंयचेर कविता बरयली—
चें नांव व्हड करून ल्हान जाले म्हान
वणिर्ची देवळां जालीं लामणदिवे प्राण'.
ीबाबाचे हे कवितेंत ल्हान म्हान जाले तें समजूं येता,
वणिर्ची देवळां जालीं तेंय समजूं येता
लामणदिवे प्राण जाले म्हणटात तें विचित्रूच दिसता.
णदिवो हो प्रकार एक्जॅक्टली कितें तें म्हाका कळना.

बाकीबाबाचो हो लामणदिवो प्राण जाता.
गजानन रायकार तालसुरांत गायत म्हणटा,
'लाय तुजो लामणदिवो म्हजे गर्भकुडींत'.
रायकारा पयलीं बोरकारान लामणदिव्याक प्राण म्हळा.
उपरांत रायकार म्हणटा तो म्हजे गर्भकुडींत लाय.
म्हळ्यार, दुसरो अर्थ, प्राण गर्भकुडींत लाय.
हो लामणदिवो मुखार इतल्यारूच सोंपना.
कोंकणींतली थोर समिक्षक चंद्रलेखा तेय मुखार वता.
ती आपलें पुस्तक आपल्या 'लामणदिव्यां' खातीर ओंपता.
आतां हे लामणदिवे बाकीबाबाचे प्राण जाल्ले ते
काय रायकाराले गर्भकुडींतले
काय आनीक खंयचे तें मात म्हाका आजून कळूंक ना.
ह्या लामणदिवे प्रकरणान हांव मात सामको गोंदळांत पडलां.
खरें म्हळ्यार बाकीबाबान ती कविता बरोवंक फावनाशिल्ली.
ती हालिंच्या काळार म्हजे सारक्या बोरकारान बरोवपाची.
'गोंयचें नांव ल्हान करून म्हान जाले ल्हान
तावेर्नांचीं देवळां जालीं, कदेलां जालीं प्राण.'
मागीर ह्यो खुर्च्यो सचिवालयांतल्यो आसूं
राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्यो आसूं, लेखकसंघाच्यो आसूं
मंडळाच्यो आसूं वा अकादेमीच्यो आसूं
त्यो जाता तितल्यो तापोवपांतूच गोंयकारांक धन्यताय.
अशी ही आयची गोंयची परिस्थिती हें खरें.
तरीपूण म्हजो गोंयावेलो मोग कुसकुटानूय उणो जायना.
आनी तरी हांवें अजून गोंयचेर एक वळ बरोवंक ना.
बरोवंक बसतां तेन्ना दोळ्यांमुखार धर्मसंकट उबें रावता.
म्हजे म्हाकाच हांव संजय अशें दिसूंक लागतां.
हो संजय म्हळ्यार बांदेकार न्हय वो तळवडकारूय न्हय
तितले उच्च कोटिचे गूण अजून म्हज्यांत येवंक नात.
हो संजय महाभारतांतलो, दिव्यदृष्टी प्राप्त जाल्लो.
कुड्ड्या धृतराष्ट्रा सामकार बसून कुरुक्षेत्रांतल्यो घडणुको सांगपी.
संजयाक त्या वेळार दिसतालें तशेंच म्हाका दिसूंक लागता.
दोळ्यांमुखार दिसता तें धृतराष्ट्राक सांगचें काय ना हे विवंचनेंत संजय आशिल्लो.
गोंयचेर बरयतना म्हाका दिसता तें बरोवचें काय ना हो प्रस्न म्हाका पडटा.
हांव ज्या गोंयचेर बरोवंक सोदतां तें निखटें गोंय न्हय.
गोंय मुळांतूच ल्हान जाल्ल्यान तातूंत ल्हान-व्हड गजाली येतात.
कोंकणी चळवळ येता. मराठी चळवळ येता.
दादले लेखक येतात, बायलां लेखिका येतात.
युवा संमेलन, युवा महोत्सव येता, काणकोणचीं तरंगां येतात.
ते खातीर मागीर जळामळाक फुटपी नारंगां येतात.
ह्या सगळ्यांचें पाड पडूं म्हूण तांकां कुशीक काडून गोंयचेर बरोवपूच शक्य

जायना.
तशें बरयलें जाल्यार ताची पाशाणकळी जातली.
आतां हेंच पळयात, गोंयचेर बरयतना कोंकणीचेर बरोवंचें पडटा.
कोंकणी वेगळावन गोंय कशें उरतलें तर!
कोंकणी खातिरूच तर आयचें गोंय राज्य जालां.
मराठीक लागून महाराष्ट्र जालो, कन्नडाक लागून कर्नाटक जालो
तशेंच कोंकणीक लागून राजीव गांधीन घटक राज्य दिलें.
तेन्ना, हांवें कोंकणी कुशीक काडून गोंय घेतलें जाल्यार कशें जातलें?
तो राजीव गांधी सर्गांत रावन म्हाका कितें म्हणटलो?
तेच खातीर म्हाका गोंयचेर बरयतना कोंकणीक प्राधान्य दिवंचें पडटा.
आतां हेंच पळयात.
जानेर म्हयनो. जानेर काय जानेवारी?
(ह्या राजहंसवाल्या भिडेन सामके भिडेक घाल्यात आमकां. जानेवारी, फेब्रुवारीचें जानेर, फेब्रेर करून आमची अस्मिताय डळमळीत करून उडयल्या.)
ह्या जानेर म्हयन्यांत गोंयकारांनी ओपिनियन पोल जिखलो.
गोंयची अस्मिताय राखून दवरली.
पूण ह्या अस्मिताय दिसाची याद खंयचोच कोंकणीवादी काडिना.
ते फकत दीसरात कोंकणी कोंकणी करूंकच मेल्यात.
देखून हांव जेन्ना गोंयचेर बरयतां तेन्ना म्हाका अस्मितायवाल्यांची या
येता.
ही अस्मिताय सांबाळूंक ते तनमनधनान वावुरतात.
आतां हातूंत मुखेल गजाल खंयची?
गोंय, कोंकणी, काय अस्मिताय दीस?
अस्मिताय दीस मुखेल म्हळो जाल्यार कोंकणी गौण थरता.
कोंकणी मुखेल म्हळी जाल्यार गोंय गौण थरता.
आनी कोंकणी आनी गोंय मुखेल म्हळें जाल्यार अस्मितायवादी गौण थरतात.
ते जर गौण थारले जाल्यार मागीर कितें?
म्हळ्यार, हांवें गोंयचेर बरोवपूच ना, हें समा न्हय?
तेच खातीर हांवें अजून मेरेन अनाळ्यो गुनाळ्यो करूंक नात
त्यो आयज करच्यो पडल्यो.

* * *

रीण

□ **निलबा खांडेकार**

हांव कितलों सुरक्षीत
जमीन आनी मळब हांचे मदीं
म्हाका केन्नाच जाणवली ना भिरांत
जमीन घसरपाची
मळब कोंसळपाची
तरीय मळब आनी जमनी कडेन
हांव केन्नाच विश्वसनीय जावंक पावलों ना
तशें तांचें रिणूय हांव केन्ना फारीक करूंक
पावलों ना, युगांचे उदेंत सावन पावली मारून लेगीत

रुखां-पेडां भाशेन हांव म्हजीं पाळां
जमनिच्या शिरंतरांत रुजोवंक पावलोंना
रुखां-पेडांनी आपली जीण
रीण फेडटना पळोवन लेगीत

हांव पळेतां चंद्र-निळें मळब नक्षत्रांनी भिजतना
आपलें मुखामळ संवसाराक दाखयतना
तो उजवाड लेगीत हांव म्हज्या पावलांचेर
घालूंक पावलों ना
शेंकड्यांनी पावलां मेळ करून लेगीत

काळखाचीं कितलिंशींच विश्वां
हांव म्हजे भितर पसोवन विराट शिंपडलां
म्हजो शुन्य वालोर करतना
'मनीस' हे सैमाचे अजापाचे कलेक
हांवेंच विटयलां
आतां खंयचे व्हडविकेन हांव अधिकार गाजोवं
ह्या उदेंतेच्या सुर्याचेर ?
जो केन्नाच व्यभिचाराची भास उलयलो ना
दुराव्यान कुशेंस दुखयलें ना
जाती-कातिचो दुस्वास फांकयलो ना
तशेंच आपले विश्व-तांकीन
अतिक्रमणूय केन्ना केलें ना
घात-पाताचे विखाणू
म्हजींच शिरंतरां पोखरीत गेले
आनी उल्ली फकत जमीन-मळबाची पुण्याय
शाश्वतेक उजागर करीत...


भांगरा सारकें इतलें येवजितना
हांव इतलो मोटवो कित्याक ?
जमीन-मळब, रुखां-पेडां, चंद्र-सूर्य-नखेत्रांच्या
नि:स्वार्थाचें आचरण करतना
हांव असो स्वार्थी कित्याक ?

दरेक प्रस्नांतल्या नव्या प्रस्नांचो व्याप
वाडत वयता
पूण रीण फारीक जावपाची खंयचीच तजवीज
जायना
आनी
आनीक जगपाची उमेद फिटना.

नातीं

□ **नयना आडारकार**

हे नात्याचे पास कसले आसतात काय
केन्ना वादळ उटंगारी केन्ना रिमझिम पावस
नातीं अशीं काळजां जोडी
नातीं भेदभाव सोडी
नातीं नातर भर दर्यांत
तारया बगर व्हडीं.
हे नात्याचे पास कसले आसतात काय
केन्ना उचंबळ दर्या केन्ना खोल थीर बांय
नातीं अशीं गोफ कशीं
माये धाग्यान घुस्पतात
उतरान काळजां तोडल्यार
खिणांत अशीं फाफसतात.
हे नात्याचे पास कसले आसतात काय
केन्ना वडाचीं मुळां केन्ना दुदावेली साय
सुर्याचें तेज नात्याक
नात्याक चंद्राची शितळसाण
जावं मानिल्ली जावं रक्ताची
नात्याक मायेची ओलसाण
ह्या नात्याचे पास कसले आसतात काय
केन्ना दर्याची खोलाय केन्ना मळबाची उंचाय.



शणै गोंयबाबाचे बरपावळिचो प्रभाव

फेलीस्यु कार्दोज

आग्वादाचे बंदखणींत सांजे वेळार केन्ना केन्ना आमची भासाभास, भाशणां बी जातालीं. एका दिसा हांवें उलोवप केलें. उलोवपाचो विशय कितें आसलो तो उगडास जायना. हांवें भाशण केलें. हांव बेस बरो उलयलों म्हण म्हजो समज जालो. दुसऱ्या दिसा सकाळीं पांडुरंगबाब मुळगांवकारान हांसून म्हाका म्हळें: ''फेलीस, काल तूं उलयला ती कोंकणी? ती आयकूंक कायचेकाय दिसताली...'' पांडुरंगबाबाच्या उतरांनी म्हजो अहंकार दुखवलो. म्हाका वायट दिसलें. कोंकणी कशी उलोवंक जाय, वाक्यांत क्रियापद खंयचे सुवातेर आसूंक जाय, हे विशीं ताणें म्हाका सुचोवण्यो केल्यो.

पांडुरंगबाबान घरच्यांकडल्यान शणै गोंयबाबाचीं पुस्तकां हाडून घेतलीं. रातचें जेवण जातकच एक वर तो म्हाका शणै गोंयबाबाचें बरप वाचून दाखयतालो. पूण म्हजी एक फजेत जाताली. दर चार उतरां फाटल्यान एका उतराचो अर्थ म्हाका कळनासलो. म्हाका विचारचो पडटालो. पांडुरंगबाब मातूय उबगेनासतना म्हाका कठीण लागतल्या उतरांचे अर्थ पुतुगिजींतल्यान दितालो. उतरां मराठी बी काय म्हण म्हाका दुबाव येतालो. एकदां हो म्हजो दुबाव हांवें ताका सांगलो. ''शणै गोंयबाब एका वेळार पुतुगिज वा दुसरे भाशेचें उतर वापरीत, पूण मराठी शब्द वापरचो ना.'' ताणें म्हळें.

जायते म्हयने आमचो दोगांयचो वाचपाचो कार्यक्रम चल्लो. शणै गोंयबाबाच्या पुस्तकांतल्या 'कठीण' उतरांचे हांवें पुतुगिजींत अर्थ बरोवन घेतल्यात. त्यो ४-५ चोपड्यो जातल्यो. हे परीं हांवें शणै गोंयबाबाची चडशी सगळी बरपावळ वाचून काडली. तेन्ना कोंकणीचे निसणिचेर ते कितल्या वयल्या पांवड्यार आसात आनी हांव खंय आसां तें म्हाका समजून आयलें. रोमींत कोंकणी बरयतात तांणी नागरी लिपी शिकूंकच जाय आनी शणै गोंयबाबांचीं पुस्तकां वाचूंकच जाय म्हण म्हाका स्पश्ट दिसलें.

'आबे फारीय' हें चरित्र शणै गोंयबाबान बरयलां. ह्या पुस्तकाची प्रस्तावना प्रॉपेर्सिय कुर्रेय आंफोसबायेन बरयल्या. ते प्रस्तावनेंत प्रॉपेर्सियबायेन शणै गोंयबाबाची सर स्टिफन ज्वैग ह्या ऑस्ट्रियाच्या लेखकाकडेन केल्या. दुबावा विरयत शणै गोंयबाब स्टिफन ज्वैगा परीं भौतासांचो बरयणार. आग्वादाचे बंदखणींत स्टिफन ज्वैगाचीं जायतीं पुस्तकां (पुतुगिज भाशांतरां) म्हाका वाचूंक मेळ्ळीं. आल्वारु पेरेयरबाबाकडेन तीं आसलीं. खरेपणी ज्वैगाच्या पुस्तकांचो म्हजेर बरो परिणाम जालो. बंदखणींत शणै गोंयबाबाच्या पुस्तकां शिवाय थोडीं दुसरीं कोंकणी पुस्तकां म्हाका वाचूंक मेळ्ळीं. पयलीं पयलीं नागरींत म्हजें वाचप खूब सवकास जातालें. पूण दीस वतां वतां म्हजो वेग वाडलो. हांव नागरींत बरोवपाचीय संवंय करूंक लागलों.

एक याद जाता. १९५२ वर्सांतली गजाल. तेन्ना हांव २० वर्सांचो तरणाटो. मुंबय एस्.एस्.सी.ची परिक्षा दिवंक गेल्लों. कुलाबा श्रीमती एलीस ज्युलियन हिच्या फ्लॅटांत रावतालों. तागेर मंगळूरचो एक भुरगो – फ्रांसिस मथायस – कामाक आसलो. एका दिसा ताका एक पत्र वाचतना हांवें पळेलो. तें कसलें पत्र काय म्हण हांवें ताका विचारलें. तें 'सुख-दुख' कोंकणी पत्र म्हण ताणें सांगलें. कोंकणी पत्र म्हणटच म्हाका बास्काय जाली. (तेन्ना हांव रोमी कोंकणी पत्रांचेर बरयतालों.) पत्र हातांत घेतलें, पूण तें म्हाका वाचूंक येना जालें. ती लिपी कानडी आनी मंगळूरकार हे लिपींत कोंकणी बरयतात-वाचतात म्हण फ्रांसिस्कान म्हाका सांगलें. हांवें ताका तें पत्र व्हडल्यान वाचूंक लायलें. भास आमचीच – कोंकणी. म्हाका समजली. केन्नाय पूण कानडी लिपी शिकतलों म्हण हांवें मनांत निचेव केलो.

माय म्हयन्यांत ज्युलियन कुटुंब थोड्या दिसांक गोंयां येतालें. फ्रांसिसूय वांगडा आसतालो. केन्नाय तो त्याँ कुटुंबाच्या भुरग्यांक घेवन सुरावले म्हगेर येतालो. (उपरांत तो म्हाका मेळूंक ना. तो तारवटी जाल्लो आनी कर्नाटका कारकाला गांवांत रावतालो म्हण कोणें म्हाका सांगललें.)

१९५४ वर्सा बंदखणींत हांवें नागरी लिपी शिकून काडली. कानडी लि शिकूंक सोदतालों. आमच्या सांगाता कृष्ण नंबियार आसलो. तो दक्षी भारती. ताका कानडी लिपी येता काय म्हण हांवें विचारलें तेन्ना ताणें ह म्हळें. ताचेकडल्यान एका कागदार कानडी अक्षरां बरोवन घेतलीं. ता तीं बरोवन दिलीं. पळोवंक सुंदर दिसतालीं – जिलब्यां सारकीं. हांव त शिकतालों. कांय म्हयन्यांनी आग्वादाचे बंदखणींत आनीक कैद्यांक हाडू दवरले. तांचे भितर एकलो मंगळूरचो कोंकणी उलोवपी आसलो – मोह राव. ताणें म्हाका सांगलें, हांव कानडी म्हण जी लिपी शिकलां ती कान न्हय म्हण. तेन्ना म्हाका कळ्ळें, नंबियारान म्हाका कानडी म्हण मल्याळ लिपी शिकयल्ली!

उपरांत हांवें 'मराठी कन्नड शिक्षक' पुस्तक हाडून घेतलें आनी ताच्य आधारान कन्नड लिपी शिकलों. पूण हे लिपींत बरयललें कोंकणी पत्र वाचतल म्हळ्यार तें मेळनासलें. तेन्ना भारतांतलीं नेमाळीं गोंयांत येवपाचीं पुतुगि सरकारान बंद केल्लीं.

१९५८ वर्सा म्हजी सुटका जाली. कानडी लिपींतलें कोंकणी पत्र मेळोवपा हांवें जायते प्रयत्न केले. तसलें एक पत्र मडगांवचे कुर्रेयींत (टपाल घरांत केन्ना केन्ना येता म्हण कुर्रेयकारान एक दीस म्हाका सांगलें. तो कुर्रेयका – सदानंद (ताका दिनाय म्हणटाले) म्हजो इश्ट आसलो. टपालाचे अधिकार भारतांतलीं नेमाळीं आडावन दवरताले आनी उपरांत तीं लासताले. हेवर तेंय लासपाक वतालें. तसलें पत्र ताच्या हाताक सांपडल्यार म्हाका दिवं हांवें दिनाकडेन मागलें.

एका दिसा ताणें एक पत्र गुपतीं हाडून म्हाका दिलें. पत्र आसलें 'राकणो' तें मंगळूरच्यान भायर सुट्टालें. हांवें तें वाचपाक सुरू केलें. सुरवातेक आठ-ध वळी वाचूंक म्हाका सुमार अर्द वर लागलें. हांव प्रयत्न करीत रावलों. थोड्य दिसांनी म्हज्यान सवकासायेन तें वाचूंक जालें.

नुवेंच्या माद्रिंच्या कोंवेंतांतले एके सिस्टरीक 'राकणो' पत्र नेमान येता पूण तें तिका पावनासलें. पुतुगिज अधिकारी भारतांतलीं वर्तमानपत्रां जप करताले. दर सप्तकाक म्हाका 'राकणो' लिपचोरयां वाचूंक मेळटालें. वाचू जातच हांव तें कुर्रेयकाराकडेन परत दितालों. 'राकणो' पत्रार राजकार येना. चडशीं धर्मिक बरपां येतात देखून, जाता जाल्यार तें ते सिस्टेरी पावतें कर म्हण हांवें ताका सांगलें. ते परमणें कुर्रेयकार फावतालें तेन्न म्हाका 'राकणो' वाचूंक दिवन मागीर तें ते सिस्टेरीक धाडून दितालो.

उपरांत मुंबय आसलले म्हजे इश्ट म्हाका केन्ना केन्ना 'कोंकण दायज' धाडून दिवंक लागले. चाफ्राबाबान (सि.एफ.द. कॉस्ता) मुंबयंत 'विशा कोंकण' साताळें सुरू केल्लें. तें म्हाका तो नेमान धाडूंक लागलो.

१९-१२-१९६१ ह्या दिसा गोंयची सुटका जाली. गोंयांत मेकळें वा व्हावंक लागलें. भारतांतलीं नेमाळीं मेकळेपणीं गोंयांत येवंक लागलीं. 'राकणो पत्रय सोपेपणी मेळूंक लागलें. १९९८ वर्सा देजेंब्रांत 'राकणो' साताळ्या ६० वर्सां पूर्ण केलीं. ह्या समयार ताच्या संपादप्याक – फा. सामुएल सिक्वेरा – आदल्या संपादप्याक – मों. अलेकजांडर सौजाक – आनी सगल्य कारभाऱ्यांक परबीं दिवन हांवें संदेश धाडलो. 'राकण्या'च्या वज्रोत्सवाच्य विशेश आंकार हांवें बरोवन धाडलले दोन लेख उजवाडाक आयल्यात.

(चलत

साहित्य नियाळ

़नरजोती: अणभवाचो चुरको, अनुभूतिच्यो चंदरजोती

ः किरण बुडकुले



आयज **तनरजोती** ह्या कवितांझेल्याविशीं बरयतना एक याद जागी ़ती. सुमार देडेक वर्सा आदीं रमेश वेळुस्कारांक पन्नास वर्सां जालीं हें देसाळ्यांतल्यान तांचेविशीं बरयिल्ल्या लेखावेल्यान – आनी उपरांत , ़बरें मागप्यांकडल्यान – कळिल्लें. तेन्ना व्यक्ती परस पयलो विचार ़चो आयलो आनी कवीक लेखून एक व्यक्तिगत नोंद डायरेंत जाली: ़यच्या भांगरांत बांदूंक जाय फायची वज्रकणी.' ताचे फाटोफाट कविले ़तेक अनुलक्षून आपशींच उतरांची लडी अवतरली: ''वर्सां येती, वर्सां ़ / सालोनसाल जळटी वाती / लागता दिवे, पेट्टा पण्टी / विरून ़ा तमस राती / सासणमाय ती मनमुक्ताय / अखंड सादयता 'उगड ़ो' / हिरण्यगर्भ पर्जळून ज्योति / पुनरपि दिपकाय दिका धायी ।''

आज **तनरजोती**च्या काव्यमळावेल्या उद्घाटनान रमेश वेळुस्काराले ़तेचो उजवाड पुनरपि फांकारला. आनी विशेश म्हळ्यार, पुनरपि ज्योती ़ळावपाच्या काव्यमोग्यांचे मूक विनंतेक नकळटां कविते वरवींच न्हय ़ संग्रहाच्या माथाळ्यावरवीं लेगीत प्रतिसाद मेळ्ळा. हो निखटोच एक ़योग काय अनुभूतिच्या मळावेलें पूर्व-निर्धारीत घटीत हें अल्पमती ़क्षेक सांगूंक येना. मात हाका लागून **तनरजोती**चे गूढवादी सायेक ़ीक गडदसाण – म्हजेपुरती तरी –लाभता.

तनरजोतीविशीं बरयतना, अशे परीन अज्ञाताच्या वाठारांतले संदर्भ ़जून येवप हें कोणाकय नवलायेचें दिसलें तरी खरेपणान तें अजाप ़य. नांवान तशी अनुभूतिनय, **तनरजोती** ही तंद्री आनी दिश्टावो हांचीच ़ तरल अभिव्यक्ती. आत्मनिश्ठ कविमनाचे चिरंतनाचे भोंवडेंतल्यान ़दिल्लो एक नांदमय आनी काव्यमय आविश्कार. ह्या आविश्काराफाटल्यान ़कुऱ्या उतरांची म्हौंवी होंवी आसा खरी, पूण ती होंवी जळवणे जिणेची ़ळमळ' सोंशीत साकारल्या आनी भूतकाळाच्या ज्वलंत उगडासांनी तिका ़मा घाल्या. देखुनच ती उतरांच्या नाचऱ्या 'मेरांर / स्मरणाचें केण' ़यता. मात सहज सुलभ दिसुनय, लक्षांत घेसारकी गजाल म्हळ्यार, ़ नाचरीं उतरां कवीक सोंपेपणीं वश जायनात. तांच्या मुळांत वेदनेची ़ तर आसाच, सर्जनाच्यो कळाय आसात. देखून कवी म्हणटा, ''तुज्या ़स्तित्व / स्तवनाक / जीव उब्यानी / तिश्टता ॥ व्हड अटंग वाचस्पती ़उतर फळयतना / कश्टता'' (कवीत: १७, पा. २४). अप्रुपाये गजाल ़ळ्यार, खुद्द कवीक ही कश्टणी वजें कशी दिसना; घडये ती ताची ़णे-साधना आसुंये वा तागेल्या अंतरीक यथार्थाचो स्थायीभाव आसुंये. ़ा अशें म्हणचेलें कारण म्हळ्यार 'तनर' ही कवीखातीर फकत एक ़स्थिती' वा 'स्थित्यंतर' न्हय; ताचे नदरेन 'तनर' ही मनाची नित्य ़रणा'. हेरां खातीर तनर हें साध्य आसता – साधनेंतल्यान तपस्येंतल्यान ़प्त जाल्लें फळ! पूण कविली 'तनर' ही तागेलीच साधना! देखून ़का **तनरोत्सव** मनयन दिसता; ''रुवांरुवांचेर / कातींच्यो वाती करून'' ़वी म्हणटा, ''हांवें **तनरभर** दिपरल्यां लायलीं'' (रेखांकन म्हजें, कवीत : ़, पा.२५). हांगा 'तनर' ही कवी खातीर फकत एक स्थिती वा भाव ़साशी दिसना. ती ताचे खातीर 'अवकाश' लेगीत जाता. ह्या दुसऱ्या ़र्थान पळेल्यार 'तनर' हीच ताचे खातीर सर्व-आस्पावणी वास्तविकताय ़रता. हाची गवाय फुडल्या वळिंनी मेळटा. ''तुजें अस्तित्व / स्तवन ़ म्हजे तंद्रेंत / वस्तीक / मस्त तनर / ही अशी / हांवें घातल्या ़ फस्तीक.'' (कवीत १७, पा. २४). हांगा 'तनर' ह्या उतराची दुवार्थी प्रचिती मेळटा. पयल्या उल्लेखांत 'तंद्री' ही ('अनादि अस्तित्वा'ची) निरंतर सासाय स्तवनावरवीं 'वस्तेक' बाळगुपी आत्मविलोपी भावना. ही कवितेंतली पारलौकीक वास्तवताय! दुसऱ्या उल्लेखांतली 'तनर' प्रपंचीक आसा. ही 'तनर' साध्य न्हय, ती साध्यामेरेन व्हचपें निखटें एक माध्यम. देखून कवी तिका अशें परीन 'फस्तीक घालूंक' शकता.

पूण प्रपंच आनी परमार्थ हे मनीस-मतीन केल्ले मानव अनुभूतिचे वांटे. कवीक लाभिल्ले व्यापक नदरे सामकारा ते तिगनात. आनी म्हूण, तागेल्या पूर्णाक वेंगावपी अभिव्यक्तींतल्यान ते एकाच यथार्थाचीं वेगळावंक जायना अशीं दोन रुपां जावन प्रगटतात. अशे तरेन, **तनरजोतीं**त संवसारीक आनी संवसारापेलें हांचें जें अद्वैत आसा तें फकत उतरांतल्यानच न्हय तर त्या उतरांक फळोवपी कविल्या तादात्म्य भावांतल्यानय उक्तावता. कवीन हो अद्वैताचो दिस्टावो **उजवाड–सुवाळो** कसो अणभवला हाची गवाय तागेली काव्य-नदर बेस बरी सामकारायता. कवी खातीर, ''ह्या जगाभायर / एक ज्योत थंय जळटा / संवसाराक उजवाडावपी / ते जोतींत / म्हजे नदरेची जोत / आनी एके / तनरजोतींत हांव / नाच्च जातां / दोळो / सर्वंग सुवाळो'' (कवीत: १, पा. ८). जंय अशे तरेन 'हांव'च विलीन जाता, थंय सिमीत आसा ताकाच असीमाचें रूप (खरेपणान 'अ-रूप') येता. कविली ही तादात्म्यताय आकळटलो जाल्यार वाचप्याक उजवाड, दिश्टी आनी लय हांची जाणविकाय आपलेमदीं केळोवची पडटली. ह्या तिगांच्या सुमेळ-सुवाळ्यांतच आप आनी पराचो वेगळेचार विरून वता. परात्मतायेचो लोप जाता. **हांव** आनी **तूं, अहम्** आनी **तद्, हांगा** आनी **थंय** हांच्या एकचाराची लय होलमता. मागीर कवी, ''तुज्या हाताचो तद्रूप स्पर्श'' आनी ''तुज्या वेंगेंतुली वैश्वीक हुनसाण'' हांचेवरवीं जिवा-शिवाची एकरुपताय कशे परीन अणभवता, हाची अनुभूति वाचप्याकय घेवंक मेळटा. तेन्ना वाचप्याक ''तुजें सगळें तुजेपण / म्हजें म्हजेपण'' कशें कितें जाता हें सहज आकळटा. थंय मागीर विरोधोक्ति वा विरोधाभासाचे पास अर्थाक बांदून दवरूंक पावनात. विशेश म्हळ्यार, तूं आनी हांव हें 'प्रपंचीक **नातें**'

लेगीत संवसारीक यथार्थापुरतेंच मर्यादित उरना. संवसाराचे फास्केंत, प्रपंचाच्या संदर्भांत तें लटकें आसुनूय ताची परमार्थिक व्याप्ति विशाळ आसा. संवसारापुरतें पळेल्यार 'हांव' आनी 'तूं' हीं मेळून एक नातें – एक अनुबंध – जाता. संवसाराभायर – पारलौकीक नदरेन पळेल्यार 'हांव' आनी 'तूं' मेळून बंधनमुक्त, लौकीक 'आस्तेपणाविरयत' घडिल्लो एकवट. 'आसप' सोंपून मेळटा तें – **ना तें.** देखूनच कवी म्हणटा, ''तुजेखातीर मेळटा, नातें, नातें.'' (कवीत: १६, पा.२३). हांगा 'नातें'वेलो श्लेष, दुवार्थाचो हयन्हयसो शिंतोडो फांफडून कवितेक खूब अर्थगर्भी करून सोडटा.

तनरजोतीचें एक खाशेलेपण म्हळ्या ही आशयघनता. मात आशयाचे गाड सायेक लागून कवितेची गोडी उणावना. वाचतनाय ही कविता लालित्य, नाद, लय, रंग आनी भाव हाचें भौपानी अस्तर उतरांक लावनच अर्थाचें हूल दिवपी फूल फुलयता. अर्थाचें हें भौ-पाकळ्यांचें फूल वाचप्याचे समजिकायेंत थिरावना, तें 'फुलपाकुल्या पावलांत' भुर्रदिशीं उडून वचूंक पळेता. संदर्भाच्या वेगवेगळ्या मळ्यांनी तें वेगवेगळ्या रंगांचें जावन धोलता आनी वाचप्याकय 'घनरंगांची झींग' हाडूंक पळेता. देखून 'सर्वात्मकाचें निर्गुण रूप / आकारून येतकूच' कवी जेन्ना म्हणटा, ''आमकां सगळ्यांकूच / तुवें भूल घातली'' (कवीत: ३४, पा. ६३) तेन्ना ताचे कवितेकय तेंच विधान लागू करीनशें दिसता. इतलेंच न्हय, तर कवी वांगडाच विचारीन दिसता, ''तुज्या महाआयावपणाचें / हें पेणें / नेणारांक हें / कळचेंच ना तरी कशें म्हणप...?'' (कवीत: ४५, पा. ६३).

रमेश वेळुस्काराचे कवितेक गूढवादाचो वसो आसा अशें म्हळ्यार वाचप्याक अजाप दिसचें ना. पूण हो गूढवाद बऱ्याच प्रमाणांत ब्लैकाच्या गूढवादाचो दायजी आसा, अशें म्हळ्यार वाचपी अजापतलो. घडये विश्वासय दवरचो ना. हाचें कारण म्हळ्यार ब्लैकाचो गूढवाद अतिशय रम्य, सोंप्या, उक्त्या आनी म्हूण सहज आकळपी भावकवितेंतल्यान उदेला. ब्लैक वाचप म्हळ्यार अनाकलनियाची गोडसाण सुलभ आनी आकलनियाच्या पोशान पिवप. तागेलीं प्रतिकां, तागेलें सैम आनी तागेली अनुभूति उत्कट आसुनूय, उत्स्फूर्त आसूनय, बालसुलभ आनी म्हूण ओडलायणीं आसतात. **तनरजोतीं**त सुलभतायेच्या आभासांत अर्थाचीं संक्लिष्ट कुवाडीं वावुरतात. हीं कुवाडीं तशीं पळेल्यार अगम्य न्हय पूण सहजप्राप्यय न्हय. अणभवांचो वाठार माड्डिले बगर आनी नेणविकायेचीं झिलां पैसावलेबगर तांचो गर्भितार्थ हाताक लागना. शब्दश: मेळ्ळो तरी लाक्षणीक अर्थान तो सहज वश जाय्ना. कारण ताचो वाठार हो चेतन-अचेतनाचो मोनो प्रांत. ताच्यो शिमो बोध-अबोधाच्या अदृश्य धाग्यांनी मेटल्यात. कविलीं **स्पर्शोत्सवाचें** वर्णन करपी उतरां अर्थाच्याय ह्या स्पर्श-अस्पर्शाच्या खेळाक ज्युस्त लागतात. कवी म्हणटा, हो स्पर्शोत्सव ''तनरांची आलतड पलतड / नासलेलो / विराटांचे राट / सोप्पेपणान समजावन दिवपी / मनाच्या उपाट मेकळेपणांत केळोवपी / नि:शब्दाच्या आधारान.'' (कवीत: ४७, पा. ६५).

वेळुस्काराची कविता नि:शब्दाच्या आधारान उलयता, शब्दांचें तालबद्ध, नादपूर्ण, लयबद्ध आंगलें घालुनय, मौनाचें एक खाशेलें पांगरूण अर्थाक गुठलायता. वाचप्याचे संवेदनशीलतायेक ह्या मौनाची सोबिताय आफुडली जाल्यार ताका अर्थाचीं साबार तासां वश जातात. ना जाल्यार तो उतरांच्या मनभुलोवण्या खेळांत रंगून शब्दार्थावांगडा आपालिपा खेळपांतच गुल्ल जाता. देखीक,''दोळियांच्या पार / अंतरांच्यापार / सर्वांगांच्या पार / तुजो म्हजो पार // तुज्या चक्रार / म्हजो पार / म्हज्या पारार / तुजें छत्र / तुज्या छत्रार / म्हजो सूर्य / म्हज्या सुर्यार / तुजें मळब / तुज्या मळबार / हांव आनी हांव / म्हज्या मळबार / तूं आनी तूं // असल्या म्हाकां / असल्या तुकां / नांव कोणे / दवरूं नाका /''. (कवीत: ७१, पा. १०१).

तनरजोतीची प्रतिमास्रश्ट सैमिक आनी सचेत विश्वाची घडयेघडयेक गवाय दिता. सर्जनाची चक्राकार लय, विराटाची अद्भूत गती, अनंताचें विशाळ रूप आनी निराकाराची ब्रह्मसमाधी हांकां आस्पावंक धडपडपी काव्यानुभवाक चैतन्य, निर्मणी, वाड आनी तांची पुनरावृत्ती केळोवपी प्रतिमाच साकारूंक शकता. देखून, **तूं** आनी **हांव** ह्या दोन सर्व-संवकळिच्या, सर्व-आस्पावण्या, स्थूळ प्रतिकांतल्यान उलोवपी ही कविता प्रतिमांचें गहन मालेंच उक्तायता. जीवसाण आनी कालातीतपण हे गूण निरंतर बाळगुपी कविलीं दोनूय प्रतिकां, पंचेंद्रियां, पंच-म्हाभूतां, सृजनाचे समस्त रंग हांचो उपेग करुनच भोंवतणची प्रतिमासृश्ट घडयतात. अनादि, अंतहीन चक्राकार संभव हे प्रतिमासृश्टिचो मूळाधार. ह्या मूळाधारांतल्यानच तनरजोतींत ''नातें ना तें / म्हण्टां / जुळत येता नातें / आनी पात जावन / परमळटा / तुजें म्हजें / तनरांचें पातें'' (कवीत ७७, पा. १०७).

अशे हे परमळीत, पर्जळीत **तनरजोती**क केण आनी स्मरण हांच्या उर्जा-उजवाडाचें रंगोत्सवी मुखपृष्ठ घालून दिबंर शिंगबाळ हांगेल्या अणभवी आनी तादात्म्य पिशोलान नटयल्या. नदर आनी मन आकर्षित करपी ह्या तनरसुवाळ्याक रंगांचो उद्रेक आनी प्रकाशाचो साज अदीक सजीव आनी उत्सवी करता. दोळ्यांक थाकाय दिवपी छापणावळ आनी नेटकी मांडावळ हांकां लागून न्यू एज प्रिन्टर्सांच्या येसा तुऱ्यांत आनीक एक पांख लागलां अशें म्हणचें पडटा. सोबीत बांदावळ आनी उठावदार गॅटअप लाबिल्लो हो कविता-संग्रह वाचप्याक अंयशीं रुपयांत फावो केल्लेखातीर अगस्ती प्रकाशनाक परबीं. कवीन आपले सदचे शैलींत अर्पणपत्रिकाय दुवार्थी करून उडयल्या. 'मीथ – हें मिथिलेशाचें लघुरूप काय जिवीत-मिथकाचें आटीव रूप हें कळटासर कविता वाचून जाल्यो आसतल्यो.'

मात हो संग्रह वाचतना, कांय कडेन काव्याक अनुरूप अशी मेकळीक घेतना स्वातंत्र्याचो उपेग स्वाधिनते परस अनाधिनता कसो केला, हें खटकता. देखीक, 'सर्वंगान लख्ख लख्ख / पेट्टनाय / ताकाय फुडाराच्यो पंट्यो / पेटोवपाची ही नस्ती संवंय'' (कवीत: ५५, पा. ७८). 'सर्वंग', 'पंट्यो' हे उपेग कविली खाशेली सवलत म्हूण आडनदर केली तरी आवडनात. तशेंच 'काश्सटां', 'जागृत', 'म्हैमोगाची' हीं उतरांय बळयां आयल्यांत अशें काय दिसून, वाचतना थोडोसो रसभंग जाता. पूण तो थोडोच वेळ. रोखडेंच वाचप्याक ''तरत येता उतरांतल्यान / ॐकाराच्यो कुरवो / झंकारंत रत कुरवो / झडटा जावन पुरवो / शब्दाचीं अब्दागिरां'' (कवीत: ७५, पा. १०५)चें सौंदर्य भुलयता. तरी लेगीत तेच कवितेंतलो ''गिरगिरपी आफताब / मळबांकूय नकळटांच / थरत येता गाब'' हो उल्लेख थोडोभोव गिरगिरायताच.

इतलें आसुनय ''प्रियाळांच्या आगमनाचे / साक्षात्कार'' घडोवपी आनी ''तंद्रेच्या शुभंकरांतल्यान'' परमळीत ''संवेदन मोगाळे'' भेटोवपी कवितेची गोडी आनी लक्तुबाय दोळ्यांआड करप शक्य ना. ही कविता आस्वादतना जी विलक्षण अनुभूति येता तिचें वर्णन कविलेच प्रतिमेंतल्यान करी सारकें आसा. ती प्रतिमा फुडल्या वळींतल्यान प्रगटता: ''... मंडोळ्यांच्या / पिंपळा पानार / म्हजी कृष्ण आस / आपल्याच पायांचें / आंगठ्याचें बोट चोखीत / वाट काडटा / युगाब्दांची / मलप्यांच्या कवडार बसून'' अशी ही कुकूली, मनभुलोवणी, बालकृष्णी अनुभूति दिवपी **तनरजोती** म्हळ्यार सताची पर्जळीत चनरजोत! चुरको आनी पर्जळाची जुंवळी किमया करपी कवितेक मनासावन येवकार.

तनरजोती
रमेश भगवंत वेळुस्कार, १९९९
अगस्ती प्रकाशन
पानां: १०९, मोल: ८० रु.

जाग

वर्स २६ ◇ आंक ७ ◇ फेब्रुवारी २०००





विलासराव देशमुख
मुख्यमंत्री

२६ जानेवारी २०००

लोकशाही आघाडी शासन

तुमचे स्वतःचे शासन!



छगन भुजबळ
उप मुख्यमंत्री

हार्दिक शुभेच्छा!

राज्य घटनेची ५० वर्षे

शासनाचे १०० दिवस

निश्चित दिशा - ठोस कार्यक्रम

प्रत्येक जिल्ह्यासाठी १०० नवीन जलसंधारण कामे व ३० कि. मी लांबीचे डांबरी रस्ते • २५,००० नवीन पंपसंचांना वीज पुरवठा त्यासाठी आदिवासी, दलित तसेच दशलक्ष विहीर योजनेतील लाभार्थ्यांना प्राधान्य • १०,००० मागासवर्गीय कुटुंबियांच्या घरांसाठी वीज पुरवठा • ग्रामीण भागात मंडळ मुख्यालयात ग्राम सचिवालय-[illegible] सर्व कर्मचारी एकाच ठिकाणी उपलब्ध • १५,००० प्राथमिक शिक्षकांची 'शिक्षण सेवक' म्हणून मानधनावर भरती • ग्रामीण भागात ३,००० नवीन शाळा खोल्या • ४,५०० शाळांमध्ये मुलींसाठी स्वच्छता गृहे • माध्यमिक शिक्षकांना संगणक प्रशिक्षण • प्राथमिक शिक्षणाचा दर्जा उंचावण्यासाठी उपाय योजना • जवाहर विहीर योजनेअंतर्गत जादा १,६५० विहिरी • अनाथालयातील मुलींच्या लग्नासाठी १५,००० रुपयांचे अर्थसहाय्य • स्वर्ण जयंती कार्यक्रमांतर्गत ९,९०० स्वयं-सहाय्यित गटांची स्थापना • पोलीस दलाची पुनर्रचना • शासकीय यंत्रणेचे उत्तरदायित्व वाढविण्यासाठी नागरिकांची सनद •



महाराष्ट्र परिचय केंद्र-गोवा, माहिती व जनसंपर्क महासंचालनालयातर्फे प्रसृत

ाग

◇ आंक ७ ◇ फेब्रुवारी २०००

: रवीन्द्र केळेकार

संपादपी : माधवी सरदेसाय

ावपी : सुमन्त केळेकार
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय.

ळणी : तन्वी ग्राफिक्स,
बी-०४, आषाढ, माडेल, मडगांव.

: प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स,
कुंड्य इंडस्ट्रियल इस्टेट, कुंड्य, गोंय.

त्र : पाब्लो पिकासो, १९५४

ह्या आंकांत

ी पटी	:	रु. १००/-
ार्थ्याखातीर	:	रु. ७५/-
वर्सांची पटी	:	रु. २५०/-

ा ड्राफ्ट Jaag Monthly च्या नांवाचो आसचो.
मडगांव मायले बँकेचो आसल्यार रकमेंत
पये अदीक जोडचे)

ी नामो :

ा म्हयनाळें
ी, सालदेल अपार्टमेन्ट्स
साउदादिश, पाजीफोंड,
– गोंय ४०३ ६०१.

ड आंकाचें मोल : रु. ९/-

नदर संपादप्याची

कुटुंब नियोजना प्रचारा फाटलें राजकर्ण

अंदूं वर्सा खंय देशांत अन्न खूब पिकलें. खूब म्हळ्यार कितलें? शंबर कोटी लोकांक पावत इतलें? कोणूच स्पश्ट सांगिना. म्हळें, कितलेंय पिकूं, देशांत तें उरपाचें ना. 'परकी चलना'ची आमची भूक तें देशांत उरूक दिवपाची ना. सगळें मायर वतलें. जर्मनी, फ्रान्स, इंग्लंड, अमेरिका, जपाना सारके 'भकारे' देश संवसारांत आसात. ते खातले.

लोक वसतिचे नदरेन हे देश संवसाराच्या चौथ्या वांट्या येदेय न्हय. पुणून संवसारांत जें कितें पिकता ताचे तीन वांटे हेच देश खायत आयल्यात. लोकवसतिचे नदरेन तांचे परस तीन वांट्यांनी व्हड देशांक खावपाक फकत एकूच वांटो उरता. मागीर क्यल्यान 'तुमची लोकसंख्या वाडटा, लोकसंख्या वाडटा... ती आळाबंदा हाडात... ना जाल्यार तुमच्या फुडल्या पिळग्यांक खावपा खातीर कांयच उरपाचें ना' अशें मोट्या मोट्यान आमकां सांगीत आसतात.

आमची लोकसंख्या वाडटा, दुबावूच ना. ती आळाबंदा हाडूंक जाय हेय विशीं दुबाव ना. लोकसंख्या आळाबंदा हाडली ना जाल्यार आयज पिकता ताच्या चार वांट्यांनी चड अन्न आमकां पिकोवचें पडटलें अशें म्हणटात तेंय फट म्हणूंक येना. पुणून पिकता तें आमी आमची 'परकी चलना'ची भूक भागोवपाक हांकां विकपाक लागले जाल्यार धा वांट्यांनी चड अन्न पिकोवनूय तें पावपाचें ना.

कांय आंकडे वाचिल्ले – एक जपानी वा एक अमेरिकन मनीस पानार खंय अन्न सांडटा तेंच खंय चार हिन्दुस्तानी लोकांक पावत इतलें आसता. अतितायशी दिसता. पुणून सत्यस्थिती ही. ह्या लोकांक 'तुमी अन्नाची नाशाडी चलयल्या ती मात्शी थांबयात' अशें सांगूंक जाय. 'संवसारांत उपाशीं कोण पडचो ना.'

पुणून तांकां हें कोणूच सांगिना.

उर्जेचोच प्रस्न घेवया. हिन्दुस्तानांतलो गांवांत रावपी मनीस जितली उर्जा वापरता ताच्या पांच वांट्यांनी चड उर्जा खंय ह्या भकाऱ्या देशांतल्या गांवांत रावपी मनीस वापरता. आनी शारांतलो? शंबर वांट्यांनी चड. संवसारांतलो चौथ्या वांट्या इतलोच हो लोक पंच्यायशीं प्रतिशत लाकूड आनी अंयशीं प्रतिशत पेट्रोल आनी डिझेल वापरता. अमेरिकेंतलो खंयचोय नागरीक चिनी नागरिका परस पंदरा वांट्यांनी चड तर आफ्रिकी नागरिका परस पंचवीस वांट्यांनी चड उर्जा वापरता. देवान सगळी उर्जा जशी कितें हांचेच खातीर निर्माण केल्या! लोखंड? ब्यास्तर प्रतिशत ह्या लोकांक मेळटा. अठ्ठावीस प्रतिशत आशिया, आफ्रिका, दक्षीण अमेरिका हांच्या वांट्याक येता. स्वित्झर्लंड येदोसो एक देश. ह्या देशाचो सरसमान नागरीक संसाधनांचो जो वापर करता तो तांझानियांतल्या गिरेस्त नागरिका परस चाळीस वांट्यांनी चड आसता.

ह्या भकाऱ्या देशांची भूक कशीच भागना. आनी गरीब देशांची गरिबाय कशीच ना जायना. भकाऱ्यांची भूक वाडत वता तितली तितली गरिबांची गरिबायूय वाडत वता. इतलो दाट तांचे भुकेचो आनी आमचे गरिबायेचो संबंद.

हिन्दुस्तान गरीब उरलां तें हांगासल्ली लोकसंख्या वाडटा म्हूण काय ह्या गिरेस्त देशांची भूक दिसीं दिसीं वाडत गेल्या म्हूण?

संवसारांतलें पर्यावरण विखाळ करून उडयलां तें ह्याच देशांनी. ह्याच देशांनी ओझोनच्या थराक व्हडले व्हडले भोंकनोळ घाल्यात. संवसारांतलीं रानांय ह्याच देशांनी नां केल्यांत. एका जपानान फिलीपीन्सांतलीं सगळीं रानां कावार केलीं. घाना नायजेरिया सारके आफ्रिकी देश स्वतंत्र जाल्यात तेन्ना रानांनी कुचकुचीत भरिल्ले आशिल्ले. थंयचें अंयशीं प्रतिशत रान येवरोपान पंचवीस वर्सां भितर ना केलें. ब्राझिलांतलें आमाझोनश् एकूच रान पुराय धर्तरिक प्राणवाय (ऑक्सीजन) दिवपी. ब्राझिलचें सरकार हें रान 'निवळ करपाक' सद्या नेटान वावरूंक लागलां. कित्याक? ब्राझिलांतल्या धनीक व्यापाऱ्यांक गोठे बांदपाक सुवातो जाय. गोठे कित्या खातीर? गायां खातीर. गायो कित्या खातीर? दुदा खातीर? च्ये च्ये. मासा खातीर. गायच्या मासाक अमेरिकेंत आकांताची मागणी. खूब पयसो मेळटा. पयशां खातीर हे लोक आमाझोनश् रान निवळ करपाक लागल्यात! 'इकॉनॉमिकली' रानां परस गायो तांकां फायद्याच्यो पडटात खंय!

कसलें अर्थशास्त्र हें?

जाणकार म्हणटात, ह्या गिरेस्त देशांनी अन्नाचो पंचवीस प्रतिशत वापर – फकत पंचवीस प्रतिशत – उणो करचो, संवसारांतल्या एकान एक गरीब देशांतल्या लोकांचें पोट भरतलें. इतलें अन्न आयजूच धर्तरी दिता. धर्तरी वांझकुटी न्हय. बेश्ट्यो माल्थसच्या सिद्धांताची धाल मुखार करून लोकसंख्या आळाबंदा हाडात म्हूण हुयेली कित्याक? आनी गिरेस्त देशांच्या भकारपणाची राखण कित्याक?

रिचर्ड बार्क बेकर नांवाचो एक कृषि-तज्ञ जावन गेलो. हालींच भायर पडलो. ताणें एका रेंवे-सड्यार बटाटां पिकोवन दाखयल्लीं. आनी ताणें गिरेस्त देशांक सांगिल्लें, तुमी एकामेकांक मारपा खातीर सैन्य बाळगिलां तांतलें धाव्या वांट्याचें सैन्य म्हजे सुवादीन करात. हांव पुराय सहारा रेंवेसडो पाचवोचार करून दाखयतां. पंचवीस अब्ज लोकांक पावत इतलें अन्न पिकोवन दाखयतां.

संवसारांत लोकवसतिचे नदरेन सगळ्यांत व्हड देश चीन. नक्शार दिसता आमच्या देशा परस व्हड, पुणून शेतकामाक उपकारता अशी भूंय ताचे कडेन आमचे कडेन आसा ताच्या अर्दानूय ना. उरिल्ली सगळी भूंय गोबी रेंवेसड्यान व्यापल्या. थंय एकलोय उपाशीं पडना. कित्याक? चिनांत एक इंच लेगीत भूंय रोयनासतना उरना म्हूण. इंचान इंच हे भुंयेचो तें कितें न्हय कितें रोवपा खातीर उपेग करीत आयलां. ना जाल्यार आमच्या देशांत पळेयात – देश सोडात, गोंयांतूच पळेयात – कितली भूंय पडंग उरल्या? सरकारान कूळ कायदो हाडलो आनी आदल्या भाटकारांच्या हातांतली भूंय काडून तांच्या कुळांक दिली. कुळां तरी भूंय सारकी रोयतात व्हय? पोरणे पिळगेंतलीं रोयतात जातलीं, नवी पिळगी 'नव्या भाटकारां'ची अवलाद जाल्या!

कुमुनदादिंच्यो जमनी आयज कोणाच्यो जाल्यात? व्हडल्या व्हडल्या भौराष्ट्रीय कंपन्यांच्यो. जमनिंचीं कितलीं 'कन्वर्शनां' जालीं? कोंत ना. विकासाच्यो लटक्यो देखी, फुडलें कितेंच दिश्टी पडना असली फुडाऱ्यांची नदर, भ्रश्ट सरकारी कर्मचारी आनी फकत पयशां फाटल्यान पडिल्ले लोक हांकां लागून आमचें पावल मुखार पडलें जाल्यार 'नव्या आर्थीक धोरणा'चे दिकेन पडटा ना जाल्यार पर्यटनाचे दिकेन पडटा. शेतकाम? पाडूच पडलां. गोंय मेकळें जालां तेन्ना साठ प्रतिशत शेतकाम चलतालें. आतां वीस प्रतिशतूय चलना म्हणपाचें खासा मुखेलमंत्रीच सांगता.

केन्ना केन्ना दुबाव येता, संवसारांतले गिरेस्त देश आमची लोकसंख्या वाडल्या लोकसंख्या वाडल्या म्हूण हुयेली मारतात – आनी तांच्याच सुरांत सूर मेळोवन आमीय त्यो मारपाक लागतात – त्यो आर्थीक नदरेन मारतात काय राजकी नदरेन? 'हे लोक अन्न पिकोवन तांचे तेच खावपाक लागले जाल्यार आमकां खावपाक कितें मेळटलें?' हो भंय ना मू ह्या हुयेलीं फाटल्यान? आसाच. मॉरिस स्ट्राँगान म्हळ्ळें, 'धनीक दे[...] गिरेस्तकाय गरीब देशांच्या खुस्तार चल्ल्या.' पळोवंक जाय तर्जून [...] म्हणणें.

लोकसंख्या आळाबंदा हाडुंकच जाय, दोना परस चड भुरगीं कोण[...] जावंक जायनात. पुणून तीं 'चड भुरगीं जाल्यार एकल्याचीय वाड स[...] जावंक पावना, आवय-बापूय सगळ्या भुरग्यांचेर सारकी नदर दिवंक पाव[...] आवयची भलायकी घटमूट उरना' हें येवजून जावंक जाय. खावपाक को[...] अन्न मेळचें ना ह्या भंयान न्हय.

तुर्ताक कुटुंब नियोजनाचो जो प्रचार चल्ला तो पंच्याण्णव प्रति[...] राजकी. आनी राजकर्ण कोणाचें? बकासूर देशांचें!

मनोहरराय

एक उर्दू शायर आशिल्लो. जाणटो जालो. दांत पडपाक लागले. दोळ[...] सारकें दिसना जालें. कानांनी सारकें आयकूंक येना जालें. पयलीं भ[...] चलप जमना जालें. तो शिणपाक लागलो —

या खुदा, तुमने ही तो जवानी दी थी। देकर तुमने वह तुरंत [...] ले ली? अब क्या, जो आकर कम्बख्त कभी जाता ही नहीं वह बु[...] दिखा रहे हो?

जाणटेपणांत सगळेच आमी हेच भाशेन शिणपाक लागतात.

पुणूच जाचो भौमान करपाक आयज आमी हांगा एकठांय जाल्[...] तो मनोहरबाब जाणटेपणांत वेगळोच शीण कांडपी एक कवी. तो म्ह[...] **देवा, कसली तुजी करणी. केंस जाले धवे, तरूय नदर अजून त[...]** खंयच्या तोंडान आमी ताका तूं पंच्यास्तर वर्सांचो जाला म्हूण सांगत[...]

हेच उतार पिरायेर रवीन्द्रनाथांचे केंस धवेफुल्ल जाल्ले. खाड मि[...] पिकिल्ल्यो. दोळेय अधू जाल्ले, आनी कमरूय बागवल्लें. तरूय ते [...] **पाकबे ना चुल गो** – म्हजे केंस पिकूंक नात, केन्ना पिकपाचे [...] हांव जाणटो जावंक ना, केन्ना जावपाचों ना, अशें म्हणटाले.

मनोहरबाब हेच परंपरेंतलो. तो जाणटो जावंक ना. केन्ना जाव[...] ना. सैमाचो कवी तो. रवीन्द्रनाथां सारकोच सैमांतल्यान आयिल्लो, सैम[...] आंग जावन राविल्लो.

सैम केन्ना जाणटें जायना.

आमी सैमाकडेन दोळे आसून लेगीत केन्ना सारके पळेनात. फ[...] उठनाफुडें मुजरत उदेंते कडेन तोंड करून, मनांतले चिंता हुस्के, [...] विकल्प सगळे काडून मन स्वच्छ करून मेकळ्या चित्तान सकाळ [...] उदेता ती पळेयात. ती तुमकां आयजूच, ह्याच खिणाक, पयलेच [...] उदेल्लेवरी दिसतली. फ्रॅश, नवीताल्ल सामकी. आयजूच जल्माक आयि[...] भुरग्यावरी.

युगां जालीं, सकाळ सदां अशीच उदेत आयल्या. धर्तरी उज्याचो [...] आशिल्ली तेन्नाय ती अशीच उदेत आशिल्ली. धर्तरिन जीव जल्माक [...] धर्तरिचे फाटीर तांची तरेतरेची लीला सुरू जाली तेन्नाय सकाळ अ[...] उदेत रावली. मायक्रोस्कोपांतल्यान पळेल्यारूच दिश्टी पडटात अ[...] बॅक्टेरियां पसून हती गेंड्या मेरेनचे लाख तरांचे जीव धर्तरिन ज[...] घाल्ले तिणें पळेले. तणाच्या पात्यापसून पिंपळ वडा सारक्या रु[...] वनस्पतसृश्टूय जल्माक आयिल्ली तिणें पळेली.

मनीस जल्माक आयिल्लो पळेला. ताणें जल्माक घाल्ल्यो, तर[...] वयर सरिल्ल्यो आनी कसलीच खूण दवरी नासतना मातये भरवण जा[...] – खाल्डियन, असीरियन, इजीप्शियन, इण्डस वॅली, ग्रीक, रोम[...] व्हडल्यो व्हडल्यो संस्कृतायो तिणें पळेल्यो.

कितलीं झगडीं झुजां पळेलीं, क्रान्त्यो उलथापालथी पळेल्यो, [...] आनी हिशोब मेळचो ना.

तय हें पळोवन लेगीत तिच्या मुखामळार जाणटेपणाची एक ल्हानशी
लेगीत पडिल्ली दिश्टी पडना. तिका पुरो जालां, ती खर्शेल्या,
म्हणपाचेंय एक चित्र तुमकां दिसपाचें ना.

दां उदेतली आनी उदेतली ती नवी ताल्लूच उदेतली.

क्राक, तिच्या शिरंत्रांत जें रगत व्हांवता तें नवेताल्लपणाचें आसता
वेताल्लपण हेंच सैमाचें मूळ तत्त्व. तेंच सैमांतल्यान आयिल्ल्या
मांतूच रावतल्या कविंच्या शिरंत्रांत घोळटा. सैमाचे कवी केन्ना
आयनात. सदां नवे ताल्ल आसतात.

रबाब, तूं पंच्यास्तर वर्सांचो जाला हें सांगपाक – आनी, शंबर
यसर आमकां तुजो सांगात मेळूं म्हूण मागपाक – आमी हांगा
येवंक नात. सट्ट करून तूंच आपूण जाणटो जालां अशें मानशीत
वान 'तूं जाणटो जावंक ना, आमकां तूं अजून तिशी-पस्तिशींतलोच
ला – पंच्यास्तर अदीक शंबर वर्सां जियेलो जाल्यारूय गोंयकारांक
तिशी-पस्तिशींतलोच दिसतलो, हाचो तुका उगडास करून दिवपाक
आमी हांगा जमल्यात.

रबाब सैमाचो कवी. तसो गोंयचोय कवी.

न येदेंय व्हडलें हें विश्व ब्रह्मांड निर्माण केलें, निर्माण केल्ल्या
कें नेमान बांदून तें आपले आपूण चलता अशें केलें आनी आपणाक
खातीर एक स्वर्ग निर्माण करपाक तो मुखार सरलो. आनी सगळें
कौशल वापरून ताणें गोंय निर्माण केलें. गोंयांत प्राणाची लीला,
नृत्य आनी वैचित्र्याचें जें वैभव दिश्टी पडटा तें, गोंयांत तो रावता

हरबाबाचो जीव ह्या गोंयचेर.

र साठ वर्सांचो आमचो दोगांयचो संबंद. खूब दाट. चौदा पंदरा
आसतना आमी फोंड्यां मेळिल्ले, आल्मैद कॉलेजींत. ह्या साठ
काळांत मनोहरबाबाक कोणाचो मत्सर दिशिल्लो हांवें पळोवंक
णें कोणाचो दुस्वास केल्लोय पळोवंक ना. ताका अभिमानूय कोणाचो
कित्याचो ना – कुटुंबाचो ना, घराण्याचो ना, धर्माचो ना. तें कित्याक,
आपणालोय ना. पुणून गोंयचो अभिमान? ताका सुमारा भायर.
रांचेर तितलोच. आनी गोंयचे भाशेचो तर सगळ्यांत चड. मनोहरबाब
णा. खंयच्याय व्हड फ्रेंच कवीक येता तितली ताकाय फ्रेंच येता.
साहित्य कोळून पियेला. इंग्रजीय ताका तितलीच बरी येता. इंग्रजींतलें
लें बरें काव्य सगळें ताणें वाचून काडलां. आनी – खूब जाणांक
आसची ना – तो मराठी घेवन मुम्बय विश्वविद्यालयांत एम्.ए. फस्ट
फस्ट जाला. हांचे भितरले खंयचेय एके भाशेंत नांव जोडून तो
जावं येतालो. पुणून आपुणूच व्हड जावपाक मनोहरबाब जल्माकूच
नाशिल्लो. गोंय व्हड करतलों आनी गोंया वांगडाच आपूण व्हड
अशें म्हणपाक लागलो. आनी तो कोंकणी कवी जालो. कोंकणी
यचो प्राण अशें म्हणपाक लागलो.

य मनोहरबाबाच्या रगतांत घोळटा. गोंया भायर खंयूय वचूं तो, आपणा
गोंयूय घेवन वता. **हांव जंय वतां, थंय रगतावरी व्हरतां माती,**
णटा. तो फकत गोंयची मातीच घेवन वता अशें न्हय. घुंवते दोंगुल्लेचो
य घेवन वता. जुवारीचीं दुकाळ ल्हारांय घेवन वता. सत्तरी रानां
घेवन वता. देवदेवतां आंगावयले कुराडेचे घाय घेवन वता. तें कित्याक,
ता थंय आपणा वांगडा अठरा जुनूय घेवन वता आनी तो रावता
अठरा जून गर्जेत रावता. आग्वादांतल्या शिंवावरी (लोहियावरी) ताचोय
पिरंगता. ताचें मन तापता. रगत पेट्टा. ताच्या काळजाची ल्हाय
. आनी मागीर, **गोंया तुजे जिणे बगर, मोगा बगर रावं नज** म्हूण
ळटा.

तो फ्रान्साक पावता. पॅरिसांत रावता. पॅरिस म्हळ्यार केन्द्र एक येवरोपेव
संस्कृतायेचें. ते भायर इन्द्रनगर, भोगांचें. इन्द्राक लेगीत मत्सर दिसचो
हे तरेचें भाग्य ताचें. मनोहरबाब वैरागी न्हय. चाखपा सारकें जें जें कितें
– 'गंधांत, गानांत पानांत' आसा तें चाखपाचें मन घेवन आयिल्लो एक
रसीक तो. पुणून ताचें मन थंय निखालूस लागना.

म्हजें मन ना रे हांगा, हांगचो म्हाका नाका भोग, तो म्हणटा, आनी
सांगता—

म्हजी जीण उपाट भरूंक म्हाका जाय गोंयचो मोग.

गोंयचो मोग तो खंय सोदता? आवय बापायच्या, भावा भयणिंच्या,
सोयऱ्या धायऱ्यांच्या, इश्ट मित्रांच्या सांगातांत? हांचो कोणाचो ताका
उगडास लेगीत जायना. तो गोंयचो मोग सोदता – फांत्या पारा वेल्या
म्हातारेच्या कोंब्या सादांत. सात्रिच्या सरसराटांत किणकिणपी कांकणां
नादांत. माडा राबस हांडी वेल्या सुक्या चुट्टां सळसळाटांत. चंवरेल्ल्या
आंब्या वेल्या सुकण्या खोशये किलकिलाटांत.

म्हाका जाय जुंवारेचीं
पातळ्ळेलीं पांचवीं ल्हारां
नळखुट्यांच्यो बेबक्यो मेजपी
देगे वयलीं शेंबडीं पोरां

म्हाका जाय पाडेल्यांचे
माडा वयले उल्यार उले
आंग मोडपी चांफ्या वयले
गोर, धवे वासा झेले

एक दीस ताच्यो ह्यो सावदादी, उगडासांचे हे चटके, शिमे भायर वेतात.
जांचे सासायेंत तो ल्हानाचो व्हड जाल्लो ते सगळे देखाव ताच्या दोळ्यां
मुखार उबे रावतात. आनी तो म्हणटा, ते पळे—

हुस्के माथ्यार गोंडेच गोंडे
चांफो हांसता वासाळ हांशें
तेंगशे वयलें पिकलें तोर
म्हणून चानयेक लागलां पिशें

ताका देवकेळम्यार जोती फुलिल्ल्यो दिश्टी पडटात. घडा भारान बागिल्ल्यो
केळी तो पळेता. आंब्या काथे चोखीत चोखीत जळीं मळीं भोंवपी पोरां
दिश्टी पडटात. जांबळां, काण्णां, चुन्नां चारां – गोंयचें अख्खें जिवीत
तो पळेता आनी आकूळ पिकूळ जावन म्हणटा—

हुस्के माथ्यार गोंडेच गोंडे
चांफो हांसता वासाळ हांशें
गोंया भायल्या मनाक म्हज्या
लागलां पिशें, लागलां पिशें

'गुरबत में हो अगर हम, रहता है दिल वतन में / समझो वहीं हमें
भी, दिल हो जहां हमारा...' मनोहरबाब आसा फ्रांसांत, पुणून रावता
गोंयांत. हो गोंयचो मोग ताका फ्रांसांत रावंक दिना. स वर्सां उपरांत अभ्यास
पूर्ण करिनाफुडें मांडवीच्या ल्हारां खातीर दर्या ल्हारां उंपून तो परत येता.
दूदसागरा हांशा खातीर तो सोन्या पेलो मोखून दिता. कुळागरां स्पर्शा
खातीर अप्सरांचो सर्ग सोडटा... फकत गोंयच्या मोगा खातीर.

परतो येता. पुणून गोंयांत पावना. तागेलीं आवय बापूय, भावंडां सगळीं
मुम्बयंत आसात. ताका मुम्बयंत रावचें पडटा. तुज्या मोगा खातीर आपूण
परतों आयलों खरो. **तरूय तांबडी माती म्हज्या हाताक लागली ना**
म्हूण तो खंतीन गोंयाक सांगता. तो फ्रांसांत आसतना गोंयचे सुटके खातीर
हांगा दोन मोट्यो चळवळी जाल्यो. ४६तली चळवळ ताणें पळेल्ली.
५४/५५तल्यो चळवळी पळोवंक नाशिल्ल्यो. शेंकड्यांनी गोंयकार बंदखणींत
पाविल्ले. कांय जाण तर प्राण होमडावन नाच जाल्ले. आपणाक ह्या यज्ञांत

वांटो घेवंक मेळ्ळो ना – **तुज्या उल्याक दिवंक उलो म्हज्या काळजाक गावलें ना** म्हूण तो पच्छाताप करता.

तो फ्रांसांत आसतना गोंयान वेगळेंच एक रूप घेतिल्लें. नाक दांबलें जाल्यार तोंड उकतें जातलें हे आशेन भारत सरकारान गोंयचेर इकॉनॉमिक ब्लॉकेड घाल्लो. आयच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी भारत सरकाराक तो घालूंक लायिल्लो. परिणाम उरफाटोच जालो. इकॉनॉमिक ब्लॉकेड कोणाचेंच नाक दांबूंक पावलो ना. उरफाटीं, गोंयांत मिनां सुरू जालीं आनी गोंयकारांच्या हातांत सुमारा भायर दुडू घोळपाक लागलो. कोट्ट्यांनी वर्सां लावन सैमान गोंयच्या पोटांत जें लोखण तयार करून दवरिल्लें – कोट्ट्यांनी वर्सां मेरेन गोंयकारांक उपकारा पडचें म्हूण – तें आठ धा मिनेरांनी उस्तून उस्तून भायर धाडून दिलें आनी बदलाक गोंय फॉरेन मालान भरून बुडयलें. गोंयकार दूद हॉलेंडचें पियेवपाक लागले. सफरचंदां स्वित्झर्लंडांतलीं मागोवन खावपाक लागले. शीत ब्रह्मदेशांतल्या मदियामांडला तांदळाचें जेवपाक लागले. आनी मेळत ताच्या दारांत नवी करकरीत एक imported गाडी दिश्टी पडपाक लागली. एके तरेच्या वैभवांत गोंयकार लोळटात ते मनोहरबाबान पळेलें. कवी तो. दिश्टी पडटा ताचे पेलेकडलें खूब पयसलें पळोवपी. उद्वेगान तो गोंयकारांक सांगपाक लागलो —

> **खणात खणात खणात खणी**
> **खणात झाडां पाळां मुळां**
> **शेतां भाटां खणात खुशाल**
> **खणात पुरूस खणात खांबे**
> **हुयेल मारीत आजे पणजे**
> **आयज ना फाल्यां जातले उबे**
> **खणात फोण, खणात फोण**
> **वयर पळे भोंवता घोण.**

घोश बेश्टी वयर भोंवना. हांगा सकल लचके तोडून खावपा सारकें कितेंय दिश्टी पडटा तेन्नाच ती वयर घिरट्यो घालूंक लागता. मिनाच्या उद्देगान गोंयची आवतिकाय लचके तोडून खावपा सारकी करून उडयल्या म्हणपाचें मनोहरबाब पळेता आनी ताचें काळीज खेदान भरून येता.

मंगेळ पाडगांवकारांची मराठींत एक कविता आसा. खूब वर्सां पयलिंची. एक राजकुमारी राजम्हालाचे गच्चेर बसून मुखार दिश्टी पडटा तें जिवीत नियाळपाक लागता. अवचीत तिका रस्त्यार एक भिकारीण दिश्टी पडटा. बोंदरां न्हेशिल्ली. हाण्डीर एका धाकल्या भुरग्याक घेवन ती भीक मागताली. राजकुमारी तिका पळेता आनी मनांतल्या मनांत म्हणटा, 'आरे रे! बावडी कितें जेवता खाता काय? भुरग्याक कितें दिता काय?' तिचें काळीज कळवळून येता आनी तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळपाक लागतात.

पाडगांवकार म्हणटात —

> **नृपकन्येच्या डोळ्यां मधुनि अश्रु गळती**
> **उंचावरूनि धुळींत पडती, धुळींत मिळती**

चडशे नवी हे नृपकन्ये सारके. तांकां संवसारांतलीं दुख्खां, दळदिरां, अन्याय अत्याचार सगळें दिश्टी पडटा. तें पळोवन तांचें काळीज खंतीन भरून येता. पुणून तांच्या हातान कांयच घडूंक पावना. कितेंय घडूंक जाय म्हणपाची तांकां जाणविकाय जायना. ते फकत कविता रचतात आनी थंयच थांबतात.

मनोहरबाबाची प्रतिभा वांझकुटी न्हय. फकत कविता बरोवन कडेक सरपी न्हय. एक कृतिशील कवी तो. एक एक्टिविस्ट. तो साहित्यकार ह्या रुपांतल्यो आपणाल्यो जापसालदारक्यो जाणा.

लॉर्ड कर्झनान बंगालची फाळणी करची थारायली तेन्ना तिचे आड बंगालांत तिडकिचें एक ल्हार उसळ्ळें. रवीन्द्रनाथ ताचेर चडून बशिल्ले. स्वदेशिच्या आंदोलनांतूय ते सगळ्यांत मुखार राविल्ले. जालियांवाला बागेंतल्या हत्याकांडा आड सगळ्यांत खणखणीत आवाज सगळ्यांत प[illegible] तांचोच उठिल्लो. फ्रान्सांतले सार्त्र, काम्यू सारकेले व्हड साहित्यकार देश[illegible] उलो कानार पडना फुडें झुजा मळार देंविल्ले. मनोहरबाब लक्ष्मणरा[illegible] पूत. गोंयच्या उल्याक उलो दिवन लक्ष्मणरावान घर संवसाराची [illegible] केल्ली ताणें पळेल्ली. आनी तिची झळूय अणभविल्ली. मनोहरबाबा[illegible] कूड लक्ष्मणरावां सारकी. भाराची. तो पेट्टा. आपणाले जापसालदार[illegible] जाणवीक तो आपणाकूच करून दिता. **'खणी फोंड पुरचो आसा, त[illegible] कावथो रोवचो आसा'** ह्याची जाणवीक ताका जाता आनी तो म्हणटा

> **खूब खूब करचें आसा**
> **रगतान मळो शिंपचो आसा**
> **जिणे फातरीर काळीज घांसून**
> **वीज जगाक दिवची आसा...**
>
> **उज्या वादळ झेलचें आसा...**
> **संवसाराचें वीख पियेवन**
> **चंद्र माथ्यार घेवंचो आसा...**
>
> **गांवांत म्हज्या न्याया सूळ**
> **ऊंच उबो रोमचो आसा**

नशिबाचो काळोख आटोवन तो रुप्या सपन घडोवंक भायर स[illegible] नवी खोंप बांदतलों म्हणटा. पोरणो पुरूस पुजतलों म्हणटा. मांडवी[illegible] झेमेल्ल्या ल्हाराक नवी जाग हाडटलो म्हणटा. ताचेकडेन फकत स[illegible] नात. सपनां चलणुकेंत हाडपाची कार्यावळूय आसा. पयलें पावल म्ह[illegible] तो सगळ्यांत पयलीं 'खणी फोण पुरून थंय तरणो कावथो रोवंक ज[illegible] म्हणटा. म्हणटकूच, ह्या कावथ्याचो एक दीस माड जातलो आनी **फाय[illegible] गोंयांत तो येद्दे नाल्ल** दिवपाक लागतलो हाची ताका खातरी आसा.

हीं रुप्या सपनां रंगयता आसतनाच जिस्त गोंयची सुटका ज[illegible] मनोहरबाब खुशालभरीत जाता. **'आयलें आमचें राज, आयज आ[illegible] आमचें राज'** अशें म्हणून तो नाचपाक लागता.

पुणून कटा – साडेचार शेंकड्यांच्या बंदेपणांत रावन आयिल्लो गोंय[illegible] धनिपणाची भावनाच होगडावन बसला म्हणपाचें तो पळेता. फिरंग[illegible] एका गोंयांत पयलींच दोन गोंयां निर्माण करून दवरिल्लीं. एकामेकां [illegible] कसलोच संबंद नाशिल्लीं. दोनूय स्वायत्त. Autonomous. द[illegible] एकामेकांक भियेतालीं. हांच्या हातांत गोंय गेलें जाल्यार आमकां हे ख[illegible] उडयतले अशें एका गोंयाक दिसपाक लागलें, तर हांच्या हातांत [illegible] जाल्यार आमी सामकेच ना जावन वतले अशें दुसऱ्या गोंयाक दिस[illegible] लागलें. दोनां मजगतचें, संख्येचे नदरेन सगळ्यांत व्हडलें गोंय सगळ[illegible] चड भियेल्लें. 'नाकाच हें राज आमच्या हातांत... दिवन उडोवया तें शेजा[illegible] लोकां हातांत' अशें तें म्हणपाक लागलें. शेजारचे बुदवंतूय तांकां [illegible] कशे खेरीतपणान राज्य चलयतले? तुमकां भास ना, तुमकां इति[illegible] ना... आमची भास तीच तुमची भास, आमचो इतिहास तोच तुमचो इति[illegible] अशें सांगपाक लागले. तांच्या सुरांत सूर मेळोवन हे घरचे पिशेय [illegible] हय... तुमी म्हणटात तेंच खरें, आमकां भास ना, आमकां इतिहास [illegible] आमी षंढ... बाबत कुळां' अशें म्हणपाक लागले.

म्हळ्यार, एका बंदेपणांतल्यान मेकळें जाल्ल्या गोंयाक दुसऱ्या बंदे[illegible] धुकलून उडोवपाचो वावर खासा गोंयकारांनीच सुरू केल्लो. तोवूय, मेकळें जायनाफुडें रोखडोच.

'गोव्याला इतिहास आहे? पोर्तुगीज आले आणि पोर्तुगीज गेले' पेल्यान कितें घडलां गोंयांत? अशें महाराष्ट्रांतले 'तर्कतीर्थ' म्हणपाक [illegible] तेन्ना मनोहर उसळ्ळो. हय गा, पुणून एक गजाल विसरूं नाकात... पु[illegible]

...ानी पुर्तुगीज गेले ह्या दोन घडणुकां मजगतीं चारशें पन्नास वर्सांचो ...ा. ह्या चारशें पन्नास वर्सांच्या काळांत भारतवर्षांतल्या खंयच्याच ...ल्या लोकांच्या वांट्याक येवंक नात इतले उतळताप गोंयकारांक ...डल्यात. ह्या चारशें वर्सांच्या काळांत गोंयकारांक हुलपावन मारपाचे ... फिरग्यांनी केल्यात. फकत, नवो धर्म घेवनूय पोरण्यो चाली-रिती ...नात म्हूण. फिरंगी आमकां बाटयतात म्हूण पयलीं हिन्दू लोक ...न पळून गेल्ले. बद्द कोची मेरेन पाविल्ले. शितांत मीठ घालिनात ...ळशिच्या रोप्याक उदक घालतात म्हूण आतां किरिस्तांव पळून ...लागले. जाला असो छळ कोणाचोच दुसरे खंयचेच कडेन ह्या ... दक्षीण कॅनरांत जे किरिस्तांव आयज दिश्टी पडटात ते चडशे ...यच्यान पळून गेल्ल्या किरिस्तांवांचे वंशज. ह्याच चारशें पन्नास ...काळांत गोंयची म्होंवाळ कोंकणी भास ना नपश्चात करपाचे तरांतरांचे ...ल्न फिरंग्यांनी गोंयांत केल्यात. ती जिबेर लेगीत घोळची न्हय ...गी एकाफुडले एक कडक फतवे काडल्यात. जाला असलो छळ ...तले दुसरे खंयचेच भाशेचो? हो इतिहास न्हय? हो इतिहास ...यो आसत, लाचारिचो आसत, लज दिसपा सारको आसत. पुणून ...तो. ह्याच इतिहासान गोंयकारांक घडयल्यात. गोंयकार मेंगो आसूं, ...आसूं, सत्वशून्य आसूं, बाबत कूळ आसूं. इतिहासान घडयल्लो ...ो.

...या वर्सांचो इतिहास आयज संवसाराचेर आपणाली दादागिरी चलयता ...केचो लेगीत ना.

... हांचो इतिहास? छत्रपती शिवाजी महाराजा पसून सुरू जाता ...त्रपती शिवाजी मेरेन पावतकच थांबता. आदलोय ना, उपरांतचोय

...कां भास ना, इतिहास ना अशें भौन भौन कानार पडपाक लागलें ...ोहरबाब संतापान उसळ्ळो. आमकां भास ना? इतिहास ना?

आमकांय इतिहास आसा
आमकांय बी भास आसा
तुमचे वरीच नखेत्रांचो
आमकां लेगीत ध्यास आसा

...डकून तो सांगपाक लागलो. इतलेंच न्हय, तर मुखार तो तांकां ...ाचाची शिटकावणी दिवपाक लागलो —

आमच्या मनाक धार आसा
सोंशीकपणाक पार आसा
आड येतल्यांक आड घालपाक
आमचे कुडींत हाड आसा

...हरबाब मुदलांतलो बंडखोर. गोंयच्या दुस्मानांक तो पारिसाक ...ाच सांगतालो —

तुजे मुखार दुस्माना
नाच दिमी मोडचों ना
वठार दोळे, पेटय नाळी
हावेस म्हजो मरचो ना...

लागत तशे बांद पांय
तोंडाक केदोय गुड्डो लाय
हाणशी जाल्यार हाण उबो
तरूय दिमी मोडचों ना...

...टायेन, हेच पोटतिडकेन, हेच जीवसाणेन तो नव्या साम्राज्यवाद्यांक ...**येतल्यांक आड घालपाक / आमचे कुडीक हाड आसा** अशें सांगपाक ...ी.

भोंवतणच्या तरणाट्यांक तो किंवाट्यान विचारपाक लागलो —

तरणे तशे दांडगे तुमी
अजून कशे रावल्या वोगे
हड्ड्यांतले इंगळे आयज
धगधगून जावं दी जागे
जायात जागे.

गोंयचे सुटके पसून ओपीनियन पोल मेरेनच्या काळांतलो मनोहरबाबाचो अवतार पळोवंक जाय आशिल्लो. मोटवीच ही मुर्ती वेदीर चडटाली आनी मायका मुखार उबी रावन अवसर आयिल्लेवरी उलोवपाक लागताली तेन्ना मुखार उबे आशिल्ले सगळे अक्षरशा कुदपाक लागताले.

मनोहरबाबान ते मुस्तींत आमकां दोन स्लोगन दिल्ले – मंत्रां सारके. उपाट अर्थान भरिल्ले. **कोंकणी भास आमची माय / आमची भास आमकां जाय** हो एक, आमचो नित्शय उकतावपी आनी, **घरचे भेदी, भायले चोर... सांगात तांकां वास्सिमोर...** हो दुसरो, आमकां कृतिशील करपी.

बेश्टो ओपीनियन पोल जिखूंक पावले नात आमी.

मनोहरबाबाच्या ते मुस्तींतल्या वावराचो by product म्हळ्यार **आमी इकरा जाण.** हे इकरा जाण कोण, हांव सांगूंक वचचों ना. गोंयांत आयज एक विश्वविद्यालय आसा. फादर थॉमस स्टीफन्स आनी सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांच्या नांवान इतिहासीक संशोधन करपांत गुल्ल आशिल्लीं दोन केन्द्रांय आसात. हांव तांकां इतलेंच सांगीन, सोळाव्या शतमानाच्या इतिहासांत तीं घुसपून उरलीं जाल्यार कालचो पयरचो गोंयच्या कर्तुत्वाचो इतिहास तांच्या हातांतलो निसरून पडटलो. आदलो काळ खूब सवकासायेन चलतालो. आयचो रॉकेटाच्या वेगान धांवपाक लागला. आमच्या दोळ्यां मुखार जाल्लो ओपीनियन पोल आयज मध्ययुगांत वचून पडला आनी अठरा जून तर प्राक्-इतिहासीक काळांत वचून बसला. इकरा जाण कोण ते हांणी कळाव लाय नासतना सोदून काडचे. हांव तांकां एक clue दीन. खासा मनोहरबाब त्या इकरा जाणांत एक आशिल्लो.

ह्या इकरा जाणांनी कोंकणी चळवळीक पयलेच फावट संघर्शाची देख दिल्या. ह्या 'इण्डिया दॅट इज भारत' देशांत संघर्श केले बगर तुमकां कितेंच मेळपाचें ना हें त्या इकरा जाणांनी सगळ्यांक स्पस्ट उतरांनी सांगून दवरलां. ते पयलीं आमी सगले कविता कथा बरोवपांतूच गुल्ल उरिल्ले. ह्या इकरा जाणांनी ओपीनियन पोल हाडला आनी ओपीनियन पोल जिखला. ह्या इकरा जाणांनीच कोंकणीक साहित्य अकादेमींत पावयल्या आनी तिका आठवे वळेरेंत व्हरून बसयल्या. ह्या इकरा जाणांनीच गोंयकारांक एक identity दिल्या. कोंकणीक स्वताची अशी एक भूंय दिल्या, तिका स्वताचें अशें एक राज्य जोडून दिलां. इकरा जाण जेन्ना उठून उबे रावतात तेन्ना सत्येर केदेय मदांध लोक बशिल्ले आसूं, तांकां हार खावची पडटा, मारूय खावचो पडटा.

भूतखांब केरीचे इकरा जाण उठून उबे रावले तेन्ना द्युपाँ सारकेले एके बळिश्ट कंपनीक साटली पोटली कवळून गोंयच्यान वचचें पडलां. आनी 'आतां कांय जावपाचें ना' अशें सांगतल्या 'खाश्यां'च्या पोलिसांक लोकांचो रुद्रावतार पळोवन पळून वचचें पडलां. वेर्णांतले इकरा जाण उठून उबे रावले तेन्ना लुइझीन्य तांकां वळखूंक पावलो ना. ताचो मोरयो जालो. सार्दीनबाब ह्या प्रस्नांत कायलोळ्यो करपाक लागलो जाल्यार – बरोवन दवरिल्लें बरें – ताकाय हार खावपाक आनी मार खावपाक कळाव लागपाचो ना.

सत्येचेर सत्या चलोवपांत समाजांत सदांच जागरूक इकरा जाणांची सत्या चलूंक जाय हें कोंकणींतल्या इकरा जाणांनी दाखोवन दिलां.

मनोहरबाब म्हणटा —

जाणटे पुणून तरणे आमी
लाल भुंयेचे राखणे आमी
संवसारांत राखतले गा
हिचो व्हडलो मान
आमी इकरा जाण

आसले आमी जरी थोडे
उजवाडाचे आमी गडे
काळखी कुपां वेतलो चिरीत
आमचो उज्या बाण
आमी इकरा जाण

भायले शाणे, घरचे पिशे
लेखती आमकां नेण्टे कशे
वामना वरी धाकटे जरी
पावल आमचें म्हान
आमी इकरा जाण

येवंदी कोणूय घालूंक फूट
एकचाराची दाखोवं मूठ
घट आमी बांदलां आयज
नित्शयाचें काण
आमी इकरा जाण

आडमेळ्यांचे येवंदी फातर
आमच्या ओंठार एकूच उतर
'जैत जोडून दितले आमी
पडलो जरी प्राण'
आमी इकरा जाण.

ह्या इकरा जाणां खातीर, मनोहरबाब, गोंय आनी गोंयकार – गोंयचें राजकी जिवीत – सदांच तुज्या रिणांत उरतले.

आयज गोंय गोंय उरूंक ना. ज्या गोंयची तुका फ्रान्सांत याद येताली तें गोंय आयज सोदल्यारूय तुका गोंयांत मेळपाचें ना. ज्या फायच्या गोंयचीं तूं रुप्या सपनां पळेतालो तें गोंय राजकर्णी गोंयकारांनी पोटांत आसतनाच व्हळोवन उडयलें, जल्माकूच येवंक दिलें ना. आयचें गोंय पळेतलो? बायणा पळोवन यो. थंय मुम्बयचो फोरस रोड उबो जाल्लो तुका दिश्टी पडटलो. कळंगुटे भोंवन यो. थंय भेंडी बाजार तुका पळोवंक मेळटलो. विकासाच्या नांवान धरबांद नाशिल्लें जें उद्देगीकरण आनी ताळतंत्र नाशिल्लें शहरीकरण गोंयांत चलपाक लागलां तें तुजे यादींतल्या आनी सपनांतल्या गोंयाक विनाशाच्या फोंडांत धुकलून उडोवपाक लागलां. तुज्या इकरा जाणांनी गोंयचें merger आडायल्लें. गोंयचें submersion ते आडावंक पावले नात. आमी सात लाख आशिल्ले. आयज बारा लाख जाल्यात. धा पंदरा वर्सां भितर वीस पंचवीस लाख जावपाचे आसात. पेडणेच्या तेरेखोल सावन काणकोणच्या काब-द-राम मेरेनची एकूय वेळ आयज गोंयकारांची उरूंक ना. गोंयांत कितल्योश्यो इंडस्ट्रियल इस्टेटी उब्यो जाल्ल्यो आमी पळेतात. एकेय इस्टेटींतली एकूय म्हत्वाची इंडस्ट्री गोंयकाराच्या हातांत ना. गोंयच्या प्रशासनांत एकाय म्हत्वाच्या स्थानार गोंयकार बशि[...] दिश्टी पडना. एका काळार आमी Goa for Goans म्हणटाले अ[...] 'गोंय कोणाचें? गोंयकारांचें' म्हूण घोशणा दीत गोंयभर नाचताले. आ[...] Goa for everybody except Goans – गोंय गोंयकारांचें सोडून [...] सगळ्यांचें जालां. गोंयांत गोंयकारांक खंयच सुवात ना.

आमच्या सुटके झुजाऱ्यांनी केली तीच चूक कोंकणीच्या मळावे[...] तुज्या इकरा जाणांनी केली. सुटके झुजाऱ्यांनी गोंयची सुटका जा[...] म्हूण जिवाचें रान केलें आनी सुटका जायना फुडें गोंय काडून अशा लोकां[...] हातांत दिलें की जांणी सुटका जावची म्हुण्णूय कांय करूंक नाशिल[...] जावची न्हय म्हुण्णूय कांय करूंक नाशिल्लें. पीटर आल्वरिस सुटके झुजांत[...] आमचो हिरो. लोकसभेंत वचपा खातीर ताचेर ह्याच गोंयकारांच्या ए[...] थळाव्या पक्षाचो – म.गो. पक्षाचो आधार घेवपाचो प्रसंग आयला. अ[...] पीटर दो. पुंडलीक गायतोंड्यां सारक्या एका तेजिश्ट सुटके झुजाऱ्या[...] हरोवन वेंचून आयला. आमच्या सुटके झुजाची फलश्रुती हाचेकूय [...] तरेन सांगूंक येवपाची ना. तुज्या इकरा जाणांनी गोंयाक एक वेगळी आयडेंटि[...] जोडून दिल्ली. तांकां तांचें हक्काचें राज्य जोडून दिल्लें. तांणीय [...] केलें. राज्य आपणा हातांत घेवपा बदला अश्या लोकांच्यां हातांत का[...] दिलें की जांणी गोंयच्या खंयच्याच प्रस्नाचो आयुष्यांत पांच मिनटां ले[...] केन्ना विचार केलो ना. आयज तुज्या त्या इकरा जाणां मजगतच्या क[...] म्हालगड्यांक सत्येर आशिल्ल्यांचे भोंवतणी आनाळ्यो गुनाळ्यो काडट[...] तूं पळेता तेन्ना तुका कितें दिसता जातलें, म्हाका अदमास आसा. म्हा[...] लज लज दिसता. जीव दिवचोसो दिसता. कोंकणीचे चळवळिची फलश्रु[...] हाचेकूय बरी दुसरे कसलेच तरेन सांगूंक येवपाची ना.

पुणून आमी जाणात – तुजे खंयचेच कवितेंत निर्शेणेचो सूर आ[...] कोणें पळोवंक ना. तूं निर्शेवपी कवी न्हय आनी गोंयची कूस वांझकु[...] न्हय. ती सदां नव्या नव्या इकरा जाणांक जल्म दीत आयल्या. गोंय[...] विनाश आडावपी नव्या – आदले परस तेजिश्ट – इकरा जाणांची आ[...] गोंय वाट पळेता. तांकां उलो मार. तुज्या 'जायात जागे' गितांत शं[...] रागाचो नवो सूर जोड. आनी भास्करराव तांब्यां भशेन

पाड सिंहासने दुष्ट हीं पालथीं
ओढ हत्तीवरूनि मत्त नृप खालती
मुकूट रंकासि दे, करटी भूपाप्रती

अशें रुद्राक आवाहन कर. नवे इकरा जाण येतलेच येतले. गोंयाक [...] परती एक फावट जाग हाडटलेच हाडटले आनी तुज्या सपनांतलें ग[...] उबें करून दाखयतलेच दाखयतले.

भगवान के दरबार में देर है, अंधेर नहीं.

मनोहरबाब, आयज आमी हांगा दोगां विभूतिंचो भौमान करपाक एक[...] जमल्यात. एक, तुजो – गोंयच्या आनी गोंयकारांच्या कवी मनोहर[...] सरदेसायांचो. आनी दुसरो, मनोहरराय सरदेसायांतल्यान कवी जावन मु[...] आयिल्ल्या गोंयचो आनी गोंयकाराचो.

तुका पंच्यास्तर वर्सां जालीं म्हूण कोणूय कितलेंय सांगूं, तूं तांचे क[...] लक्ष दिवं नाका. आमकां तूं पस्तीस वर्सांचोच दिसता. पस्तीस वर्सांचे[...] सदांकाळ उरिल्लो तूं आमकां जाय.

२८-१-२००० दिसा मनोहरराय सरदेसायांच्या अमृत महोत्सवी सुवाळ्या वि[...] पणजे कला अकादेमींत ब्लॅक बॉक्सांत जमिल्ल्या लोकांमुखार केल्लें उलोवप.

दुयेंत

मूळ तमीळ : अळगिय सिंगर (चंद्रमौलि)
हिन्दी अणकार : डॉ. एच्. बालसुब्रह्मण्यम
कोंकणी अणकार : मुकेश थळी

...आशिल्लों ते कुडींत २० खाटी आशिल्ल्यो. जण एकल्याच्या ...ळार एक वेगळेच तरेची खिन्नताय पातळिल्ली. कठीण कुवाड्यां भशेन ...वेगळ्या रोगांचीं लक्षणां बुचकळ्यांत उडयतालीं. तशी कूड फाव ...भोंस्कळ विस्कळ आनी हवेशीर आशिल्ली. म्हजी खाट जनेलालागीं ...ल्ली. हांगा आड पडून भायले सृश्टिचो आनंद वरांचीं वरां घेवं येता. ...ो कुचकुचीत भरिल्लीं झाडां किटकिट्टना आनी हांसतना दिश्टी ...र्ली. झाडां पेडां विशीं म्हजें गिन्यान मर्यादीत. तरिकूय हांवें पळेलें, ...या आंगणांत रंगयाळीं फुलां दिसपट्टीं नवी रांगोळी रचतालीं. दुयेंसाच्या ...ाक लागून आमचे दोळे झेमेल्ले आनी बाविल्ले आसुनूय भायल्या ...यांचो चिंवचिंवाट आमच्यांत जागृत रावपाची उमेद भरतालो.

...तका आदली खबर. म्हजो जोर देंवचना जालो. बाबाक हुस्को जावंक ...ो. आवयन म्हळें, सुटी घेवन हाची कुयदाद घेवंया. आवयन सप्तकभर ...काडली आनी म्हजी जतनाय घेतली. पूण जोर देंवलोना. आवय-बापायचो ...वाडलो. कितें करचें, कोणाकूच येवजना जालें. बाबा लाचार कसो ...व्हडल्या काका कडेन गेलो. तो ह्याच हॉस्पिटलांत नर्सींचो सुपरवायझर. ...न म्हाका हॉस्पिटलांत भरती केलो. सदां राती कडेन बाबा हॉस्पिटलांत ...ालो.

...गां भरती जालों ताच्या दुसऱ्या दिसा एक विचित्र अणभव आयलो. ...लायनींत निमाणे खाटीवेलो वायटकार सामको गंभीर आशिल्लो. ताका ...क्सिजन' दीत आशिल्ले. तो 'कोमां'त आशिल्लो. सगल्यांक ताचो अंत ...पावला हाचो अदमास आयिल्लो. जायतीं वरां तो हालचाली विणें ...ड कसो पडून आशिल्लो. दोतोरांनी ताच्या सोयऱ्यांक सुचोवणी केली ...ातां हॉस्पिटलांत रावन फायदो ना, ताका घरा व्हरात. ताचे भाव ...घरा व्हरूंक पावले, तेन्ना तो सोंपिल्लो. खाटीक रेवाडो घालून ...र्ती-धायरीं होळोम घालीत रडलीं.

...ोड्या वेळान पळेल्यार, खाट रिती. कसलेंच स्पंदन ना, हालचाल ...साप रिती आनी एकसुरी. कसल्या दुयेंसाचे भकीक तो पडलो, कोण ...ा! ते वटेन नदर घुंवडायना बराबर एक भिरांकूळ देखाव दोळ्यां मुखार ...लो. अर्दुकुट्या झेमपी दोळ्यांनी आड पडटालों तेन्ना तो मेल्लो मनीस ...थंय येवन खाटीर आड पडून निमणे स्वास घेता अशें दिसतालें. ...परत होच देखावो दोळ्यां मुखार घुंवतालो. हो कांच लिपोवपाच्या ...ात म्हजो जोर देंवला आनी हांव घटमूट जालां अशी बेठीच कल्पना ...ी. उपरांत तकलेंत आयलें, हांथरुणार पडून रावप म्हळ्यार दुयेंसाचें ...ण. हांव दुयेंसांतल्यान निवळ्ळां हें सिद्ध करपा खातीर खाटी वेल्यान ...न चलपाक लागलों. वॉर्डांतले ड्युटीवेले नर्सीन म्हाका विचारलें – ''कितें ...री! असो हांथरुणावेल्यान देंवन खंय चल्लो?''

''असोच पासय घेतां.''

''तुवें कूस लेगीत परतूंक फावना. जोर चडटलो. चल, न्हीद...''

तिच्या उतरांनी शिस्तिची सक्ती आशिल्ली. कांयच येवजलें ना तेन्ना तिचे मुखार वचून बसलों.

तिणें म्हजेवटेन विचित्र नदर मारली.

''कोनशा कडले खाटीर एक पेशंट आशिल्लो, तो सोंपलो.''

''तो मेलो जाल्यार तुका कितें जालें?''

''कांय ना.''

''ताका हांगा हाडिल्लो तेन्नाच तो वाटावचोना हें आमी जाणा आशिल्लीं.''

''अशे हांगा कितले लोक मरतात?''

''मरतात अदीं मदीं कितलेशेच... चल वच आनी तुजे कॉटीर न्हीद.''

हांव थंयच्यान मुखार सरकलों.

''खंयचे क्लासींत शिकता?''

''धावेंत.''

खाटीर वचून बसलों. नदर भायर मोखली. जनेलांतल्यान झाडां दोळे मारीत हांसतात, अशें दिसलें. दोन चानयो धरचेल्यांनी खेळटाल्यो. एक फूल वाऱ्यार उफेत सकयल पडलें. हांवें लागिंच्या तशेंच पयसुल्ल्या पेशंटांक बारीकसाणेन तेळ्ळे. ते अर्दुकुटे न्हिदिल्ले. एक वायटकार कितें तरी खातालो. ह्या लोकां कडेन म्हजें नातें कशेंच जुळूं नज.

प्यून येतालो. नर्सीन ताका आपयलो आनी मरण आयिल्ल्या पिडेस्ताचे खाटी वटेन कुरू केली. निवळ करपाक सांगलें.

ताणें रबर-शीट काडीत विचारलें, ''हो खंय घालूं?''

नर्सीन म्हजे खाटी वटेन कुरू केली. हांव हें सगळें पळेतालों.

रबर-शीट घेवन तो म्हजे खाटी वटेन आयलो. रबर-शीट पळेनाफुडें म्हज्या म्हाका वीट आयिल्ले भशेन जालें. मेल्ल्या मनशा खातीर वापरिल्लो शीट हो. म्हज्या हांथरुणार घालूंक दिवं? थोड्या वेळा आदीं ह्याच शिटाचेर ताचें मडें पडिल्लें. म्हाकाय बी हाचेर न्हिदचें पडना मू? ना, हें जावंक फावना. निखालस ना. हांवें व्हडल्यान रडपाक सुरवात केली. नर्स धांवत आयली. तिणें वासपूस केली, ''कितें जालां?''

''म्हाका हो रबर-शीट नाका.''

''कित्याक?''

''मरण आयिल्ल्या मनशान तो वापरला.''

तिणें रोखडीच प्युनाक ऑर्द सोडली, ''हो हांगाच्यान व्हर. हांगा घालूं नाका.''

तो शीट घेवन गेलो. राती कडेन बाबा योसर म्हजो दोळो लागलोना. जेन्ना जेन्ना तो दिसतालो, ताका हांव म्हजे म्हऱ्यांत बसूंक सांगतालों.

''हरी, कसो आसा तूं? भियेल्ले भशेन सो दिसता?''

''त्या कोनशा कडले खाटीर पेशंट आशिल्लो न्हय, तो सोंपलो.''

''कितें जालें काय ताका?''

''बाबा, हांव घरा वचूं?... हांगा बरेंऽ दिसना.''

''बरो जातकच या रे. आतां ओग्गी न्हीद पळोवया.''

बाबा न्हिदलो. हांव जागोच उरलों. जनेलांतल्यान नखेत्रांक पळेत रावलों. आतां झाडां भयांकृत दिसतालीं. दरेक झाड भूत जावन नाचतालें. हांवें जनेलांतल्यान नदर फार्टी ओडली. हय-न्हय-शा उजवाडांत कुडींत शांती पातळिल्ली. मात्शी पयस एक नर्स बशिल्ली. अर्दे न्हिदेंत वेल्यान हुमकळपी पंखे कुडिची थंडाय चिरीत बोवाळ घालताले. दोळो केन्ना लागलो, कळ्ळेंच ना. हांव थार न्हिदलों.

परंपरे प्रमाण सकाळीं म्हाका गुळये वांगडा उदकाचो ग्लास दिलो. गुळी ताळ्या खाला देंवतकच दांत घांसपाक लागलों. दांत घांसतना वीट आयलो. संडासाची नितळसाण सांबाळपाक सरकारी हॉस्पिटलांनी अदीक लक्ष दिवंक फावो. हांथरुणार लवंडलों. पळेत जाल्यार बाबा परत वचपाचे तयारेंत बसला. सात-साडे सात मजगतीं हांगच्यान भायर सरलो जाल्यार न्हावन-धुवन वेळार ऑफिसांत पावं येता. हांव हांगा भरती जायत सावन आवय एकूय दीस पळोवंक येवंक ना. तिका हॉस्पिटलाच्या नांवाचीच ॲलर्जी. काकाची ड्यूटी सद्या दुसऱ्या एका वॉर्डांत लागल्या. म्हाका मेळ्ळे बगर मात तो घरा वचना. हांगा काम करपी सगल्या नर्सींक म्हजी बरी कुयदाद घेवपाची ताकीद ताणें दिल्या.

काका वरवींच नर्स लीलाची वळख जाली. कित्याक म्हूण कोण जाणा, ती म्हजी विशेश अपुरबाय करी. खाटीक तेंकून स्टूल दवरून वरांचीं वरां खबरी मारीत बसताली. तिचेकडेन गजाली करतना कितलो वेळ गेलो हाचें भान मात उरनासलें. केन्नाय म्हजे केंस वळयताली, केन्नाय म्हजें हांथरूण सारकें दाळून बी दवरताली. सभावा प्रमाण म्हाका बायलां म्हऱ्यांत बसपाक आडखळिल्ले वरी जातालें. लीला कडेन खबरी करतनाय सुरवेक मात्सो संकोच दिशिल्लो. मात ल्हवू ल्हवू तो पयस जालो. तिचें मुखामळ सामकें म्हजे म्हऱ्यांत आसतालें, तेन्ना तिची पापी घेवची अशें मनापरून दिसतालें. लीला पिरायेन व्हड.

''तुका पळेनाफुडें गांवांतल्या म्हज्या धाकट्या भावाची याद येता.'' लीलान एक दीस म्हळें.

''हु...म्.''

''सगळ्यांक गांवांत सोडून हांगा एकलेंच आयलें. एकलें रावतना घरची खूब याद येता.''

''तुजो धाकटो भाव पळोवपाक म्हजे भशेन दिसता?''

''सामको तुजेभशेन. म्हणुनच तुजे कडेन उलयत रावचेंशें मना पसून दिसता.''

''तो कितें शिकता तर?''

''तोय तुजे भशेन इश्कोलांत शिकता.''

''तांकां सगळ्यांक थंय सोडून एकटीच हांगा कित्याक आयली?''

''आनीक थोडेच दीस. ते उपरांत हांव गांवांत वतलें वा म्हजें कुटुंब हांगा येतलें.''

म्हजे विशीं तिच्या मनांत तर भावा खातीर भयणिची आसता तशी माया शिल्ली. म्हूण हांव लीलाक भयणी भशेन पळोवंक शकनाशिल्लों. पयलेच खेपे खंयचेय चलयेक मेळटकच वा वळख वाडयतना दादल्याच्या मनांत जे भाव-तरंग सळसळटात, तसो लीला वांगडा उठ्ठना-बसतना म्हज्या मनाक अणभव जातालो. ती आनीक कोणाय वांगडा – खास करून तरणाट्या दोतोरां कडेन भेकळेपणान हांसतना-उलयतना दिसताली तेन्ना तेन्ना म्हज्याय मनांत सांगूं नजो अशी दुस्वासाची भावना उदेताली.

म्हजी तब्येत पुरायेन निवळ्ळी. फकत थोड्यो गुळयो चालू आशिल्ल जोर देंवतकच जी अशक्तताय येता ते स्थितींत तोंड कोडू-कोडू जा ओंठ सुकताले.

''फाल्यां तुवें घरा वचप'', लीलान सुचोवणी दिली. तो शुक्रार आशि मन खोशयेन भरून आयलें. पूण हांवें पारखिलें, लीलाची नुरा निर्शेल्या

म्हजो हात आपल्या हातांत घेत लीलान विचारलें, ''तूं म्हाका मे येतलो मरे?'' म्हजो गळो दाटून आयलो. जाप फुटलिना. ती तोंड करून पळेत रावली.

''तूं बरोच अशक्त दिसता. टॉनिक बी घेवन भलायकी घटमूट करप जाय. तूं म्हाका मेळूंक येतालो, तेन्ना हांव तुका टॉनिकां आनी व्हिटामिनां गुळयो दितां. येतलो मरे? हांवें सकारात्मक कुरवेन तकली हालयली.

''तुका पळेतां, तेन्ना सख्ख्या भावाक मेळिल्ल्याची खोस जाता.''

आमी दोगांय उलयतनाच, लीलाक सोदीत थंय एक नर्स पावली. विचारलें, ''आगो, तूं अजूनय हांगाच आसा?''

''हरी फाल्यां घरा वतलो.''

ती म्हाका पळेत रावली.

''खऱ्यांनीच, मना परून दिसता, जाता तितले बेगीन ह्या नरकांतल्य सोडणूक करून घेवची.'' हांवें म्हळें.

''आमकां पळोवन कशें दिसता?'' लीलान विचारलें.

''काकळूत येता...''

''केन्ना केन्नाय आमकांय साप वीट येता. खास करून तेन्ना, जेन्ना पे कारणा भायर आमकां आपयता तेन्ना.''

''फुडल्या सप्तकांत तुजी नायट् ड्यूटी गो?...'' लार्गी उबी आशि नर्सीन विचारलें.

''हय.''

''करुणाकरनाचीय नायट ड्यूटी आसा.''

''जालें. मेलें.'' लिलान नाखुशी उक्तायली.

''करुणाकरन कोण?''

''तूं ताका वळखना. हांगा एक नवो दोतोर आयला. संद मेळना म्हजे फाटल्यान लागता. देखून भियेतां.''

''चली दिश्टी पडली की जालें... सरभोंवतणचो सगळो वाठार विसरतात'' लार्गी उबी आशिल्ले नर्सीन म्हळें.

खबरी जातकच दोगांय थंय सावन गेलीं. ज्या दिसा हांव हॉस्पिट आयलों, त्या दिसा जोर आशिल्लो. उपरांत देंवलो. हांगाची जीण विचि सबंद वातावरणांत सदांच डॅटॉलाचो वास पातळिल्लो आसता, नाकांत सा भेदून वता. कोणाच पेशंटाकडेन म्हजें उलोवप नाशिल्लें. सगळेच पिरा व्हड. सांजवेळा दरेके खाटी भोंवतणी इश्टांची आनी सोयऱ्यांची गर्दी. दुयें रेवाडो घालून तांच्यो त्यो आड्डू-आड्डून केल्ल्यो गजाली. ह्या बोव वरवीं सबंद हॉस्पिटल इमारत ते हालोवन उडयतले अशी भिरांत दिसता सादारणपणान सांजवेळा म्हाका मेळूंक कोण येनासलो. केन्ना केन्नाय क येवन म्हाका हॉस्पिटलाच्या कँटिनांत व्हरतालो आनी इडली दितालो. म केन्ना ह्या नरकांतल्यान सुटका जातली हेंच हांव सदांच बसून येवजिता

पांच वरांचेर सुमार सदचे भशेन मेळपी लोकांची रांग लागिल्ली. कपल बिबूत फाशिल्ल्या एका मनशान कुडींत पावल दवरलें. तो पेशंटांक बि वांटीत सुटलो. म्हजे कडेनूय आयलो.

''हें कितें?'' हांवें विचारलें.

''देवाचो प्रसाद, बिबूत.''

''कित्याक वांट्टा?''

''रोगी बेगीन निवळचो म्हूण. समाज-सेवा. म्हयन्यान एकदां फ मारतां.'' अभिमानान ताणें म्हळें.

न्या दिसा सकाळीं दोतोरांनी म्हाका घरा व्हरूं येता अशी निश्चिती ल्या वेळार थंय बाबाय आशिल्लो. ''सांजे व्हरूंक येतां.'' ताणें म्हळें.
ा वचपाक तयार जावन बसलों. लीला आयली. तिची ड्यूटी रातची ंजाताली. ह्या वेळार ती आपल्या धव्या गणभेसांत नाशिल्ली. साडी ल्यान बरीऽ दिसताली. म्हाका पळेनाफुडें तिचे दोळे चकचकले. म्हजे तणें आपल्या हातांत घेतले.
वेसरचोना मरे हरी?'' विचारतना तिचो गळो दाटलो.
ना.''
फुटयेंत म्हाका मेळूंक यो.''
ूं खंय मेळटली?''
ह्याच वॉर्डांत मेळटलें, नाजाल्यार हॉस्टेलांत. हॉस्टेल हांगाच आसा.
ंबर बी बरोवन दितां.''
णें आपल्या हॉस्टेलाचो नामो बरोवन म्हज्या हातांत दिलो.
तुका व्हरपाक कोण येतलो?''
बाबा.''
आरोग्य सांबाळ. सद्दां तांतयां खा. इतलो किडकिडीत, दुबळो आसप र न्हय. आंगांत मूठभर चरबी-मांस तरी जाय. फकत हाडावळ जाल्या.''
च्यो गजाली आयकत रावलों. तिका कितें येवजलें कोण जाणा, म्हाका ले सरीं ओडीत वेंगेंत घेतलो आनी मायेन म्हजो उमो घेतलो. तिचे म्हजी पुराय कूड थरथरली.
बा आपोवपाक आयलो.
वें लीलाचो निरोप घेतलो. हॉस्पिटला भायर येतकच गाडयांच्या ताळ्या आवाजान कान फुट्टात काय जाले. शाराच्या वण्टिंनी रंगयाळे र दिसताले. खंयच्या खंयच्या थेटरांत खंयचीं पिक्चरां लागल्यांत तें र सांगताले.

* * *

डायग्लॉसिया

(दुसरी खिस्त)

शंबर वर्सां फाटल्या 'हिंदू गोंयां'त

माधवी सरदेसाय

शंबर वर्सां फाटीं वचुंया.

गोंयकार हिन्दू कोंकणी मनशाची दिसपट्टी भाशीक जीण 'प्रमाण मराठी' आनी 'कोंकणी बोली' ह्या दोन भाशीक रुपांनी वांटून गेल्ली.

प्रमाण मराठी 'वयलीं' भाशीक मळां आडावन बशिल्ली आनी कोंकणी 'सकयल्या' मळांचेर घोळटाली. घरांत तशे भायर लोक एकामेकां कडेन कोंकणींतल्यान उलयताले. पूण सभेमाजार वा माचये वयल्यान उलोवचें जाल्यार मराठींतल्यान उलोवंक लागताले – कोंकणी साद्या उलोवपाची – खबऱ्यांची, चकाटांची **बोली** आशिल्ली आनी मराठी उपचारीक उलोवपाची – भाशणांची, माचये वयल्यान सुचोवण्यो बी दिवपाची **भास** आशिल्ली. देवळांतलीं किर्तनां पुराणांय मराठींत जातालीं. बरोवपाची भासूय मराठीच आशिल्ली. गोंयकार हिन्दू पसरकाराकडेन 'गोड' विकतें मागतालो आनी पसरकार ताका तें 'गोड' म्हुण्णूच दितालो. पूण आपणाले हिशेबाचे पटयेर मात 'गूळ' बरयतालो.[1] खाजगी पत्रां मराठींत बरयताले. व्हॉवळीक पत्रां, आमंत्रण पत्रां मराठींत छापताले. नांवांच्यो वा सुचोवण्यो दिवपी पाटयो मराठींत आसताल्यो.[2] कथा, कविता, नाटकां, निबंद बी बरयल्लें साहित्य मराठींत आसतालें. हांतूंत कोंकणी आयलीय जाल्यार ती भाशेंत थळावे रंग भरपाक, चड करून नाटकां, नाटकुल्यांनी पात्रांच्या तोंडांतल्यान येतालीं. खबरांपत्रां, नेमाळींय मराठींत आसतालीं. हांतूंत कोंकणींतल्यान जायरात दिली जाल्यारूय ती छापपाचो संपादप्यांक धीर जायनाशिल्लो.[3] कोंकणींत जिबे वयलें साहित्य आशिल्लें – लोकां काणयो, उमाणीं, फुगड्यो बी लोक-वेद आशिल्लो. देवांक 'गाराणीं' कोंकणींतल्यान घालताले, 'प्रसाद' कोंकणींतल्यान घेताले. पूण देवाची तुस्त तोखणाय ('स्तोत्रां') मराठींतल्यान गायताले. भजनां आरत्यो मराठींत म्हणटाले.[4] मराठी (मुळाव्या पांवड्यार) शिक्षणाचें माध्यम आशिल्ली. पूण शिकयल्लें सारकें समजावन सांगपा खातीर शिकोवप्यांक कोंकणीचोय वापर करचो पडटालो.[5]

आदल्या 'हिंदू गोंयां'त मराठीक प्रतिश्ठा आशिल्ली जाल्यार कोंकणीक 'हेंगाडी' लेखताले. तिका प्रतिश्ठाच नाशिल्ली. हिंदू कोंकणी उलयताले पूण आपणाक मराठी भाशीक मानताले. तांगेले जिबेर दिसपट्टी घोळपी कोंकणी 'भासू'च नाशिल्ली. ती मराठीची 'बोली' आशिल्ली, वा, 'अशुद्ध मराठी' आशिल्ली.[6] मुंबय सारकेल्या शारांत दोग हिंदू गोंयकार एकामेकांक मेळटाले तेन्ना चार चवगांत कोंकणी उलोवपाचीय खंय तांकां लज दिसताली आनी ते मराठींत उलोवंक लागताले.[7] मराठी सारकी उलोवंक लेगीत नकळ आशिल्ले तिका आपणाली 'आवयभास' मानताले. कोंकणी परस तांकां ती अदीक 'सुंदरू'य दिसताली. ह्या गोंयांत मराठी सगळ्यांक सारकी समज नाशिल्ली, तरी सगळीं तिका तोखेतालीं. आनी, कोंकणी सगळ्यांक सारकी समजताली पूण कोणाकूच तिची तोखणाय नाशिल्ली! गोंयकार हिन्दूंच्या धार्मीक वेव्हारांत मराठीन जोडिल्ले सुवातेक लागुनूय हे प्रतिश्ठेक बळ मेळिल्लें अशें म्हणूं येता. हिंदूंची खरेली धार्मीक भास संस्कृ संस्कृत मंत्रां, श्लोकां बगर एकूय हिंदू धर्मकार्य तडीक वचना. तरी, भज स्तोत्रां गावप, चरित्रां वाचप, 'महात्म्यां' सांगप हे सारकेले धार्मीक वे गोंयांत मराठींतल्यान चलताले. अजून चलतात. गोंयांतले पुरो मुखेलपणान मराठी वाटारांतल्यान आयिल्ले देखून थंयचे वरी गोंयां मराठी हिंदूंची पालवी धार्मीक भास जावंक पावली जावंक जाय. (कोंक मराठी भितर डायग्लॉसीक नातें आशिल्ल्यानूय मराठी वाटारांतले पुरो गोंयांत पावले अशें म्हणूं येता.)

---

१. शणै गोंयबाब १९३०. **कोंकणी भाशेचें जैत**: ३९.

२. गोंयच्या देवळांनी अजून चडश्यो मराठी पाटयोच दिश्टी पडटात – 'पाद येथे ठेवा', 'शांतता राखा', 'प्रसाद घेतल्या शिवाय जाऊ नये', 'देवकृत्य पावती मागून घ्यावी', 'येथे ओटीचे सामान मिळते' हे तरेच्यो पाटयो. देवळ वचपी गोंयकारांचे संवकळिच्यो. 'हिंदू धर्माची भास मराठी' म्हणू काय दे अशें?

३. १९१३त शणै गोंयबाबालें **मोगाचें लग्न** नवेंच उजवाडा आयिल्लें. तेन्ना त गोंयच्या एका साताळ्यांत ताची कोंकणींतल्यान जायरात दिवची केल्ली अ ती घेवपाक खंय तें साताळें जायतें फाटीं फुडें आयिल्लें. **मोगाचें लग्न** पुस्त दुसरे उजवाडावणेच्या (१९३८) सुरवेच्या उतरांनी उजवाडावपी भौ. काशिनाथ नायक ही चोवीस वर्सां फाटली खबर सांगतात. शणै गोंयबाबाल्या काळार गोंय हिन्दू समाजांत कोंकणीची स्थिती कशी आशिल्ली ताचो अदमास घेवंक हीं सुर उतरां मुजरत वाचचीं. पळेयात: **मोगाचें लग्न**, तिसरी उजवाडावणी (१९८ ५-१०.

४. स्तोत्रां, भजनां, आरत्यो ह्यो मुळच्यो बरयल्ल्या साहित्याच्योच तरा. मळार अजून गोंयांत मराठी चलता. कोंकणींत कांय जाणांनी स्तोत्रां, भज आरत्यो बरयल्यात. (हांगा सुहासबाब दलालांचें नांव घेवंकूच जाय.) पूण रास मळार तांचो व्हडलोसो वापर जायना.

५. आयजूय गोंयांतल्या चडश्या मराठी 'सरकारी प्राथमिक शाळां'चें 'ख शिक्षणाचें – गिन्यान दिवपाचें, समजावन सांगपाचें – माध्यम कोंकणीच.

६. पळेयात: शणै गोंयबाब १९३०. **कोंकणी भाशेचें जैत**: ४७. त्या वेळाव हिंदू गोंयकार गोंयच्या थळांच्या नांवांचें आनी गोंयकारांल्या कुळनांवांचेंय बर मराठीकरण करतालो. **पानवेल, ताळगांव, बांदोडें, शिरोडें, दिवचल, व्हडलें** ग **बारदेस, साश्ट** हीं नांवां बरपांत **पनवेल, तळेगांव, बांदिवडें, शिरवडें, डिचो थोरले गोवें, बारदेश, साशष्टी** जातालीं. तशीं, **जोयशी, तेलिंग, परोब, देसप म्हांबरे** बी कुळनांवां बरपांत **जोशी, तेलंग, प्रभु, देशप्रभू, महांबरे** जातलीं. वयल्या आडनांवांतलो **कार** वचून थंय **कर** येतालें; **शणै शेणवी** जातालो. (प्रमाणांत अजून गोंयांत हें अशें घडटा.) आनी, मजा म्हळ्यार, हीं मराठी रु गोंयकारांक आपणाल्या नांवांची 'खरेलीं' रुपां दिसतालीं!

७. होय उल्लेख काशिनाथबाबांल्या सुरवेच्या उतरांनी आयला. पळेयात: **मो लग्न**, १९८९:८६.

गठी कडेन बरपांतल्या साहित्याचें गडगंज दायज आशिल्लें. तिचे
ज्ञानेश्वर, नामदेव, तुकाराम, समर्थ रामदास, मोरोपंत बी आशिल्ले.
ांचीं बोल्सां तशीं रितींच आशिल्लीं. तिचे कडेन ज्ञानेश्वर, नामदेव,
म, समर्थ रामदास, मोरोपंत हांचे सारकेले कोण नाशिल्ले.

कणी भास भुरग्यांक घरगुती वातावरणांतल्यान शिकयले बगर 'येताली'.
तांकां मुद्दाम यत्न करून शिकची पडटाली. इंग्रजी सरादींतले
शिकिल्ले लोक गोंयां येवन मास्तरकी करताले आनी तांचे कडल्यान
र मराठी शिकताले.[८]

ाठीक व्याकरणीक अभ्यासाचें दायज आशिल्लें. ती कशी उलोवची,
रोवची, खंयच्या प्रसंगार तिची खंयची शैली उपकरावची हाचे सगळ्याचे
ालून दिल्ले आशिल्ले. मराठीचें प्रमाणिकरण जाल्लें. प्रमाण मराठीचीं
ल्लीं व्याकरणां आशिल्लीं. तिचे कोश आशिल्ले. कोंकणीचीं व्याकरणां
ल्लीं पूण तीं कोंकणी मनशांनी कोंकणी मनशांच्या वापरा खातीर
ींतल्यान बरयल्लीं नाशिल्लीं. तीं भायल्या जाणकारांनी एका खाशेल्या
भायल्या भासांनी बरयल्लीं. कोंकणी कोशांचीय हीच तरा. कोंकणीचें
करण जावंक नाशिल्लें. 'मराठीवाद्यां'च्या हिसपान कोंकणीचें हें
ांचें वेगळेपण कोंकणी 'भास' न्हय[९] म्हूण सिद्ध करून दाखोवपाचो
ुद्दो आशिल्लो.

कड्यांनी वर्सां सावन हिंदू गोंय हे तरेन आपणाली भाशीक जीण
'वयली **भास**' आनी कोंकणी 'सकयली **बोली**' ह्या दोन भाशीक
वांटून घालून जियेत आयिल्लें.

राठी आनी कोंकणी भितर व्याकरणी बांदावळिचीं वेगळेपणां खूब
ल्लीं. पूण म्हूण मराठीच्या व्याकरणा परस कोंकणीचें व्याकरण सोंपें
ल्लें अशें मानपाक मात आधार ना. फर्गुजनान दिल्ल्या चार देखीं
या स्विस जर्मन आनी प्रमाण जर्मन ह्या डायग्लॉसियेच्या नात्यान
ल्या भाशीक रुपांकूय व्याकरणीक सोंपेपणाचें हें लक्षण लागू जायना.
कोंकणी मराठी भितर उतरावळिचें वेगळेपणूय खूब आशिल्लें.
ोंयचो मनीस मराठी उलयतालो तेन्ना सामान्यतायेन ताचे मराठीक
णी सुवाद' येतालो. म्हळ्यार, दोनूय भाशीक रुपांच्या मुळाक नादांची
बांदावळ आशिल्ली.[१०]

डायग्लॉसियेच्या णव लक्षणां (फर्गुजन १९५९) भितरलीं आठ लक्षणां
वर्सां फाटले 'हिंदू गोंयां'तले भाशीक परिस्थितीक बेस बरीं लागू
ात. ही परिस्थिती कशी, कित्याक लागून जल्मा आयली ह्या प्रस्नाची
य आमकां फर्गुजनांच्या निबंदांत मेळटा – (१) साहित्यीक नदरेन
ठी गिरेस्त, 'प्रस्थापीत भास' आशिल्ली. धार्मीक आनी सांस्कृतीक
णांक लागून गोंयचो हिंदू समाज ह्या साहित्या कडेन आपलेपणान
तालो. तो ताचे कडेन identify जाल्लो. कोंकणींतलें साहित्य चडशें
स्तांव धर्मा कडेन आनी क्रिस्तांव संस्कृताये कडेन जोडिल्लें आशिल्लें.
'भायले' – रोमी लिपयेंतूय बरयल्लें आशिल्लें. देखून, 'वनवाळ्यांचो
', 'सांत आंतोनीचीं अचर्यां' सारकेलें बरप 'आपलें' भाशेंत आसुनूय
क 'आपलें' दिस नाशिल्लें. आनी, 'ज्ञानेश्वरी', 'अमृतानुभव',
सबोध', 'मोरोपंती महाभारत', 'योगवसिष्ठ', 'द्रोणपर्व' बी साहित्य
न्यांचे' भाशेंत आसुनूय गोंयकारांक 'आपलें' दिसतालें. ह्या आपलेपणाक
न 'दुसऱ्यां'ची भासूय तांची 'आपली' भास जाल्ली.[११] आदल्या काळार
कार हिंदू मदलो एक ल्हान वर्गूच बरपाक्षरी आशिल्लो. हेरांक वाचूंक
वंक येना आशिल्लें, आनी (३) १ आनी २ वयल्यान शतमानांचीं
मानां उलगल्लीं. दोन कुडक्यांची भाशीक जीण जियेतल्या समाजाक
विचित्रूय दिस नाशिल्ली आनी तिचे पसून त्रासूय जाय नाशिल्ले.
ड' मागतल्याक गोड 'गोड' म्हणून दिवप आनी हिशेबाचे पटयेर मात
'गूळ' बरोवप; बसका सुरू जावचे पयलीं आपसांत खबरी कोंकणींतल्यान
मारप आनी मागीर त्याच लोकां मुखार 'बंधू भगिनींनो' म्हणून मराठींतल्यान
(मोठ्या कश्टान) उलोवप करप हाची समाजाक संवंय जाल्ली. डायग्लॉसिया
हिंदू गोंयची परंपराच आशिल्ली.

ह्याच गोंयांत वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकाराचो जल्म जाल्लो. चार
चवगां वरी वालावलीकारूय मराठीक गोंयची थळावी भास लेखताले.
मराठी-पुर्तुगेज शाळांनी वापरपा खातीर तांणी O Mestre Portuguez
म्हूण पुस्तक बरयल्लें. ह्या पुस्तकाचे पुर्तुगेज प्रस्तावनेंत तांणी मराठीक
a lingua vernacula म्हळ्यार, 'थळावी भास' म्हणिल्ली. तेन्ना (१८९९
वर्साच्या अदमासाक) तॉमास मैरांव हो पुर्तुगेज मनीस गोंयच्या शाळांचो
इन्स्पेक्टर आशिल्लो. वालावलीकारांची प्रस्तावना वाचून मैरांवान तांकां
म्हळें, 'गोंयची थळावी भास कोंकणी. ती मराठी कशी जातली?'
वालावलीकारांक सट्ट जालें. तांकां आपली चूक कळून आयली.[१२] आनी
कोंकणीचो दिश्टावो जालो. ह्या दिश्टाव्यान वालावलीकाराक 'शणै गोंयबाब'
केलो. तेन्ना सावन ते निमाणे मेरेन शणै गोंयबाब आपणाल्या – गोंयच्या
हिन्दू समाजाक डायग्लॉसियेंतल्यान मेकळो करपा खातीर वावुरले. मुंबयच्या
सारस्वत ब्राह्मण समाजाचे सभेंत ते गोंयच्या इतिहासाचेर **कोंकणींतल्यान**
उलयले. कोंकणींतल्यान ते **बरोवंकूय** लागले. जंय मराठी नाटकांच पळोवपाची
आनी माचयेर हाडपाची संवंय आशिल्ली तांकां तांणी 'मोगाचें लग्न',
'पोवनांचें तपलें', आनी 'झिलबा राणो' हीं नाटकां दिलीं. भगवद्गीताय
शणै गोंयबाबान कोंकणींत हाडली. आनी अशे तरेन कोंकणीच्या वापराचीं
मळां रुंदावपाचो वावर तांणी सुरू केलो.

---

८. **कोंकणी भाशेचें जैत**: २. शणै गोंयबाब म्हणटात, गोंयकारांक आपल्याच लोकांक जर आपली खाशेली आवय-भास शिकोवंक येना, आनी ती शिकोवंक तांकां परके लोक, तांणी बरयल्लीं पुस्तकां, वर्तमानपत्रां आनी नाटकांचे प्रयोग हांचेर आधारून रावचें पडटा जाल्यार ते जिका आपणाली आवय-भास मानतात ती खरेपणानशीं **परकी भास** म्हळ्यार, **धेडी भासूच** म्हणूंक जाय.

९. २६ जुलै १९२७च्या मडगांव सावन उजवाडा येवपी **हिंदू** नेमाळ्याच्या संपादप्यान भाशेचीं लक्षणां सांगून एक लेख बरयल्लो. कोंकणीक 'भास' नांव कित्याक फावना हें सांगपी हो लेख आशिल्लो. ह्या लेखांतलो एक मुद्दो – 'कोंकणी सरस्पत एकरुपी ना' (**कोंकणी भाशेचें जैत**: ३४) होच आशिल्लो. **हिंदूं**तल्या ह्या लेखाक शणै गोंयबाबान (कोंकणींतल्यानूच) जाप दिल्ली आनी ती त्याच वर्सा सप्टेंबर, ऑक्टोबर म्हयन्यांच्या अदमासाक केपेंच्या **भारत** पत्राच्या तीन आंकांनी उजवाडा आयिल्ली. शणै गोंयबाबाली ही जाप 'भाशेचीं लक्षणां' ह्याच माथाळ्या खाला **कोंकणी भाशेचें जैत** पुस्तकांत (पानां ३३-३४) आसपावल्या.

१०. गोंयच्या गोंयांत रावन मराठी शिकपी कोंकणी भाशिकाच्या मराठी उलोवपाचेर आयजूय कोंकणी नादवेवस्तेचो प्रभाव आसा अशें म्हणूं येता. आमी (गोंयकार) कोंकणी हेळे काडून मराठी उलयतात. इतलेंच न्हय, आमचे म्हाप्राणूय मराठी म्हाप्राणां परस मोवाळ जातात. मराठी उतरांतले मदले आनी निमणे सुवाते वयले म्हाप्राण आमी जायते फावटीं 'खातात'. असोच निमाणे सुवाते वयलो स्वरूय बी खूब फावटीं आमी 'खातात'...

११. हे भाशीक परिस्थितिचे फाटभुंयेर 'कोंकणींत बरपी साहित्य आशिल्लें आनी पुर्तुगेजांनी तें लासून ना नपयत केलें' ही म्हणणी आमी सारकी तर्जून पळोवंक जाय. कोंकणींत साहित्य आशिल्लें जाल्यार पाद्री तॉमास स्टीवन्सांक 'ख्रिस्त पुराण' मराठींत कित्याक बरयन दिसलें? दुसरें, ही साहित्यीक परंपरा, फकत पुर्तुगेजांनी साहित्य लासून उडयलें म्हूण, सामकी मुळा सावन ना कशी जावन गेली? कोणाच हिन्दूक ती तिगोवन दवरचीशी कशी दिसली ना? साहित्यीक मळार हिंदू गोंय पुर्तुगेज राजवटींत अशें मराठी कशें जालें?

१२. **कोंकणी भाशेचें जैत**: २१

शणै गोंयबाबां आदीं कोंकणी-मराठीचो वाद आशिल्लोच जाल्यार तो फकत भाशीक वाद आशिल्लो – व्याकरणीक नदरेन कोंकणी मराठीची बोली काय स्वतंत्र भास, ह्या मुद्द्याचेर केंद्रीत जाल्लो विद्वानां मजगतच्या मतभेदाचो तो एक विशय आशिल्लो.[13] शणै गोंयबाब हे तरेचे, कोंकणीचो पाखो घेवपी, व्याकरणीक नदरेन ती एक स्वतंत्र भास म्हूण सिद्ध करून दाखोवपी, निखटे विद्वान नाशिल्ले. विद्वत्ते वांगडा तांच्या विचारांत एक क्रांतिकारी समाजसुधारकूय आशिल्लो. तांगेलो कोंकणीचो दिश्टावो फकत व्याकरणीक सत्याचो एक अणभव नाशिल्लो. तो सांस्कृतीक बंदेपणाच्यो सरपळ्यो तोडून उडोवपी, समाजाक मानसीक गुलामपणांतल्यान मेकळो करपी दिश्टावो आशिल्लो. शेंकड्यांनी वर्सां सावन जो समाज अजाणपणान (शणै गोंयबाबांलेंच उतर) आपणाक मराठी लेखतालो ताका शणै गोंयबाबान हालोवन उडयल्लो आनी ह्या समाजाक एके नवे **कोंकणी** identityचो मंत्र दिल्लो.

शणै गोंयबाबांली क्रांती तांगेल्याच समाजांतल्यान – 'हिंदू गोंया' सावन सुरू जाताली. पूण ती थंयच सोंप नाशिल्ली. हिंदू गोंयाचे तुळेन 'क्रिस्तांव गोंयां'त कोंकणीचो वापर चड जातालो खरो. पूण ह्याय समाजांत कोंकणीक प्रतिश्ठा नाशिल्ली. हांगाय एके तरेची डायग्लॉसियाच आशिल्ली (हे विशीं फुडल्या लेखांत). शणै गोंयबाबान पळेलें – 'हिन्दूंक मराठी लोक आनी तांगेली भास व्हडलीं दिसतात आनी क्रिस्तांवांक पुर्तुगेज लोक आनी तांगेली भास व्हडलीं दिसतात... दोगूय परक्यांच्या नादांत आनी बडवाचारांत गुल्ल जाल्यात.' [14]ह्या दोगांकूय 'आपल्या खासा मेंदून येवजुपाचो'[15] संदेश तांणी दिलो आनी तांच्या हातांत कोंकणीची, एकवटाची घुडी दिली. ते बरयतात, '...आमगेले वाणी, चाड्डे आनी बामण, हिंदू तशे क्रिस्तांव हांणी गावडे आनी हेर सुदीर लेखिल्ल्या भावांक आपणाल्या उंच पांवड्यार चडोवन सगळ्यांनी मेळून कोंकण, कोंकणे आनी कोंकणी भास ह्या भौच सोबीत तिर्कुटाची भांगराची घुडी संवसारांत जयजयकारान फडफडावची.'[16] नव्या कोंकणी समाजाच्या ह्या सपनाक ते सांतेर आनी आंकवार मोरी – दोगांयचो आशिर्वाद मागतात.

फर्गुजन बरयतात तशें, काळ बदलूंक लागता तेन्ना डायग्लॉसियेची भाशीक समाजाक आडखळ जावंक लागता... ह्या नव्या काळाची सुलूस शणै गोंयबाबाक लागिल्ली. 'हिंदू गोंय' आनी 'क्रिस्तांव गोंय' ह्या गोंयच्या दोन वांट्यां मदली वेर सांदोवंक, निरक्षर लोकांक बरपाक्षरी करूंक, स्वतंत्र हिन्दुस्तानांत एक खाशेली identity आशिल्लें नवें राज्य घडोवंक कोंकणी बगर दुसरो मार्ग ना म्हणपाचें तांकां दिश्टी पडिल्लें. डायग्लॉसियेंतल्यान कोंकणी समाजाक मेकळो करूंक ते जिवीत भर वावुरले.

हे कोंकणी घुडयेक लागून गोंय गोंय उरलें, घटकराज्य जालें. कोंकणी साहित्य अकादेमींत पावली, राजभास जाली. आठवे वळेरेंतूय गेली. आयंज ती 'रांदचे कुडींतली भास' उरूंक ना. तिका 'क्रियादांची भास' म्हणून हिणसावंकूय कोण वचना. पूण तरी, कोंकणी मनशांचो भाशीक वेव्हार पळेल्यार प्रस्न पडटा, कोंकणी भाशीक समाज डायग्लॉसियेंतल्यान भायर आयला व्हय? (हे विशीं मुखावयल्या लेखांत.)

---

१३. डॉ. जुजे पेरैर हांगेलें **Konkani: A Language: A History of Konkani Marathi Controversy**, Karnatak University, Dharwar, 1971. हें पुस्तक मुजरत वाचचें. १८०७ वर्सा जॉन लीडन ह्या ब्रिटीश जाणका भारतीय भासांचेर बरयल्ल्या आपणाल्या लेखांत कोंकणीक 'dialect of Mahratta' म्हळ्ळी. ही कोंकणी-मराठी वादाची सुरवात अशें डॉ. पेरैर म्हणटात (प. कोंकणी-मराठीच्या भाशीक नात्या विशिंची जाणकारांची मत्तां, तांणी दिल्ले बी दिवन डॉ. पेरैरांनी कोंकणी-मराठी वादाचो हो इतिहास बरयला.

१४. शणै गोंयबाब. **आबे फारीय: वज्रलिखणी** (संपा.) शांताराम शं. वालावलीकार. कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय. १९७७: २०५.

१५. शणै गोंयबाब. **आबे फारीय: वज्रलिखणी.** २०६.

१६. शणै गोंयबाब १९४५. **येवकार अध्यक्षांलें उलोवप**: १३७.

ोगरू

काश पर्येंकार

मोगरू हुंडकेत हुंडकेत आवडूगेर गेलें. मोगरू आवडूच्या खळ्यांत पावतकच ोचो ताळो अदिकूच भरून येयलो. तें व्हडल्यान रडपाक लागलें. आवडू गरूगेर वचपाचे तयारेंत आसलें. मोगरू रडत येता तें बगून आवडू अजापलें. रा कडेन भयणिचे हळडिचो बोवाळ चल्ला आनी हें अशें रडत आमगेर ; असो प्रस्न आवडूक आफडून गेलो. मोगरू येयलें तेंच आवडूक वेंग रून रडोंक लागलें.

'अशें पिशें कशें रडटा कित्याक गो?' आवडून तेका प्रस्न केलो.

'बाया, म्हाका आनीक जगचेलें ना. मी जीव दितां. जगोन तरी काय रूं? नशिबच फुटकें माजें.'

'आगो जीव दितां जीव दितां म्हणटा तें, तुजें जालां तरी काय तें सांग', ावडून तेका पोशेल्ले वरी करून, वेंगांतलें पयस करीत विचारलें.

'भयणांचीं लग्नां जालीं. मी मात अशेंच भावाच्या घरा उरचें जालें. खंयच्या ल्मांत पाप केल्लें कोण जाणा.' मोगऱ्याचे दोळे तांबशे जाल्ले. आवडूक ागरूचें दुख्ख खबर आसलें. अशें कायीय जातकच मोगरू आवडूचेर घालून ता. आनी मुसमुसोन रडटा.

मोगरू धायेक वर्सांचें आसतना तेची आवय भायर पडली. बापूय भायर डल्यार पांच-स वर्सां जातलीं. मोगरूक दोग भयणी. आनी एक भाव. ाव सगळ्यां परस व्हडलो. भावाक तें बाबू म्हणटा. भयणांत मोगरू व्हडलें. ागरू आवडूक आवय मानता. आवय भायर पडले उपरांत आवडून आपलींच ुरगीं समजून तेंकां माया केल्या. मोगरू आवडूक बाया म्हणोन उलो मारता.

फाल्यां मोगरूचे निमाणे भयणिचें लग्न. आयज हळद. सोयऱ्या-धायऱ्यांनी र भल्लां. लग्नाचे तयारेचो बोवाळ चल्ला. भयणिच्या लग्नाची मनांत खोशी ासली तरी, तोंडार हांसो हाडून मोगरू सगळ्यां वांगडा बोवाळटा. हें हाड, ं व्हर. हें कर, तें कर. भायर-भितर तेच्यो कितल्यो फावटी पडटात तें ेकाच कळना. भितरले कुडींत मोगरूची मावशी शेंदरी हातळून बसल्या. ावशेकडेन घटकाभर उलयतलें असो मनांत विचार हाडून मोगरू वचून ुशीक बसलें. उलयतां उलयतां मावशेन मोगरूक फुड्यांत ओडलें. तकलेवेल्यान हात ओडीत मोगऱ्याक म्हणपाक लागली, 'म्हाज्या बायुच्या कपाळार अक्षदां पडों जायीं आसलीं. तितलें तरी बगूक देवान म्हाका जितें थेयल्यार पुरो. मागेर मेल्यार मरों. कोणयेक वासपूस घेयना म्हाज्या पोराची.' हीं उतरां मोगरूचे भावजयेन ज्युस्त आयकलीं. तिणें मदींच तोंड घातलें.

'वासपूस घेयना कशी? आमी आत्तां तेजें लगीन करपाक तयार आसां. हाडलेलोच झिलगो हेका मानवना. तेका आमी तरी काय करूं...?' भावजयेचीं हीं उतरां आयकोन मोगऱ्याच्या दोळ्यांत दुकां दाटलीं. तेका हुंडको येयलो. आनी दुसऱ्याच खिणाक पांयांतली तिडक मस्तकाक पावली.

'हय. शंबर सोयरीगती हाडल्यो म्हाका. मीच म्होडल्यो सगळ्यो. म्हाजेंच पाड पडलां... आतां तोंड घेवन वयतां एकदांचें. तुमकां आनी त्रास ना.'

कोणाचो बोवाळ म्हण सगळीं सोयऱ्यां धायऱ्यां मोगऱ्या भोंवतणी जमलीं. मोगरूचें काय जालां तें कोणाकच कळ्ळें ना. सगळे लोक आपणा भोंवतणी जमल्यात ते बगून तेका हुडको आवरना जालो. तेका आपलीच लज दिसोंक लागली. ते गर्दैंतल्यान तेणें वाट फोडली. दाणये वयलो तुवालो ओडून खांदार घेतलो. आनी तडक आवडूच्या घराची वाट धरली.

मोगरू भायर सरलां तें बगून तेचे फाटोफाट तेचो भाव बाबू भायर सरलो आनी तेका मेळोवन घेतलें. बाबून तेका समजावपाचो यत्न केलो पूण तें घरांत येवपाक राजी जायना जालें. मोगरें आपली सांगणी आयकना तें बगून तेचेर तो तिडकलो. 'तुका जायें थंय चल. आमकां मात फाटल्यान त्रासात घालूं नाका' अशें सांगोन बाबू जड पावलांनी घरा परतलो. घरांत वचोन काय जालां तेची तेणें चौकशी केली. घडलेली गजाल मावशेन बाबूच्या कानार घातली. बारीकशे गजालीक लागोन मोगरून येदो मोठो बोवाळ घातलो म्हणोन तो तेचेर पिकार जालो. नाका त्या वेळार घरांत किजील तयार केलें म्हणोन आपले बायलेचेर धेकणो घातलो.

'हेचें लग्न जुळोन येयना जाल्यार मी तरी काय करूं? हेका झिलगो सोदपाक आडे-कुशिचे सगळे गांव पांयापोंदा घातले. देव देवस्पण केलें. हेचें नशिबच फुटकें... हेंय पयलीं म्होडें. हेका झिलगे दाखयल्या त्या हिसपान, इतल्यान चार भुरगीं पदराक आसतलीं आसलीं. हेचें लगीण करूंक गेलों जाल्यार वाडलेलीं चेडवां घरांत उरतात... तुमीच हेका काय तें उत्तर दियात.' जमलेल्या सोयऱ्या-धायऱ्यांक बाबू समजावन सांगपाचो यत्न करतालो.

बाबून मोगरूक सोयरीगती खूब बगल्यो. धा-बारा चेडे भुरगे मोगरूच्या हातची च्या पियेवन गेले. पूण कोणाकच मोगरू पसंत पडलें ना. हेतुंतले चार-पांच जाण मोगरूच्या धाकट्या भयणांक मागणी घालून गेल्ले. आपणाक सोडून धाकट्या भयणांक मागणी घालतात तें बगून मोगरू मनांतल्या मनांत खंती जातालें. आपल्यांत उणें काय आसा हेचेर तें रात दीस विचार करचें. मनांतल्या मनांत आपली तुळा तें दोगांय भयणांकडेन करून बगतालें. नाक, दोळे, मुखामळ, केंस, आंगलोट... हातीन हारशी घेवन कितलो तरी वगत तें आपल्या रुपाक तेळीत बसतालें. दोनूय भयणी आपणाचेकय दशीरुपान निव्वळ आसात ह्या निर्णयाचेर तें पावचें. आपलें तोंड तें परत एकदां हारशांत बारकायेन बगचें आनी आपल्या रुपाची तेका चीड येवंची.

मोगरू आंगलोटान मानाय कशें. होणोन घातलेल्या झाडाच्या मुनाक आड फागूर येवंचे तशे चार-पांच दांत फुडें येयल्यात. तेका लागोन तेचो वयलो ओंठ मात्सो उखलून उल्ला. कोणाकय गजाल सांगोंक लागतकच तेचे ते दांत कुचो कशे दिसचे. ओंठय मातशे काळसार. माथ्याचे केंसय पातळ आनी मोटके. चलपय एखाद्या दादल्या भशेन. काम करून हात वातड जाल्यात. वतान आंगाची चामडी काळशेल्या. हेका लागोन मोगरू चेड्या मनशाचे नदरेक सट्ट करून भरना. अशें आसलें तरी मोगरू कामाक वाग. कुराड घेवन लाकडां फोडपा मेरेन तें पिकास घेवन खणपा मेरेनचें काम तें आपुलकायेन करता. वजें घेवपाक कोणाक आयकना. मोगरू कामाक वयचेलें केन्ना रावलें ना. फाटलीं कितलिंशींच वर्सां तें रब्बरांत दिसावड्याच्या कोंतार कामाक वयता. बाजाराच्या बाजाराक भावाचे हातीर चुकयनासतना अर्दो पगार दवरता. तेका लागोन भावाकूय मोगरू जड वचना.

वर्सां फाटीं पडलीं तशीं मोगरूक सोयरिको येवचेल्यो पातळ जाल्यो. आतां मात बाबूचेर आकांत येयलो. मोगरूक थंयच दवरून धाकट्या भयणांक लग्न करून दिलीं जाल्यार मोगरूक मागीर कोणयेक विचारचो ना हो भंय तेची न्हीद खळयतालो. पूण तो म्हणो काय करतलो. भयणिंचें वजें तेका ल्हव करपाचें आसलें. मोगरू फाटले भयणीक मागणी येयली. फाटींफुडें चिंती नासतना बाबू तेचें लग्न करपाक तयार जालो. आपले फाटले भयणिचें लग्न करूंक भाव तयार जाला ही खबर मोगरूक खीणभरच खोस दिवन

गेली. पूण दुसरे घटकेक तीच गजाल तेचें काळीज पोखरपाक लागली. सगळें दुख्ख गिळून मोगरू भयणिच्या लग्नाक खूब वावुरलें. किरवटीक आसलेल्या पयशांनी मोगरून आपले भयणीक कानांतले डूल केले. बाबू हेचेकडल्यान तेचेकडल्यान पयशे एकठांय करता तें बगून तेचे हातीर मोगरून पांच हजार रुपया दवरले.

भयणिचें लग्न जातकच मोगरू चडूच खचलेले वरी जालें. दिसान दीस तेका सुतकडो लागोन सुकलेले केळिचे कांडयेवरी तें आवळून येवंक लागलें. शेजारच्या आवडूकडेन सोडल्यार, धड घरांतय कोणाकडेन चड उलयना जालें. घरांतलीं कामांय मुकाट्यांनी करचीं. मोगरू मनान खचलां हें भाव आनी भावजयेक खबर आसलें. कोणें तरी चेड्या भुरग्यान मोगरूक मागणी घालची अशें तेंकांय मनापसून दिसतालें. मोगरूची जाल्ली आवतिकाय बगूं नज जाताली. गांवांत कोणाचेंय भुरगें दिसतकच तेका तें हड्ड्याकडेन घट्ट आंवळून धरचें आनी तेचो तें उमो घेवंचें. भावाच्या भुरग्यांक घेवन तें न्हंयचेर वयतालें. तेंकां न्हावंक घालचें, तेंचे कपडे उमळचे आनी घराकडेन येवन पयस नदर लावन वग्गी बसचें.

भयणिच्या लग्नाक तीन वर्सां जावन गेल्यांत. ह्या काळांत मोगरू निम्या चेड्याची एकूय सोयरिगत येवंक ना. ज्यो दोन-चार येयल्ल्यो त्योवूय धाकुडपणाक. कोणाची बायल भायर पडल्या आनी दोन भुरगीं आसात. कोणाची बायल पळून गेल्या आनी तो सोरो पियेता. कोणें एकल्यान भुरगीं जायना म्हणोन बायलेक धांवडावन घातल्या... मोगरूच्या भावाक दिसतालें, मोगरून एकल्याक तरी हय म्हणचें. पूण मोगरूक असल्या मनशांकडेन संवसार करपाचो नासलो. तेणें सरळ तेंकां न्हयकार दिलो. हेका लागोन मोगरूचो भाव, भावजय, मावशी, मामा, शेजाऱ्यां-पाजाऱ्यां सगळे तेजेर बेजार जाल्ले. 'ह्या म्हातुड्ड्याक आतां आनी आंकवार चेडोभुरगो मेळटलो ?' असो, तेचे अपुरकी टोमणे मारून मेकळे जाताले.

मोगरू खूब आशावादी. आपणाक आंकवार चेडोच येवन मागणी घालतलो असो तेका आत्मविस्वास आसलो. मोगरूचो देवाचेर खूब विस्वास. तें शेनवार पुजतालें. सकाळींफुडें उठून शेण-शिताडो घालचें. न्हावन धुवन देवाची पुजा करची. त्या दिसा तें दीसभर उपास करचें. नुस्तें आनी हेर मांसाहारी पदार्थ तेणें सोडुनच दिल्ले.

मोगरून आपणाक जाय तितल्यो वस्ती करून दवरल्यात. मणयांची माळ, तोडे, सरपळी, मुदी, डूल... अशीं भांगरां-शिंगरां तयार आसात. साडयो, घागरे, पोलके आनी हेर शिवणसूत करून आपल्या ट्रंकांत दवरलां. कामाक वयतना येतना गांवचो कोणूय तेका हटकिता आनी विचारता,

'अंदू आसा मगो वडे ?'

'आसा तर. खातलोच जा तूं' अशी तेका तें जाप दिता. आपले तकलेंतल्यो येवजण्यो तें एकल्या आवडू बायाक सांगता.

'माज्या लग्नाक, बाबूक मी रिणांत घालचें ना... जायो तितलो वस्त-दागिणो मी करून दवरला. कपड्यांचीय तयारी केल्या. बाबून येजमानपण तितलें केल्यार पुरो...' अशें सांगतकच आवडूक मोगरूची लक्तुबाय दिसची. जो कोण मोगरू कडेन लग्न जाता तो खऱ्यांनीच भाग्यवान अशें तेका दिसचें. आवडूय मोगरूक सोयरीगती सोदतालें. तेणें तेका दाबें गांवच्यान एक सोयरीगत हाडली. चेडो भुरगो दशीरुपान बरो आसलो. घरा काज-मुट्टो आसलो. धा-बार खांडी पीक येता इतली शेतवड आसली. पूण तो उजव्या पांयान मात्सो कुल्पाद. चलतना तो खूबच लंगडटालो. तेणें मोगरूक बगलें आनी लग्नाक हयकार दिलो. मोगरूकय चेडोभुरगो मानवलो. पूण प्रसाद घेवंक गेल्यार प्रसाद लागाना. मोगरू खूब खंती जालें. देव देवस्पण आनी ते उपास तेका घट दिसपाक लागले. तें तशेंच उठून आवडूकडेन गेलें आनी हो हो करून रडपाक लागलें. मोगऱ्याची जाल्ली अवतिकाय बगून दुसरे कडेन प्रसाद घेवया असो न्हिवऱ्याकारांक रकाद धाडलो. पूण तेंच्यांनी कानामनार घेतलें ना.

मोगरू सभावान बरें. वाटेर मेळ्ळेल्याक हटकल्या बगर तेचें पावल फु पडना. आयजवेर तेणें कोणाक नांवान हटकलो ना. बारकेल्या भुरग्यां बाबू, बाय जाल्यार जाण्ट्यांक मामा, मावसो, मावशी, मामी, बाया म्ह उलो करचो. गांवचे लोकय तेका मोगरू, बायू म्हणोन उलो मारचे. कोणाचें लग्नकार्य वा सण परब आसल्यार मोगऱ्याक सांगोन धाडल्यार पुरो. सांगलेल्ल वेळार तें हजर जावंचें.

सांजवेळार मोगरू कामाचें सुटोन घरा परततालें. वाटेर तेका गांवांतल सखाराम मेळ्ळो. सखाराम मात्सो कोमीक मनीस. मोगरू मेळ्ळेले फाव तो तेचीं कित्यावयल्यान तरी फकाणां मारी. आयजय तेका फकाणां मारपा खुरखुरी माल्ली.

'मोगरू बायू, आमकां वडे गो केन्ना दिता ? आसा बेगीन...?'

अशें म्हणानाफुडें मोगरू सखारामाचेर माडीभर उसळ्ळें. 'तूं जाताय माज कडेन लगीण ? तुका तुजे बायलेक मात सोडची पडटली. आसा तय जाल्यार आतांच येतां तुजे वांगडा...'

मोगरूचीं हीं उतरां आयकोन सखाराम खोटू जालो. तो आनी कांय उलयलो ना. मान सकयल घालून आपले वाटेन चलात रावलो. वाटे चलोन येताना राखारामा पयलीं गांवांतल्या दोगा जाणांनी मोगरूक असो थोमणो मारलेलो. त्या दोगांयकय कांयच म्हणो नासतना तें मुकाट्यां फुडें येयल्लें. मोगरून हो सगळो राग सखारामाचेर काडलेलो... मोगरू आजून रडटालें. रडोन रडोन तेचे दोळे सुजोन'तांबडे जाल्ले. आवडू, आवडू घरकार गोपाळ, शेजारचें साकरू आनी हेर लोक तेचे भोंवतणी जमलेले.

'मोगरू, अशीं पिश्यापणां काय करताय. सामकेंच भुरगें जाता मुगो चार चौगांत रडप म्हटल्यार आदीं पयलीं लज. अशें रडात रावलें म्ह झिलगो मनीस येवन तुका माळ घालतलो ? घडे भल्ल्या बगर खंय मेळानात...', साकरून आपले भाशेन मोगरूक समजायलें.

'तशें न्हू गो. आतां हातीन जाता म्हणो पेज पाणी खातां. मागीर म्हा कोण बगता ? बाबूचीं भुरगीं आतांच म्हाज्याकडेन कुसड्यांपाण करतात... मोगरून आपली खंत तेंच्या मुखार उक्तायली.

'बेश्टेंच फुडलें चिंतून तकली फोडूं नाका. तूं काय कण्णम ना. ना म्हटल्य पदराक तुज्या चार पयशे आसात. देवाचेर भरवंसो दवर.' गोपाळान मोगरू धीर दिलो.

'आतां या मगो आमी घरा ?'

'मी येवंचें ना. भावजयेचें उलोवन कोण घेतलो ?' मोगरून भावजये तिडक उक्तायली.

'भावजयेचेर राग केलो म्हणो जाता ? फाटींफुडें तिणेंच तुका पेज वाडू जायी', कोणें तरी एकट्यान आपलें मत मांडलें.

'भावजये खातीर वचों नाका. पूण बाबून आनी भयणीन तुजें काय केलां तेंकां वायट दिसचें ना ? लग्नाक म्होडायें घातलें म्हणोन लोक मात तु हसतले.' आवडून मोगरूच्या काळजाकच हात घातलो. मोगरून तक वयर उखल्ली आनी आवडूच्या तोंडाक बगीत रावलें.

'हय, चल तूं मोगरू. भयणीक लागोन तरी चल. तें दुसऱ्याच्या घ वयता. तेचें तरी मन दुखोवं नाका.' साकरूचीं उतरां आयकोन मोगऱ्य दोळे पाणावले. आपलेंच खंय तरी चुकलेलें अशें तेका आतां दिसोंक लाग घराकडेन वयतकच सोयऱ्यां-धायऱ्यांक आपूण आतां तोंड कशें दाखयत हें चिंतून तेची तेकाच लज दिसोंक लागली. तेणें परतून तकली सकय घातली. कांय वगतान मोगरून तकली वयर उखल्ली आनी दुकांनी भल्लेल दोळ्यांनी आवडूक बगपाक लागलें. मोगरू तशेंच उठलें. सोपावयलो तुवा उखलून दोळ्यांक लायलो. आनी मुकाट्यांनी घराची वाट चलोंक लाग तेच्या फाटोफाट आवडूय तेच गतीन पावलां उखलतालें... ***

़ॉर-सुवादीक कॉलम

दीप बोरकार

करा जाण' कोण असो खूब जाणांक प्रस्न पडटा.
लो एकलो मनोहरबाब हें हांव जाणां.
चे धा जाण कोण हें म्हाका खबर ना.
जावन घेवपाचीय म्हाका आतां गरज दिसना.
जाय जाल्यार हेरांनी संशोधन करचें.
म फा. स्टिफन्स बी केंद्रांचें. म्हजें न्हय.
म्हाका एक सांगनशें दिसता.
नीक आतां इकरा जाणांची खरी गरज आसा.
शे तयार जातले वो येतले तें पळोवंक जाय.
रबाबाच्या कर्तुत्व भौमानावेळार रवीन्द्रबाब उलयताले.
ब भावनावश आनी सद्गदीत जाल्ले.
चोय भोवमान बी आसलो की उलोवपी भावनावश जाता
लागून आयकुप्यांचीं काळजां सामकीं मोव पडटात.
व जालीं की भोवमानमुर्तिचें आयतेंच फावता.
या मोव काळजांक जाय तसो आकार दिता.
रांच्या आकारांचीं काळजां घेवन लोक भायर सरतात.
काळजां चडूच मोव जातात ते अडचणींत येतात.
क कोणाचो तरी सत्कार वा भौमान करपाचें चिंततात.
लागून खंय तांचें काळीज चड काळ तिगता.
हरबाबांच्या भौमानावेळार मोव जाल्ल्या काळजांचेंय अशेंच जालें.
रळ भायर आयले आनी तांणी आनीक एकल्याचो भौमान रचलो.
म्हळ्यार मणिपालच्या रमेश पै हांचो.
, मोव काळजां संवेदनशील दवरूंक पै मामाचो हात लागलो.
तो कोंकणी मनशाक अर्दी मर्दी लागताच म्हणा.
तांचो हात म्हज्या काळजा मेरेन अजून पावंक ना.
न म्हजें काळीज अजून तशें मोव जावंक पावलेंना.
पासत तें ह्या सगळ्या जंजाळांत घटमूट आसा.
विचारवंत कमलाकर म्हाळशी हांणी खंय तरी म्हळांच,
ीं काळजां घट आसतात तेच सारको विचार करतात.
र भंरवसून हांवेंय म्हजें काळीज मोव जावंक दिवंक ना.
जाल्ल्यान हांव थंडसाणेन विचार करूंक पावलां.
न्द्रबाब मनोहरबाबांचेर उलयतनाय तें थंड आशिल्लें.
णाकूय दिसत तें कला अकादमीच्या एसीक लागून बी म्हूण.
तें तशें न्हय. कृष्णकक्षांत सदां गरमीच आसता.
सांगपाचें म्हळ्यार, हांव रवीन्द्रबाबांचें बरप मन लावन वाचतां
वें खंयचेंय उलोवप कान दिवन आयकतां
ीर ताचेर चिंतन आनी मनन करतां
तुंतल्यो आचरणांत हाडपा सारक्यो गजाली सोदतां
की प्रमाण प्राधान्य तत्वाचेर त्यो आचरणांत हाडटां.
न्द्रबाबांच्या भाशणांतले दोन मुद्दे हांवें लक्षांत घेतले.
तन-मनन करूंक आनी जमल्यार आचरणांत हाडूंक.
लो म्हळ्यार इकरा जाण कोण ताचेर संशोधन.

(एकलो सांपडला. संशोधकाचेर धा जाणांचेंच टॅन्शन).
आनी दुसरो, गोंयाक आतां इकरा जाणांची गरज आसा.
पयलो मुद्दो आचरणांत हाडप म्हाका ह्या जल्मांत शक्य ना.
संशोधन म्हणटात तें म्हज्या नशिबांतूच बरोवंक ना.
संशोधकाची नदर, सभाव आनी चिकाटी आगळीच.
म्हज्यांत हे गूण नात.
संशोधक गोंयचे कोंबये वरी आसूंक जाय.
कोंबी जशी कोयरांत आपल्या दोनूय दोंक्यांनी उस्तिता आनी
कोयरांतलो जीव अचूक उखलता तशेंच संशोधक करता.
पूण आतां गोंयच्यो कोंबयो उण्यो जावन ब्रॉयलर आयले
उस्तवारी करिनाशिल्ल्यांचे व्हाय-वा जावंक लागले
कोणाचे प्रबंध कोणूय बरोवंक लागले.
आनी व्हाय-वाच्या नांवान जेवणावळी पडूंक लागल्यो.
अशा काळार हांवें संशोधन करप म्हळ्यार म्हजीं अवचिन्नपणां.
नाय म्हळ्यार म्हजे तकलेंत संशोधनाचें पिशें आशिल्लें.
कोंकणी भाशेंतली सगळ्यांत पयली डॉक्टरेट हांव घेतलों
अशी म्हजी भुरगेपणा सावन सुप्त इत्सा आसली.
तिकाच लागून हांवें म्हाका कोंकणी चळवळींत धुकल्लो.
र. वि. पंडितांक बी सांगून गोम्सबाबांक विद्यापिठांत हाडलो.
गावड्याक पंडित करून सगळेच पंडित जावया हें शणै गोंयबाबांचें मत
पंडितांक पटिल्लें.
र.वि. पंडितांचें तशें मुळासावन गावड्यांचेर प्रेम.
'म्हजें उतर गावड्याचें' ही ताका जिती जागती गवाय.
ताचेर आतां कोणें संशोधन करपाची गरज ना.
तर म्हजे संशोधन आशेक कोंबरी हाडली ती पंडितान.
तांणी ओलिव्हीनबाबांक विद्यापिठांत कोंकणी मुखेली केलो.
म्हाकाय म्हजो गुरू म्हूण असलीच त्यागी व्यक्ती जाय आसली.
तांच्या हाताखाला संशोधन करूंक मेळप म्हळ्यार भाग्य!
तेंच भाग्य पदरांत उडोवंक हांवें एम्.ए.क प्रवेश घेतलो.
कोंकणींतल्यान एम्.ए. ती! अभ्यास कित्याक जाय?
तरी हांवें दोन म्हयने रातिचे दीस करून अभ्यास केलो.
आनी आठ पेपरांतल्या सात पेपरांत नापास जालों.
एकाच पेपरांत पास जाल्लों तो ओलिव्हीनबाबांच्या.
ताचेवेल्यान म्हाका कळ्ळें, म्हाका अक्कल आसा.
अक्कल ना ती बाकिच्या सात जाणांक.
कोंकणीचे खरे दुस्मान ते हेच सात जाण.
आठूय पेपर ओलिव्हीनबाबान तपाशिल्ले जाल्यार म्हजें कल्याण जावपाचें.
(तरी बरें, आतां 'कल्याण' म्हूण मटको सुरू आसा)
एम्.ए.क हांव पास जालोंना आनी संशोधक जावपाचें म्हजें सपन भंगलें.
तेंच दुख्ख हांवें खूब काळ काळजांत बाळगिलें.
आनी चंद्रलेखाक डॉक्टरेट मेळ्ळी तेन्ना काडून उडयलें.
आतां रवीन्द्रबाबा सारके कोणूय याद करतात तेन्ना मातशें फुगासांव जाताच.

म्हज्या हातांतलो काळ गेलो म्हूण दुख्ख भोगता
पूण जयंती बी संशोधन करता तें पळोवन मनाक थाकाय लाबता.
इकरा जाणांतल्या धा जाणांचें संशोधन म्हज्या कट्टुलांत ना.
पूण ह्या गोंयाक इकरा जाण दिवप शक्य आसा.
कोंकणीक इकरा जाणांची गरज आसा हातूंत कोणाचें दुमत नासुंये.
एकूच गजाल म्हळ्यार, हे इकरा जाण आदले काय नवे हें निश्चित जावंक जाय.
आदल्या इकरा जाणांतले सद्या कितले आसात तें खबर ना.
तांचें चिवटपण आनी चिकाटी पळयत जाल्यार ते अजून खंय तरी आसूंक जाय.
जंय आसात थंय सामके दसून उरल्यात जावंक जाय.
तांचेर संशोधन केल्यार ते खंय आसात तें कळूं येता.
भंय एकूच. ते कोण हें कळ्ळ्यार तांच्या आसनाक धोको उप्रासूं येता.
जांणी गोंयांत इतिहास निर्माण केलो ते ओगी बसले?
तांच्या कर्तुत्वाक लागुनूच तर आजूय इकरा जाणांची गरज उप्रासल्या.
हे इकरा जाण कोण हाचेर संशोधन करचे परस
गोंयाक फुडले इकरा जाण कसले जाय हाचेर म्हज्यान संशोधन करूं येता आनी निवडूय करूं येता.
फकत वेंचतना ते आदले पिळगेंतले, मदले पिळगेंतले काय चालू पिळगेंतले हाचेर वाद जावं येता.
म्हजे विचाराचे तांकी प्रमाण आदले पिळगेक हात घालपाची सद्या गरज ना.
ते जंय आसात थंयच तांकां दवरप आयचे परिस्थितींत समा जातलें.
तांकां हालयले जाल्यार ते विनाकारण चवताळटले.
म्होंवा माल्याचेर फातर मारतकच म्होंवामूस चवताळटात तशे.
मागीर ते कोणाक कुसां तोंपीत तें सांगूं नज.
मदले पिळगेंतले तृप्त नासले तरी समाधानी आसात.
तशे ते मुळांत अल्पसंतुश्टी लोक.
उपाध्यक्षपद वा वांगडीपद हाचेरूच तृप्त जातात.
आयज इकरा जाण वेंचपाची खरी गरज आसा ती चालू पिळगेंतल्या तरणाट्यां मदल्यान.
तांकां आजून तशी कित्याची गोडी लागूंक ना.
फकत साकरेचो वास तांकां खंय तरी लागला.
साकरेच्या वा गोडाच्या वासान मुयो जश्यो जळामळाक धांवतात आनी मर्दी आडखळ हाडटल्याक चाबत सुट्टात तशी हे पिळगेची अवतिकाय जाल्या.
देखून हातुंतलेच इकरा जाण वेंचप गरजेचें.
आतां हे इकराच जाण कित्याक? चड कित्याक न्हय?
सद्याचे वाडिल्ले कोंकणी लोकसंख्येंत इकराच जाण सोदप म्हळ्यार हेरांचेर अन्याय.
इकराच जाणांची मक्तेदारी करप म्हळ्यार चालू पिळगी तें सोंसून घेवपाची ना.
पूण हांगा इकरा जाण म्हळ्यार फकत इकरा जाणूच न्हय.
तर इकरा जाणांचें एक माप वो एक गट.
सुरवेक कोंकणी चळवळ मर्यादीत आशिल्ली.
देखून इकरा जाणांचेर सगळें भागतालें.
पूण आतां दिशीं दिशीं चळवळ वाडटा आनी चळवळेय वाडटात.
ते भायर आतां बायलांय पदर खोवन मुखार येतात.
म्हणटकच आतां इकरा जाणां वांगडा इकरा जाणींय हिसपांत घेव
पडटल्यो.
अशा वेळार रवीन्द्रबाबान फकत इकरा जाण जाय म्हणप म्हळ्यार पुरुशप्र
संस्कृतायेक उदक घालप.
भर सभेंत तांणी बायलांचेर केल्लो हो धडधडीत अन्याय.
(ताचो सगळ्या थरांतल्यान निशेध जावंक जाय.)
पूण हांव बायलांचेर अन्याय जावंक दिवंचोंना.
(म्हजें बायलांवेलें प्रेम अजून उणें जावंक ना.)
हांव गोंया खातीर इकरा जाण वेंचतना इकरा जाणीय वेंचतलों.
मागीर तांचें कितें करप हें सवकासायेन थारावं येता
खंयचेय संस्थेक तशे इकरा जाण जाय पडटात.
एक अध्यक्ष, एक उपाध्यक्ष आनी णव वांगडी.
कोंकणी अकादमी, कोंकणी लेखक संघ, कोंकशी भाशा मंडळ बी संस्
अध्यक्ष-उपाध्यक्ष आजीव आसतात.
सरकाराचो राजभास विभागूय तसोच प्रकार.
ह्या सगळ्या विभागांनी इकरा जाणांचें माप भरून ओतपाचें.
प्रत्येक इकरा जाणांक सुखी समाधानी दवरूंक हें एक विस्कळीत लिस
आदली पिळगी, मदली पिळगी आनी चालू पिळगी हांचीं उपद्रव मुल
तांच्यो शेपड्यो बी तपासून घेवन सरमिसळ करूं येता.

१. कोंकणी अकादमी
२. कोंकणी भाशा मंडळ
३. कोंकणी लेखक संघ
४. कोंकणी राजभास विभाग
५. अस्मिताय प्रतिश्ठान
६. कला अकादमी
७. मार्ग अभियान
८. युवा साहित्य संघ
९. काणकोणचीं तरंगां
१०. कर्तुत्व भौमान समिती
११. इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझ

म्हाका दिसता, सद्या तरी ह्या इकरांचो आंकडो इकरा जाणांखातीर भर
जालो.
तातूंत कितलेय इकरा जाण आनी इकरा जाणी सुखासमाधानान नंदूं ये
अशें आसतना रवीन्द्रबाब मनोहरबाबांच्या कर्तुत्व भौमाना वेळार उलयत
सद्गदीत कित्याक जाले काय?
हेच येवजणेंत आसतना म्हाका प्रियोळच्यान तोबूचो फोन आयलो.
'तातोक पांच वरां बी व्हरून खंयूय बसोवन ख्यास्त करशात जाल्
हांव ओगी रावचोंना आं! तो बरो बी ना जाता मागीर... तुमी ता
भौमान करिना जाल्यार जाता म्हाका... आर्रा तूं!'
तोबूच्या फोनान हांव परतून येवजणेंत पडलों.
इकरा जाण सोदूंक हांव ताकतीक बी करिना मू?

* *

पांच कविता

□ शंकर रामाणी

(१)

जिणेचे
निर्शेल्ले, नाशिल्ले
वाटेचीं
अनंत अस्कडीं
वळणां
सोंपून सोंपनात.

(२)

अनमोड,
आंबोलेच्या घाटांची
खोलाय
हांवें
बसींतल्यान वतना –
येतना खूबदां ओखेल्या...
म्हजे जिणेच्या
घाटाचे खोलायेचो अर्थ लागून
लागना.

(३)

आयुश्याचीं
सत्यात्तर जनेलां
उकतीं जावन लेगीत
अजून
फांतोडेची सुलूस
लागूंक ना

(४)

सोंसलेल्या
तापत्रयांनी आयुश्य लासतकीर
काळजांत
खर गिमा उपरांत
मांडिल्ल्या गच्च कुपांक लागून
वेलंगां आजोळा
आज्जेच्या दोळ्यांत दाटिल्लो
दुकांचो मोनो पावस झडटना
ल्हानपणांत
हांवें पळेल्लो...

आजी गेली केन्ना!
पुणून
तिचीं दुकां काळाचे
मातयेंत रुजून,
किल्लून उदेल्ल्या वेलींक
आतां
ओले यादस्तिंचीं फुलां फुटल्यांत...

(५)

पयस
कितलेशेच पयस
पळेल्यार:
खंयचेकडेन कांयच ना.
कितेंच झळकना.
फकत
वयर तापिल्ले दनपारचें
म्हेळिल्लें मळब
आनी
सामकार अंतामेरेन
एक
पांचवोचार पूर्णविराम!

युगपरिवर्तनाचो यात्री

□ आर. एस. भास्कर

१

युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या
तूं चल.
तूं चल –
तर घुवन चोवनाका.
चलून आयलेली वाट
उल्लो मारीत रावतली
एक वेळा
तूं प्रलोभित जातलो
फुडारा विशीं
घुस्पागोंदळ पावतलो
तूं चल
पुण घुवन चोवनाका.

२

युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या
तूं चल.
चलताना तूं
पावलांक जोतें लाय
गिमाळ्यांत –
रस्तो तापून पिकून पडटलो
नागड्या उगड्या पावलांक तुज्या
त्रास भोगतलो
म्हणून –
तुजी स्फूर्ति सोंपतली
तूं चल
पावलांक पुण जोतें लाय.

३

युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या
तूं चल.
भायर सरतना
पांगरूण तुजें विसरूं नये
हेमंत येतना
थंडी हाडटलो
असह्य शींय
सूय जशी आंगाक तोपतली
शिरंतरां तुजीं
थंड जातलीं
आनी –
उमेद शेळेतली
तूं चल
पांगरूण पुण विसरूं नाका.

४

युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या
तूं चल.
सारंगी तुजी
हातांत आसो
हिंडत हिंडत
तूं कांय रानवाटेर पावतलो
रात जाता तेन्ना
चोंयवर्शी काळोख भरतलो
कोल्लो फुग्येल मारतलो
भुतां-प्रेतांचो आक्रोश जातलो
तेन्ना तूं
सारंगी वाज
सारंगीचो मंजूळ सूर
तुजें भय जिकतलो
तूं चल –
हातांत सारंगी घे.

५

युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या
तूं चल.
आखेर तूं
आगळ्या वेगळ्या जाग्यार पावतलो
थांगा नाळयेचो घुडघुडो पांवचोना
थांगा रक्ताचो व्हाळ व्हांवचोना
सपन तुजें
रुप्या वाटले भाशेन मळबार सोबतलें
तूं चल –
युगपरिवर्तनाच्या यात्र्या.

धग

□ **परेश नरेंद्र कामत**

कोणा अस्तुरेच्या पांयांतल्या पैंजणान
हुमरो साबुद्दीर येवंचो
तसो आपले भितर नदर रोमून
वळखुचो काळजार काळीज कांलयल्लो मोग.

आपणेच आपणाक सासपून पळोवचो
मनाभितर मेकळो सोडून;
रावची जागयत ओंठार काळजांत घुस्मटिल्ली,
मुंगरिल्ली, एकाद्रे कवितेची जीवघेणी धग.

आकूळ-पिकूळ जातना दोळ्यांतलें उदक गचारून
आपणेच आपणाक प्राणांतल्यान सादोवचो;
दिकांदिकांतल्यान वोताक जसो सावळेचो सांगात
तसो आपणेच आपणाक सांगाताक घेवंचो...

अळंग हुमरो हुपतना कोणा अस्तुरेच्या
पांयांतल्या पैंजणान; हुमऱ्यावरीच तट्टटीत
जागो जावन पळोवची:
पावलापावलांत आप्पाप मेकळी जायत वतना
हुमऱ्याभायली वाट...

देव

□ **अरूण साखरदांडे**

रस्त्यार खूब मनीस जंमिल्ले
तांचे मदीं
तीन मनीस आसले
एक, देव आसलेलो मनीस
एक, देव नासलेलो मनीस
आनी तिसरो, देव शेणलेलो मनीस

देव आसलेल्या मनशान म्हळें
– देव खंय आसा तें हांव जाणां
देव नासलेल्या मनशान म्हळें
– देव खंय ना तें हांव जाणां
देव शेणलेल्या मनशान म्हळें
– म्हाका भूक लागल्या.

कोणें तरी ताका बटाटवडो दिलो
देव शेणलेल्या मनशान तो बटाटवडो खालो.

बटाटवडो खातकूच ताणें म्हळें
– बटाटवडो खंय आसा?
कोणेंतरी म्हळें – तुज्या पोटांत
मागीर देव शेणलेल्या मनशान म्हळें
– तो बटाटवडो परतो मेळटलो?
कोणेंतरी म्हळें – ना.
मागीर देव शेणलेल्या मनशान म्हळें
– बटाटवडो शेणलो.
मागीर परत देव शेणलेल्या मनशान म्हळें
– म्हाका आनीक भूक लागल्या
कोण तरी समोसा हाडूंक गेलो.
तितल्यान 'मानीकोमा'ची गाडी आयली
आनी त्या तीन पिशा मनशांक घेवन गेली.

हें घर कोणाचें ?

□ नूतन साखरदांडे

हें म्हजें घर,
हातूंत हांव, म्हजो घोव
आमचीं दोगां भुरगीं
आनी शाली

हें म्हजें घर
सुंदर सजयल्लें
घांसून पुसून
चकचकीत
पूण केन्ना केन्नाय
दिसता
हांवूच म्हज्या घरांत
परकी कशें
'पेईंग गेस्ट'
म्हूण राविल्ले वरी

सकाळचीं आठ ते
रातचीं सात म्हळ्यार
आख्खो दीस
हांव घरा भायर
आनी घरा भितर शाली
शाली म्हजें घर सांबाळटा
म्हज्या भुरग्यांक न्हाणयता,
जेवयता –
तांचे कपडे फेरीं मारता
तांची टिफिनां भरता
तांकां इश्कोलांत व्हरता-हाडटा
घांसता पुसता
शिनता कांतता
उमळटा
नुस्तें उजरायता
इतलेंच कित्याक
घरांत कितें जाय नाका
तेंय पळयता
कितेंय शेणलें शालीक विचार
तें ज्युस्त हाडून दिता

शाली, नाल्ल सोंपल्यात ?
शाली, चावी खंय ?

शाली, पंचम केन्ना ?
शाली, भुरग्यांक वखदां दिलीं ?
सगल्या प्रस्नांक
शालीकडेन जापो आसतात

संवसार म्हजो,
पूण म्हज्या सगळ्या संवसाराचो
भार शालीचेर
शालीकूच्य आतां हें घर
आपलेंच कशें दिसता
कित्याक,
शालीचो बापूय बेबदो
केन्नाय १०-२० रुपया
मागूंक हांगा येत जाल्यार
शाली ताचेर बरेंच तापता
तेन्ना म्हाका शालीक
तापूंक कळटा म्हूण
होलमता

शालीची आवय भाजी विकून
चार-पांच जाणांचो
संवसार चलयता
चवथ, दिवाळी
शालीच्याच खुस्तार
भावणांक चोपड्यो, पुस्तकां
कपडे, सत्र्यो, जोतीं
शालीच व्हरून पावयता
मागीर हांव म्हणटां –
शाली,
कितेंय लग्नाकारणाक
गांठीक दवर मगो
शाली मागीर विचित्र
हांसता
आनी त्या हांशान
म्हजें काळीज हालता

शालीक पिक्चराचो खूब घोस्त
टिवीर पिक्चर आसलें की
ताचीं कामां त्या दिसा
बेगिनूच आटपतात
पिक्चरांतल्या नायक नायिकेच्या
मोगांत तें घुस्पता
कसलोय पिक्चर जावं
तांतल्या नायकाचें नायिके वांगडा
लग्न जावंकूच जाय
ना जाल्यार ताच्या
दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतात
व्हिलनाक तें गाळी
खेपत आसता

लग्नाचे पयले रातिचो
प्रसंग दाखयता तेन्ना
म्हाका शालीक लजूंक कळटा
हें समजता
ताचे पोले तांबडेगुंज जातात


म्हाका नवीं पिक्चरां आवडनात
पूण शाली पळेता आसतना
हांव टीवी बंद करिना
शाली म्हज्या संवसारा खातीर
इतलें करता
म्हाका ताचीं सपनां चिड्डुपाचो
कसलो अधिकार ?

शाली तापना
पूण केन्ना केन्नाय तें फुगता
बेश्टेंच न्हय
गॅसार च्याचें उदक सळसळटा
आनी हांव अर्द वर फोनार उलयतां तेन्ना
फोनाचें बील वाडटलें
गॅसाची वाट लागतली
आनी म्हाका कामाक वचपाक उशीर जातलो
हीं शालीच्या फुगपाचीं कारणां –

आनी तेन्नाच म्हाका प्रस्न पडटा
हें घर म्हजें काय शालीचें ?
आनी मागीर हांव कोण तर ?

ंदरखणींत कोंकणी उतरांचो 'फायदो'

्रीस्यु कार्दोज



आमी आगवादचे बंदखणींत आसल्यार एक वर्स जाल्लें. तेन्ना आमी ंत एकवीस जाण आसले. १९५५ वर्सा, आगोस्तांत, दोन-तीन दीस ंत्रताये दिसा आर्दी, दनपारच्या वेळार एका सर्जेंतीन येवन म्हाका, जगन्नाथ ोकार, जुजे लुईश द कॉश्त आनी वैकुंठ भट हांकां वेगीं न्हेसून तयार ंक सांगलें. कित्याक काय म्हण विचारल्यार तुमच्यो जबान्यो घेवपाक ंजे व्हरतात म्हण सांगलें. आमी तेन्ना जेवताले. सडसडीत जेवन आमी ाले. थोड्या वेळान आमकां खोलयेंतले भायर काडले आनी एकलो सैनीक ंकां व्हरूंक लागलो. थोडी वाट चलून आमी कोटा कोमांदांतिचे ommandante da praça) कचेरे लागीं पावले तेन्ना माळयेर थावन ं-तीग जाण आमचे फोटू काडटाले ते आमकां दिसले. हांवें जुजे लुइसाक ं, ''आरे, ते पत्रकार आसूंक जाय.'' बंदखणींत हेर कैद्यां परस आमी ोयेन ल्हान आसले – २०-२१ वर्सा भितरले. सुटके झुजारी म्हणटात ंसादे-भोळे पोरांटे म्हण पत्रकारांक दाखोवपाचो पुर्तुगेज अधिकाऱ्यांचो आसत म्हण म्हाका दुबाव आयलो. आमकां घेवन आयलल्या सैनिकान ्येर चडपाक सांगलें. (कोमांदांतिची कचेरी माळयेर उरताली.) कचेरेंत ंर सरतांच जगलां कशीं मारलीं – पत्रकारांनी आमचे फोटू काडले. ांदांतीन तोडके-मोडके इंग्लेजींत 'हे ते स्वातंत्र्य सैनीक म्हणटात ते' ा त्या पत्रकारांक सांगलें. ते पत्रकार गोरे कातिचे, विदेशी आसले. एकल्यान ं नांव, वय आनी वेवसाय कितें काय म्हण प्रस्न केलो. हांवें जबाब ो. ''तुका कित्याक लागून कैदी केला आनी बंदखणींत कसली वागणूक टा ?'' दुसरो प्रस्न विचारलो. तेन्ना हांव इंग्लेज समजतालों, पूण म्हज्यान भाशेंत लुसलुशीत उलोवंक जायनासलें. ताका इंग्लेजींत जबाब दितना लुडबेवंक लागलों. तेन्ना हांवें ताका सांगलें, तांचो कोणूय कोंकणी वा ोज भास जाणा जाल्लो दुभाशी आसल्यार हांव कोंकणींत ना जाल्यार ोजींत सांगतां म्हण. ताणें एका मनशा कडेन बोट दाखोवन म्हाका पुर्तुगेजींत ोवंक सांगलें. तो दुभाशी गोंयकार आसलो. हांव पुर्तुगेज सडसडीत उलोवन ातालों तेन्ना कोटाचो कोमांदांत म्हजे फुड्यांत आयलो आनी खरकस ाजान म्हाका पुर्तुगेजींत फर्मायलें: ''तुवें इंग्लेजींत सांगपाक सुरू केल्लें ा इंग्लेजींतच फुडें उलय.'' तेन्ना हांवें कोमांदांतीक पुर्तुगेजींत विचारलें, ्मी aqui é Portugal – गोंय पुर्तुगालाचो भाग म्हण सांगतात. पुर्तुगेज ची राजभास आसून म्हाका हे भाशेंत कित्याक उलोवंक दिनात ?'' ांदांतीन तांबडो जावन सांगलें: ''ना, पुर्तुगेजींत उलोयचो ना. तुवें इंग्लेजींत ोवंक सुरू केलेलें तेन्ना इंग्लेजींतच उलय !''

ा पत्रकार कितें समजुपाचें तें समजलो. म्हज्या तोंडांतल्यान डखळनासतना सत गजाल भायर सरलली कोमांदांतीक नाका आसली. पत्रकारान म्हाका हांव जसो उलयतां तसो इंग्लेजींत उलय म्हण सांगलें. तुटके इंग्लेजींत थोडकेंत जें सांगपाचें आसलें तें ताका सांगलें आनी टीं पत्रकारांक एक सुचोवणी केली – तांणी बंदखणींत येवन परिस्थिती ी कात आसा ती पळोवची म्हूण. ''आमी तर भुरगे पिरायेचे. पूण बंदखणींत ील, वैजं, शिक्षक आदी आसात. तांकां मेळात.'' हांवें अशें म्हणिनाफुडें ंरो कोमांदांत – 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसु – दोळे वटारून म्हाका चोवपाक ालो.

पत्रकारांनी म्हजे बराबर आसले तांकांय कांय प्रस्न विचारले. उपरांत ंकां खोलयेंत व्हेले. थोड्या वेळान ते पत्रकार 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसा ाताक बंदखणी भितर आयले. तांणी संडासाचे, रांदचे कुडिचे, दोरयांचेर घातलल्या कपड्यांचे फोटू मारले. दोतोर, वकील, शिक्षक आदी जाणांकडेन उलोवन तांचीं मतां आयकून घेतलीं. 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसाचें तोंड रागान फुगललें. आपलें बींग आमी फोडलें म्हण ताका भिरभिरी मारलली.

१९५५ वर्सा आगस्ताचे १५वेर गोंयांत व्हड सत्याग्रह जावपाचे आसले. तांच्यो बातम्यो दिवंक ते विदेशी पत्रकार गोंयांत आयलले. त्या दिसा गोंयांत अनेक सुवातांचेर लोकांनी सत्याग्रह केल्ले. त्या दिसा पत्रादेवीचो सत्याग्रह व्हड प्रमाणांत जाल्लो. निशस्त्र सत्याग्रह्यांचेर पुर्तुगेज सैनिकांनी निश्टुरपणान फार सोडून थोड्यांचे प्राण काडलले आनी जायत्यांक जखमी केल्ले. पूण त्या विदेशी पत्रकारांनी, एक-दोग जाणांक सोडले जाल्यार, पुर्तुगेजांच्या क्रूरपणाच्यो खबरो उजवाडा हाडूंक नात. हांव सुट्टकच म्हज्या एका राष्ट्रवादी इश्टान म्हाका तेन्ना कितें जाल्लें ताची खबर सांगली. पुर्तुगेज अधिकाऱ्यांनी एका गोंयकाराक त्या विदेशी पत्रकारां कडेन चालीबोली करूंक धाडलो. ताणें तातुंतल्या एकल्याक वळयलो. खरें कितें घडलें ते विशीं बरयना जाल्यार पुर्तुगेज सरकार जायते दुडू दिवपाचो आसा म्हण ताका आश्वासन दिलें. तो तयार जालो. उपरांत ह्या पत्रकाराक मदेस्थ करून हेर पत्रकारांक समजावपाचें काम ताचेर सोंपयलें. ते परमणें पुर्तुगेज सरकाराच्या दुडवां हांयसाक चडशे फारवले. पुर्तुगेज फौजेन सत्याग्रह्यांचेर कसली दारुणाय केली ती खबर तांणी प्रसिद्ध करूंक ना.

पत्रकार आगवादाक भेटून गेले उपरांत 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसान आमकां सतावपाक सुरू केलें. बंदखणींत गायन करपाक मना केलें; व्हडल्यान उलोवपाचें आडवारलें. कोणाचोय उलयतना आवाज मोटो जाल्लो आयकल्यार तो आरडटालो: ''pouco barulho... isto não é hotel, é prisão!'' बोवाळ नाका... हें हॉटेल न्हय. ही बंदखण!) एक दीस ताणें म्हाका तोंड काळें करून म्हळें, ''तूं सादोसो म्हण हांव समजतालों. पूण तसो न्हय म्हण आतां कळ्ळें!''

दर आयताराक सकाळच्या वेळार आगवादाच्या कोटा वयर पुर्तुगेज बावटो चडयताले आनी तिनसांजेर देंवयताले. बावटो चडयतना आनी देंवयतना चेरमेल वाजयताले. आमी आगवादाक आसल्यार एक वरस जाल्लें. कितलेशे आयतार आयले आनी गेले. आमचे वाटेक कोण येनासलो. पूण ते पत्रकार येवन गेले उपरांत तांची सया परतली. एका आयतारा सकाळीं बावटो चडयच्या वेळार एकलो खापरी सैनीक एक दांडो घेवन जनेला कडेन आयलो. दांडो जनेला वारांवांतल्यान भितर काडून पुर्तुगेजींत व्हडल्यान 'उबे रावात' म्हण धमकावंक लागलो. 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसु येतकच सकाळच्या प्रसंगा विशीं ताका सांगलें तेन्ना ताणें गंभिरतायेन पुर्तुगेजींत सांगलें, ''राष्ट्राचो बावटो चडयता-देंवयतना उबे रावप अंतर्राष्ट्री कायदो. तुमी उबे रावंकच जाय.'' ते उपरांत आमचे भितर उबे रावपा विशीं दोन गट जाले. अंतर्राष्ट्री कायद्या परमणें बावटो चडयतना-देंवयतना उबे रावंक जाय म्हणपी, आनी उबे रावप ना म्हणपी. पयल्या गटांत चड जाण आसले आनी दुसऱ्या गटांत थोडे. हांव ह्या दुसऱ्या गटांत आसलों. उबे रावप वा ना रावप हे विशीं आमचो जायतो वाद जालो. जर बावटो चडयतना उबे रावप अंतर्राष्ट्री कायदो तर 'उबे रावंक जाय' म्हणटात ते एक वर्स लेगून बसून कित्याक रावताले ? हांवें विचारलें. ''आमी माराक भियेवन उबे रावतात म्हण कबूल करून उबे रावुंया. पुर्तुगेज बावटो गोंयचे भुंयेर नाका आनी तो काडून ताचे सुवातेर भारताचो तिरंगी चडोवपाक आमी चळवळ करतात, झुजतात. पुर्तुगेज गोंय सोडून वतकच आनी आमचे आनी तांचे मदें इश्टागत जातकच तांच्या

बावट्याक प्रसंगा परमणें मान दिवुंया'', हांवें म्हजें मत मांडलें.

दर आयतारा बावटो चडयतना आनी देंवयतना जे कोण उबे रावनासले तांकां सैनिकांक धाडून जबरदस्तेन उबे करताले. असले परिस्थितींत तांच्या कर्तुबाचो निशेध करून आमी उबे रावताले.

१९५६ वर्साचो जून म्हयनो आयलो. जुनाची १० तारीख कवी लुईश दे कामॉंइशाचो दीस. हो दीस पुर्तुगालाचो राष्ट्रदीस – Dia de Portugal – म्हण पाळटात. आदल्या दिसा, जुनाचे ९वेर, 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसान आमचे खोलयेंत भितर येवन सांगलें, ''फाल्यां बावटो चडयच्या वेळार सगल्यांनी बरे न्हेसून भायर, सलामी घेतात थंय येवंक जाय.'' भायर वचपाक कोणाचीच तयारी ना म्हण ताका सांगतकच ''कोणाक भायर वचन दिसता ताणें वचचें'' अशें सांगून तो गेलो.

दुसऱ्या दिसा, १०वेर, रांदपाची पाळी म्हजी आसली. १० जून १९५६ दीस उदेलो. हांव आनी म्हजे दोग आदारी कुजनांत वावरताले. णव वरांचेर झेंडो-वंदन म्हण सांगलें. हांव चेड्डेंत आसलों तसोच रावलो. चेरमेल वाजलें. बावटो चडोवपाचो विधी जातकच 'तेनेंत' कॉश्त आफोंसान म्हाका काळखा कुडींत व्हरूंक लायलो. थंय म्हाका ताणें खूब थापटायलो. आपल्या बावट्याचो अपमान केला म्हण म्हाका काळखा कुडींत दवरलो.

१५ दिसांनी म्हाका काळखा कुडींतलो भायर काडलो. इतले मजगतीं कॉश्त आफोंसान कैद्यांचे दोन भाग केल्ले – गोंयकार (Goeses) म्हळ्यार 'पुर्तुगेज', आनी भारती (Indianos). गोंयकारांक एके खोलयेंत दवरलले आनी 'इंदियानां'क दुसरे खोलयेंत. हांव 'मस्तो' देखून म्हाका गोंयकारां भितर दवरनासतना भारत्यां बराबर दवरललो आनी म्हाका ते खोलयेचो मुखेली (chefe da cela) केल्लो.

त्या दिसांनी दर एका कैद्याक सरकार एक रुपया ५ आणे दितालो. आमी एकपंगत केल्ली. दर एकल्याचो एक एक रुपया जेवणा-खाणाच्यो वस्तू, जळव बी हाडूंक खर्चिताले आनी पांच आणे हेर जिनस जशे साबांव, टूथपेस्ट, बान्यानां, लुगट आदी हाडूंक मोडटाले. थंय म्हजीय गत त्या भारती कैद्यां सारकीच जाल्ली. हांव एकलो एकसुरो जाल्ल्यान म्हजी खबर घेतलो वो घरच्यो वस्तू हाडून दितलो कोण नासलो. हे परिस्थितींत हांव थंय काटकसर करूंक बरो शिकलों. त्या दिसांनी भायल्या गंवां पिठाचे रिते साक ८ आण्यांक (५० पैशे) एक मेळटालो. एका साकाची लांबाय-रुंदाय एक-एक मिटर आसताली. असल्या दोन साकांच्यो बारीक जावं मोट्या मनशाक तीन चड्ड्यो करपाचो 'फॉर्म्युला' हांवें सोदून काडलेलो. आमी थंय सवाय भितर रित्या पोत्यांच्यो चड्ड्यो, खमसां आदी शिंवून आंगाक घालताले. राजस्थानचो किसन सिंह हुशार दर्जी आसलो. तो हातांनी शिंवतालो ते कपडे मेशिनान शिंवलले परीं दिसताले. तो लुगट कसो कातरता अ[...] कसो शिंवता तें पळेवन हांव कपडे शिंवूंक शिकलों.

सरकार आमकां दुडू दितालो ते आमच्या हातांत येनासले. ते कोमांदां[...] कचेरेंत जमो जावन उरताले. फाल्यां दिसा ज्यो वस्तू आमकां जाय आसत[...] तांची वळेरी आदल्या दिसा सांजेर तयार करून काबा (cabo de guard[...] वरवीं कोमांदांतिचे कचेरेंत धाडून दिवंक जाय आसली. दुसऱ्या दिसा त[...] बसपागारी (रेफर्माद) गोंयकार सैनिक आमी मागयलल्यो वस्तू हाडून दिता[...]

आमी चिटी बरोवन धाडटालें त्यो वो आमकां येताल्यो त्यो सगळ[...] सेंसूर जाताल्यो. अधिकारी पयलीं वाचताले.

एक दीस एका कैद्यान घरा चीट बरयली की दुडू मेळटात[...] जेवणा-खाणाच्यो वस्तू हाडूंक पावनात. ती चीट सेंसूर जाली. बंदखणि[...] अधिकाऱ्यांनी उपरांत एक नेम केलो: जेवणा-खाणाच्या वस्तूं शिवाय [...] कसल्योच वस्तू हाडूंक जायनात. हो नेम आमकां सामको बाधलो. थोड[...] दिसांनी हाचेर हांवें एक उपाय सोदून काडलो. वस्तुंची वळेरी पुर्तुगेज[...] बरोवंक जाय आसली. ते वळेरेंत एके कडेन '2 sacos vazios de farinh[...] (दोन रितीं पिठा पोतीं) बरयतालों आनी दुसरे कडेन पुर्तुगेजींत बरयलल[...] मसाल्यां नांवां मर्दी '6 pitta poti' (६ पिठा पोतीं) बरयतालों. एके सुवा[...] '3 camisolas' बरयलां जाल्यार दुसरे सुवातेर जेवणा वस्तूं भितर रो[...] '४ गंजीफ्राक' ना जाल्यार '४ बान्यानां' अशें बरयतालों. थोड्या वे[...] कचेरेंत वावुरपी पाकलो काबाक ना जाल्यार सार्जेंताक म्हजे कडेन [...] कोंकणी उतरांचो अर्थ विचारूंक धाडटालो. तो म्हाका पुर्तुगेजींत विचारता[...] 'उ के ॲ पीतापति'. हांव ताका सांगतालों, é uma espécie [...] condimento – एका जिनसाचो मसालो. तो está bem (बरें आसा) म्ह[...] फुडें वाचतालो. 'उ के ॲ गांजिफ्राकि?', 'उ के ॲ बानियान?' म्ह[...] जबाब तोच आसतालो – एका जिनसाचो मसालो! ह्यो वस्तू पास करत[...] पूण पुर्तुगेजींत 'साकु वाजीयु दे फारीञ' वो 'कामिजोलाश' बरयल्यार [...] तीं उतरां चिरतालो. हे माण्णे वरवीं आमकां जाय जाय त्यो वस्तू [...] मेळोवन घेतालों. आमकां मालाची पुरवण करतालो तो वेपारीय बरो हु[...] आसलो. हांवें कोंकणींत बरयलल्या उतरांचो अर्थ तो समजून घेतालो अ[...] निश्चित त्यो वस्तू धाडून दितालो.

दुसऱ्या खोलयांतल्या कैद्यांक ज्यो वस्तू मेळनासल्यो त्यो म्हजे खोल[...] कश्यो मेळटात काय म्हण हेरांक अजाप जातालें. आनी एक दीस दु[...] एके खोलयेंतल्या एका कैद्यान 'तांकां त्यो वस्तू कश्यो मेळटात' व[...] म्हण सार्जेंता कडेन तक्रार केली म्हण म्हाका कळ्ळें. तेन्ना थोडे दीस म्ह[...] 'करामत' म्हाका बंद दवरची पडली.

✲ ✲

प्शिचमी समिक्षेकडेन इश्टागत

द्यार्थ्यांची गरज आनी सामान्य वाचप्यांचीय क भागोवपी तोलामोलाचें पुस्तक

नचंद्र गांवकार


ोंकणींत सर्जनशील साहित्या वांगडाच आयज चिकित्सक आनी क्षात्मक साहित्यूय बऱ्याच प्रमाणांत चंवरपाक लागलां. डॉ. किरण कुले हांणी बरयल्ल्या आनी राजहंस वितरणान उजवाडाक हाडिल्ल्या चमी समिक्षेकडेन इश्टागत' ह्या पुस्तकाची देख सामकी ताजी आसा. पयलीं 'साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी कायारुपां' हें समिक्षा विशयाचें आनीक एक पुस्तक पयलींच उजवाडाक आयलां.

ाटलो कितलोसोच काळ कोंकणीन सर्जनशील साहित्याकूच जल्म ी. हाका लागून समिक्षात्मक बरप सामकेंच उपेक्षीत उरलें. पूण हालिंच्या र कोंकणींत साहित्य-नियाळ, आस्वादन आनी समिक्षात्मक बरपाक दीस येवपाक लागल्यात. जायते बरोवपी आयज कोंकणींतल्यान क्षात्मक बरप करपाक लागल्यात. तांचेमदीं डॉ. किरण बुडकुले हांचें मुखेलपणान घेवचें पडटा.

डॉ. किरण बुडकुले हांचें 'पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत' हें पुस्तक येन समिक्षाशास्त्राचेर आदारिल्लें नासून तांणी ह्या पुस्तकांतल्यान चमेकडले समिक्षेची वळख कोंकणी वाचप्यांक करून दिवपाचो यत्न . हाचे पयलीं कोंकणी मनीस पश्चिमी समिक्षे कडेन पावूंक नाशिल्लो न्हय. पूण जांका संद मेळिल्ली आनी इंग्लेज भाशेचो आनी साहित्याचो यास आशिल्लो असल्याच मनशांक हे समिक्षेची वळख आशिल्ली. आयज पश्चिमी समिक्षा सामान्य मनशाक लेगीत डॉ. किरण बुडकुले या ह्या पुस्तका वरवीं उपलब्ध जाल्या. कोंकणी साहित्यिकाक आनी यासकाक ती कोंकणी भाशेंतल्यान पयलेच फावट उपलब्ध करून दिवन वपी डॉ. किरण बुडकुले हांणी कोंकणीखातीर खऱ्यांनीच व्हड वावर ा अशें मानचें पडटलें.

'पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत' ह्या पुस्तकांतल्यान पश्चिमी समिक्षेची वात कशी जाली तें धरून विसाव्या शेंकड्यांतल्या साहित्य-विचारामेरेन ची वाटचाल आमकां पळोवंक मेळटा. ते भायर समिक्षेच्या बुन्यादी चांची उस्तवारी, पश्चिमी समिक्षेचें मुळावण, प्लेटोचे विचार, रिस्टोटलच्या विचारांची फाटभूंय, ॲरिस्टोटलचें काव्यशास्त्र, भास आनी लीविशिंचीं प्लेटो आनी ॲरिस्टोटल हांचीं मतां, हॅरिसाचो काळ आनी ा काळावेलें काव्य, हॅरिसाचो समिक्षा विचार, क्विंटीलियनाची भास नी शैलीविशीं मतां, लोंजीनस आनी काव्यांतलें उदात्ततेचें तत्त्व, व-प्लेटोवादाचो उगम आनी प्रभाव, मध्ययुगीन साहित्यविचार, व-अभिजातवादाचो उगम आनी उदरगत, स्वच्छंदतावाद आनी ताची कल्पना, आधुनिक समिक्षाविचार ह्या सगळ्याची वळख डॉ. किरण बुडकुले णी सादे आनी सोंपे भाशेंत 'पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत' ह्या स्तकांतल्यान करून दिल्या.

समिक्षेच्या बुन्यादी तत्वांची उस्तवारी करता आसतना समिक्षेविशीं ोकांमदीं आशिल्ली गैरसमजूत लेखिकेन पयस करपाचो यत्न केला.



''समिक्षा म्हळ्यार साहित्याची विदर्णा करपी एक रुक्ष, निश्टूर वेव्हार नासून वाचप्याक साहित्याचो दिश्टावो घडोवपी एक संवेदनशील प्रक्रिया आसता... एखाद्र्या समिक्षकाची विचारीक खोलाय आनी जिविताविशिंचो दिश्टावो इतलो मोलादीक आनी विशाळ आसूं येता की ताच्या हातांत समिक्षा हें एक निखटें साधन न्हय, तर साहित्याच्या अख्ख्या प्रवाहाक, धारेक जावं प्रकाराक दिका दिवपी एक मंत्र, एक अस्त्र जाता. तेन्ना समिक्षेक साहित्याचेर अजरंवर प्रक्रिया करून ताचे सुप्त गुण उकतायिल्ल्याचें श्रेय मेळटा'' अशें त्यो म्हणटात.

समिक्षेच्या बुन्यादी तत्वां भायर समिक्षेची संकल्पना, अर्थ आनी विस्कटावणी, समिक्षेचे प्रकार, समिक्षेच्यो मुळाव्यो रिती हांचीय वळख ह्या पुस्तकांतल्यान घडटा. समिक्षेचें मुखेल कार्य साहित्याकडेन वाचकांचो सुमेळ सादपाचें आसता. समिक्षा वाचप्याक साहित्याचें पुरायेन आकलन घडोवन ताका साहित्याच्या केंद्रबिंदू मेरेन पावयता हीय गजाल लेखिकेन दाखोवन दिल्या.

पश्चिमी समिक्षेचें मुळावण जायत्या शेंकड्यां आदीं प्लेटो आनी ॲरिस्टोटल हांच्या समिक्षाविशिंच्या बरपान घालें अशें मानतात. साहित्य-समिक्षेच्या संदर्भात प्लेटो आनी ॲरिस्टोटल हांणी जी एकामेकांक विरोधाभाशी भुमिका घेतल्या तिचे भोंवतणी आर्विल्ले पश्चिमी समिक्षेचें पुराय मोस्त्र विणिल्लें आसा. हातुंतल्यानूच नवे सिद्धांत, नव्यो संकल्पना आनी नव्या विचारांची मांडावळ पश्चिमी समिक्षेंत घडत गेली. तातुंतल्यानूच उपरांत नव्या विचारांचे प्रवाह कशे तयार जाले तें आमकां ह्या पुस्तकांतल्यान पळोवंक मेळटा.

आयची आमची भारतीय समिक्षा अस्तमते कडले समिक्षेचेर आदारून आसा. समिक्षेच्यो ज्यो नव्यो संकल्पना, नवे प्रकार आनी नवे संप्रदाय अस्तमते कडेन तयार जातात तैच कांय काळा उपरांत हांगा पावतात. देखून अस्तमते कडले समिक्षेची वळख कोंकणी अभ्यासकांक पुरायेन

जावपाची गरज आसा. ते नदरेन 'पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत' हें पुस्तक खऱ्यांनीच खूब उपेगाचें थारता.

व्हड साहित्यिकाच्या आनी समिक्षकांच्या बरपा वांगडा तांची जिणूय म्हत्वाची थारता. ते कसली जीण जियेले, खंयच्या काळार जियेले, त्या काळावयली राजकीय आनी सामाजीक परिस्थिती कशी आशिल्ली तेंय तितलेंच म्हत्वाचें थारता. देखून बरोवपी डॉ. किरण बुडकुले हांणी पश्चिमेकडले समिक्षेवांगडा थंयच्या मुखेल समिक्षकांचे जिणेचीय थोडेभितर वळख करून दिल्या. तातूंत प्लेटो, ॲरिस्टोटल, हॉरेस, क्विंटीलियन, लोंजीनस हांचो मुखेलपणान आस्पाव जाता.

खरो प्लेटो जाणा जावन घेतले जाल्यार आमकां ताच्या विचारांची मानसीक बसका कशी घडली तें पळोवचें पडटा. तेच वांगडा ताचे सारक्या तटस्थपणान विचारांची मांडावळ करपी चिकित्सक विचारवंता कडेन काव्याची इतली जाण आनी ती उक्तावपी संवेदनशीलताय कशी आयली हेंवूय समजप गरजेचें. देखून ताच्या विचारां वांगडा प्लेटोची जिणूय समजून घेवप गरजेचें.

आमी प्लेटोचो विचार करतात तेन्ना ॲरिस्टोटलाक कुशीक दवरूंक मेळना. हरशीं ॲरिस्टोटल हो प्लेटोचो विद्यार्थी. पूण अभ्यास करतना ताचो समकालीन म्हुण्णूच अभ्यास करचो पडटा. ॲरिस्टोटलान आपले समिक्षात्मक विचार प्लेटोचे साहित्या विशिंचे भुमिकेक परती जाप म्हूण मांडल्यात. ते भायर ॲरिस्टोटल आनी समिक्षा हांचो संबंध इतलो लागिंचो आसा कीं साहित्याच्या इतिहासांत हीं दोनूय उतरां एकामेकां पसून वेगळावंक मेळनात. तशेंच, समिक्षेचो अभ्यास करता आसतना ॲरिस्टोटलाचें काव्यशास्त्र कशेंच कुशीक दवरूंक मेळना. 'पोएटिक्स' ह्या म्हत्वाच्या ग्रंथांत ॲरिस्टोटलान काव्याचें विश्लेषण केलां. पुराय साहित्याचें मुळावण काव्यांतूच आसा आनी काव्यूच साहित्याचो मूळ प्रकार हें आमकां ॲरिस्टोटलाच्या काव्यशास्त्रा वेल्यान दिसून येता. भारतीय विद्यापिठांनी खंयचेय भाशेंतले समिक्षेचो विचार करता आसतना ॲरिस्टोटलच्या काव्यशास्त्राचो मुखेलपणान आसपाव जाले बगर रावना.

समिक्षक आनी प्राध्यापिका आशिल्ल्यान लेखिकेक हें ज्युस्त खबर आसा. प्लेटो आनी ॲरिस्टोटलाचे जिणे वळखीक लागून कोंकणी अभ्यासकाक तांची जीण लागिंच्यान समजून घेवपाची संद ह्या पुस्तका वरवीं मेळटा.

प्लेटो आनी ॲरिस्टोटलच्या समिक्षाविचारा वांगडाच हॉरेस, क्विंटीलियन, लोंजीनस हांच्याय समिक्षाविचाराची वळख आमकां ह्या पुस्तकांतल्यान घडटा. तातूंत त्या त्या समिक्षकाची भास आनी शैलीविशिंचीं ताचीं मतां तशेंच काव्य आनी साहित्यावयलीं मतां पळोवंक मेळटात.

पश्चिमी समिक्षेची वाटचाल कशे तरेन जायत गेल्या, तशेंच, तिचीं म्हत्वाचीं पेणीं खंयचीं हाचो बारिकसाणेन केल्लो नियाळ आमकां ह्या पुस्तकांत पळोवंक मेळटा. तेच वांगडा उपरांतच्या काळांत साहित्यांत रिगिल्ले आनी समिक्षकांनी सोदून काडिल्ले तरेकवार वाद, तांचीय फोडणिशी मेळटा. तातूंत स्वच्छंदतावाद, अभिजातवाद, नव-अभिजातवाद, आधुनिकीवाद, वास्तववाद, अतिवास्तववाद, प्रतीकवाद, सैमवाद, वसाहतवाद, शून्यवाद, संरचनावाद, उत्तराधुनिकता, नवइतिहासवाद, नव-वसाहतवाद, अस्तुरीवाद ह्या वादांचो आस्पाव जाता. हे वाद पश्चिमेकडल्या साहित्यांत केन्ना आयले, कशे आयले हाचीय बारीकसाण आमकां ह्या पुस्तकांत पळोवंक मेळटा.

ह्या पुस्तकाचें खाशेलेंपण म्हळ्यार लेखिकेन स्वता तयार केली पारिभाशीक उतरावळ. पश्चिमी समिक्षेचो विचार कोंकणी भाशेंतल्यान गंभीरपणान अजून मेरेन जावंक नाशिल्लो. देखून अशी उतरावळ तयार करपाचो प्रसंग कोणाचेर येवंक नाशिल्लो. महाविद्यालयांनी आनी विद्यापिठांत कोंकणी समिक्षा शिकपी विद्यार्थ्यांक हे उतरावळिचो मुजरत उपेग जाले बगर रावचोना. ह्या पुस्तकाचें दुसरें खाशेलेपण म्हळ्यार, पुस्तक बरयता आसतना लेखिकेन कोंकणी साहित्याचो विद्यार्थी दोळ्यांमुखार दवरुनूच हें पुस्तक बरयलां. कोंकणी साहित्याच्या विद्यार्थ्यांक उपेगाक पडटल्यो अश्यो जायत्यो तळटिपो ह्या पुस्तकांत आसात. पश्चिम कडले समिक्षेची वळख करून दितना बरोवप्याची भास क्लिश्ट जावपाची शक्यताय आशिल्ली. पूण हांगा तशें जावंक ना. लेखिकेन हें पुस्तक जात तितले सादे आनी सोंपे भाशेंत बरोवपाचो यत्न केला. देखीक, समिक्षा कशी आसता हें सांगता आसतना त्यो बरयतात: ''समिक्षा ही भिंडांच्या सोलांवरी आसता. जशें तांब्याचे आयदन घांसलें की लकलकूंक लागता तेच वरी समिक्षाय साहित्यांतलें लिपिल्लें तेज उपलापें करता. पूण जशें आयदन कालांतरान परतें काळबट्टा तशेंच समिक्षेचेंय मोल काळावांगडा फाटीं पडूंक शकता. पूण हाचो अर्थ असो न्हय की साहित्यीक कृतिचें मोल खाला वतलें! परती घांसल्यार ती कृती परती लकलकतली...' अशे तरेचे सादे आनी सोंपे भाशेक लागून विद्यार्थ्यांवांगडा सामान्य मनशाक लेगीत ह्या पुस्तकाचो लाव घेवंक मेळटा.

कोंकणींतलें समिक्षा साहित्य अजून मुळावे अवस्थेंत आसा. आयज मेरेन कोंकणींत जें समिक्षा साहित्य तयार जालां तें साहित्य नियाळ, पुस्तक परिक्षणां आनी आस्वादनाच्या रुपान आसा.

कोंकणींतल्या समिक्षकांनी समिक्षेक हात घालचे पयलीं समिक्षेचें 'शास्त्र' शिकपाक जाय. हाका लागून समिक्षेचें प्रयोजन ताका कळूं येता. फाटल्या काळांत जें कोंकणी समिक्षेच्या नांवाखाला बरप जालां तातूंत साहित्यिकाची तुस्त तोखणाय आनी व्यक्तिगत टिका सोडल्यार चडशें कांयच पळोवंक मेळना. देखून हेर भासांतली समिक्षा कशी आसता तिचो अभ्यास जावपाची गरज आसा.

डॉ. किरण बुडकुले हांणी कोंकणी अभ्यासकाची 'पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत' करून दिवपाचो व्हड वावर केला हातूंत इल्लोय दुबाव ना.

पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत
राजहंस वितरण, गोंय १९९८
पानां १८८/-
मोल: ३७/- रू.

पोंच

निमज्जन (कथां झेलो)
प्रो. के. आर. वसंत मणी
अंजली प्रकाशन, पालक्काड, केरळ १९९९
पानां: ६७; मोल: ५०/- रु.

सुर्यवंशी (कवितां झेलो)
निलबा अ. खांडेकार
सुरू प्रकाशन, मंडूर-गोंय १९९९
पानां: १२३; मोल: १००/- रु.

ओथांबे (चिंतनां)
रवीन्द्र केळेकार
माणिकपद्म प्रकाशन, बांदोडें-गोंय १९९९
पानां: १६०; मोल: १२०/- रु.

REGD. No. GOA